Price Rs. 20/- (Rs. 25/- Outside Goa)

मासिक
बिम्ब
कोंकणी समाजाचें पडिबिंब

जानेवारी २०१०

म्हादय खातीर लवाद आनी लवादाचो वाद गोंयकार जातलो बाद?



हो पुरस्कार म्हज्या फावो त्याच पुरस्कराक योग्य वेळार लाबला.

– जॅस फेर्नांडीस

Start your day
with a Jordan smile
Classic
Interdental
Bi-level Bristles
Max Clean
Wave Cut
Ultra Care
Active Tip
Jordan*
Europe's leading toothbrush brand

कोंकणी मासिक

बिम्ब

वर्स : ३ अंक १

(आरएनआयचे कोंदणी खातीर तांत्रीक बदल)

जानेवारी २०१०

मूळ वर्स : ९ अंक १

मोल २० रुपया

मुखेल संपादक

दिलीप बोरकार

भुरग्यांचें आंगण संपादन

सुफला रुद्राजी गायतोंडे

मुद्रक आनी प्रकाशक

दिलीप बोरकार

छापणावळ

सह्याद्री ऑफसेट, खोर्ली-तिसवाडी

मार्केटींग व्यवस्थापन

कामिनी किणी

अक्षर जुळवणी आनी मांडावळ

श्वेता नाईक

वर्गणीचे दर

वर्सुकी २०० रु. / तीन वर्सां ५५० रु.

खंयच्याय म्हयन्या सावन वर्गणीदार जांव येता. वर्गणीचो चेक 'बिम्ब' ह्या नांवान धाडचो

संपादकीय पत्रवेव्हाराचो पत्तो

'धर्म-लक्ष्मी', सांत लॉरेन्स,

आगशी - गोंय ४०३ २०४

दूरध्वनी : (०८३२) २४३८३५५

E-mail : bimbkonkani@yahoo.co.in

ह्या अंकांत उक्तायल्ले विचार त्या त्या बरोवप्याचे आसात. संपादक मंडळ ताचेकडेन सहमत आसतच अशें ना.



(७) -दिलीप बोरकार



(४७)

हो पुरस्कार म्हज्या फावो त्याच पुस्तकाक योग्य वेळार लाबला.

- जॅस फेर्नांडीस

संपादकीय /३

प्रतिबिम्ब /४

कथा- रिणमुक्त/ उदय देशप्रभू/१२

ललित - नं. ध. बोरकार / १६

काव्योत्सव - राधा भावे /३१

मोलावणी - एस. डी. तेंडुलकार/३२

तेफळां - रूपा कोसंबे/३९

दिका - विन्सी क्वाद्रूस /४०

कथा - भान/उदय नायक/४२

इंद्रधोणू - किरण म्हांब्रे/५१

उमाळे - सुफला रुद्राजी गायतोंडे /५२

पडवेर - कुसुम अग्रवाल/५४

सपन फुल - हर्षा शेटये/५५

मालवणी- शाम मोरे/५९

आत्मनिरिक्षण - सिस्टर जॅसीन्ता पिंटो/६२

रांदची कूड - विमलताई प्रभूदेसाय/६३

डायरी-ए-काश्मीर - दिलीप बोरकार/६४

भलायकी - डॉ. वंदना धुमे/६८

उतरकुवाडें - संतोष शिवराम हळर्णकार/६९

आयलें तशें गायलें - दिलीप बोरकार/७०

व्यक्तित्व - जॅस फेर्नांदीश/७२

मनसंवेदना २७

एस. डी. तेंडुलकार

भरत नायक

जयंत कायकिणी

नरेंद्र बोडके

शोभा शिवा फुलकार

हेतल सुभाष शाह

श्रिनिशा नायक

शैला (तरूलता) धुमटकार

भुरग्यांचें आंगण ३४

सिया अ. पंडित

सुवेधा सुनिल पालकार

भिकाजी घाणेकार

कुमूद भिकू नायक

संजना स. घोडगे

नम्रता शैलेश सालेलकार

S. L. SHET

JEWELLERS & DIAMOND HOUSE

K. S. Rao Road, Mangalore. Ph : 2440242

रेखाचित्रां - गिरिश नंदा बोरकार

MARUTI True Value
The sign to trust

EXCHANGE

Finance

MARUTI SUZUKI
Count on us

SAI SERVICE®
GOA | MAHARASHTRA | KERALA

Now In All Major Towns Of Goa

TO SERVE YOU.

PORVORIM: Ph. 2417775/ 2414330 **MAPUSA:** 2267000/ 6523438
PONDA: Ph. 9822101135 **VERNA:** Ph. 2791190/ 3984000 **VASCO:** Ph. 2542653

Your first choice for a Maruti

SAI SERVICE®

PORVORIM • MAPUSA • PONDA • VERNA • VASCO

Authorised dealer for Maruti | *An ISO 9001 certified company*

संपादकीय

जेसबाबांक परबीं! पूण...

२००९ सालांतलो केंद्रीय साहित्य अकादेमीचो राष्ट्रीय पुरस्कार आमच्या जेस फेर्नाडीसबाबांक फावो जाला. जेसबाबांक ते पासत काळजाथावन परबीं. जेसबाबांक ह्या पुरस्कारान राष्ट्रीय साहित्यिक म्हूण मान्यताय फावो जाल्या.

गोंयांक साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार नवो न्हय. देशांतल्या हेर २२/२५ भासांतल्या पुस्तकांक दर वर्सा हो पुरस्कार जाहीर जाता तातूंत कोंकणीचोय आसपाव जाता. आतां मेरेन २४ गोंयकार कोंकणी साहित्यिकांक हो पुरस्कार फाव जाला. देखून जेसबाबांक तो मेळ्ळा हातूंत तशी नाविदाद ना. पूण हो पुरस्कार मेळप्यांमदीं जेसबाब हो पयलो क्रिस्तांव समाजांतलो साहित्यिक.

खरें म्हळ्यार साहित्याचो आनी जात-धर्माचो कसलोच संबंद ना. आसुंकय फावना. साहित्यिक वो हेर पुरस्कार कोणूच जात-धर्म पळोवन भेटयनात तर साहित्याचो वो त्या त्या कलेचो दर्जो मोलावन भेटयतात. हें अशेंच जावंक जाय वो अशेंच घडूंक जाय असो आमचो सगळ्यांचो हावेस आसलो तरी हातूंत एक अंडर करंटूय आसा तो निखालूस आडनदर जायना.

आमकां जात-धर्म लागना अशें जरी आमी म्हणलें तरी एखाद्रो राष्ट्रीय पुरस्कार लाभतकच तो कोण? असो एक प्रस्न तयार जाताच आनी तो आमचोच अशें कळटकच त्या त्या जातधर्मांतल्या लोकांचीं हड्डीं मुखार येतात. जर तांच्या वाट्याक तो पुरस्कार आयलोना जाल्यार तांका थंय जाती-धर्माचें राजकारण दिसता. हें सत आमी न्हयकारूंक शकनात.

गोंयचे कोंकणी भाशेक गोंयांत जी जी सुवात मेळ्ळ्या ती सोंपेपणी मेळूंक ना. ती मेळोवपाखातीर गोंयकारांक झुंजचें पडलां. लोकशाय तंत्राचो जेन्ना मुद्दो आयला तेन्ना मोठे संख्येन हात वयर केला तो गोंयच्या किरिस्तांव समाजांतल्या लोकांनीं. तेच पासत गोंय वेगळें उरलें. तेच पासत कोंकणी गोंयची राजभास जावंक पावली. जर किरिस्तांव भाव-भयणी एकवटान मुखार सरूंक नाशिल्ल्यो जाल्यार कोंकणीक जी कितें जैतां मेळ्ळ्यांत तीं मेळूंक कळाव लागपाचो.

गोंयच्या क्रिस्तांव समाजाचो हो वावर पळयत जाल्यार कोंकणीच्या जैतांत तांचो मोलाचो वाटो आसा हें सत्य. पूण कोंकणीच्या वाट्याक आयिल्ले पुरस्कार जावं पदां मेळपाखातीर हो इतलोच क्रायटेरिया पुरो? कांय लोकांक तशें दिसताय बी. तेच पासत रोमी बरयतल्यांक साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार मेळूंक जाय अशी एक मागणी वयर येवंक लागली. खरें म्हळ्यार हे मागणे भितरलो सूर आशिल्लो तो इतलें वावरुनय क्रिस्तांवांच्या वांट्याक कांयच ना. तांका हे असले राष्ट्रीय पुरस्कार गोंयांत फाव जायनांत. पूण कोण धर्माच्या नांवान तशें उलोवंक धजनाशिल्ले. ते पासतूच रोमी लिपयेचो आदार घेवन ही मागणी मुखार आयिल्ली.

साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार हो देशांतलो शासकीय स्तरावेलो साहित्याचो सर्वोच्च पुरस्कार. तो मेळपाखातीर हेर भाशेंतल्या लोकांक प्रदीर्घ प्रतिक्षा करची पडटा. इतलेंय करून तो मेळटलोच अशी खात्री नासता. थोड्यांक तर तो केन्ना मेळच ना. आनी कोणाक? जांका ते ते भाशेंतले दिग्गज साहित्यिक म्हणूं येता तांका.

धरुया एके भाशेंत त्या वर्सा साहित्य अकादेमीच्या पुरस्कारा खातीर शंबर पुस्तकां आयलीं. तातुंतल्या फकत एकाच साहित्यिकाक हो पुरस्कार फाव जाता. म्हणटकच बाकीचीं पुस्तकां आनी साहित्यिक म्हळ्यार कितें सामकेच बाद? ह्या शंबरांतलीं अर्दी तरी पुस्तकां आनी साहित्यिक त्याच तोलामोलाचे आसतात. पूण त्या पुस्तकांक, त्या साहित्यिकाक पुरस्कार फुडाराक मेळटलोच अशें सांगू नज.

मराठीचो प्रस्न येता तेन्ना आमी आमच्या बाकीबाबांक, लक्ष्मणराव सरदेसायांक, तार्णी मराठी साहित्य समृध्द करूनय मराठी लोकांनी साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार दिवंक ना म्हूण शिणटात. हो शीण ह्या गोंयकार दिग्गजांच्या प्रेमावेल्यान काडप जाता. पूण वेव्हारीक आनी राजकीय नदरेन पळयत जाल्यार महाराष्ट्रान गोंयकारांक येदो व्हडलो राष्ट्रीय पुरस्कार कित्याक दिवप? तांचे स्वताचे, महाराष्ट्राचे दिग्गज आसतना तांका डावलून हेर राज्यांतल्या लोकांक तो भोवमान दिवप म्हळ्यार काळजाचें मोठेपण दाखोवप न्हय. तीं पिशेपणाच म्हणपाचीं. मराठी ही महाराष्ट्राची भास. ते भाशेंतल्यान तिच्या पुतानी साहित्यसेवा करपाची. आमच्या बाकीबाबान ती केली म्हूण ताका तार्णी तो भोवमान दिवंकूच जाय हो खंयचो न्याय? बाकीबाबान सेवा करपाची आपलेभाशेची. ती करून आपले भाशेखातीर आशिल्लो पुरस्कार तार्णी जोडपाचो.

आमचो विष्णु सुर्या वाघ खंयच्याय मराठी साहित्यिकापरस चड तोलामोलाच्या साहित्याची निर्मणी करता. पूण ताका मराठी मनीस केन्नाच साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार दिवपाचे नांत. विष्णुन कोंकणीची सेवा करून तो घेवपाचो आसता. फावल्या वेळार मराठींत बरोवन ते भाशेवेलें प्रभुत्वय तार्णें दाखोवं येता.

अशें हें सगळें आसतना जेसबाबांक हो पुरस्कार मेळप हो केदो भोवमान हें समजून घेवपाचें. 'जाका पुरस्कार फावता ताकाच तो पावता' हें हेरांनी मतींत धरूंक जाय. जेस फेर्नाडीस हे कोंकणीचे निश्ठावंत सेवक. तांचे सेवेचो कोण दुबाव घेवंचो ना. रोमी लिपयेंत साहित्य निर्मणी आरंभ करून, रोमीत भरपूर बरोवन लेगीत जेसबाब सदांच नागरीवटेन रावले. तार्णीं लिपयेचें राजकारण मानून घेतलेंना. तार्णीं गोंयच्या लोकांच्या फुडाराकडेन नदर दवरून हो निर्णय घेतिल्लो. आज तार्णीं रोमीवाले लेगीत नागरीवाल्यां इतल्याच तोला मोलाचें साहित्य रचून साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार घेवंक शकतात हें दाखोवन दिल्लें आसा. विन्सी क्वाद्रूश, ग्वादालूप डायस हींय तांचे उप्रांतची पिळगी देवनागरींतल्यान दर्जेदार साहित्य निर्मणी करतात. तांकाय फुडाराक हो पुरस्कार आसतलोच. तो तांकां मेळटलो तांच्या साहित्याच्या दर्जाक लागून. न्हय ते लोक अमूकच धर्माचे म्हूण. जे कोण तसो विचार करतात तांका अप्रबुध्द म्हणचें पडटलें. तांका ह्या समयार माफ करून आमी जेसबाबांचें अभिनंदर करुया. तार्णीं हो पुरस्कार जोडून दाखोवन दिलां की पुरस्कार हे अमकेच लिपयेक मेळनात, अमक्याच धर्माक मेळनात. तर साहित्याच्या दर्जावेल्यान साहित्यिकांक मेळटात. गोंयच्या साहित्यिक मळार तेच पासत जेसबाबांचें खेरीतपणान नांव उरतलें.

तरीपूण जेसबाबान एक गजाल मतींत दवरूंक जाय. ह्या पुरस्कारान जेसबाबांक व्हडल्या म्हासागरांत व्हेला. ह्या म्हासागरांत साहित्याची तपश्चर्या केल्ले व्हड व्हड साहित्यिक जेसबाबांक मेळटले. तांका त्याच स्तराचेर मेळपाची तयारी आतां तार्णीं दवरूंक जाय. आपली उंचाय आनी खोलाय आपल्या सांगाताक घेवन पावलां मारूंक जाय.ताचेवेल्यानूच हेर विद्वानांक गोंयच्या साहित्यिक व्हडपणाचो दिश्टावो घडटलो.

प्रतिबिम्ब

डिसेंबरचो बिम्ब अजापाचोच म्हणपाचो!

डिसेंबर २००९चो अंक हातांत पडलो आनी तो खरेंच कोंकणी अंक काय कितें असो दुबाव पडलो. कोंकणीच्या आयजमेरेनच्या इतिहासांत अशे तरेचो कोंकणी अंक कोणेच काडूंक ना. आमी असलो अंक इंडिया टुडे बी पळयल्लो. त्याच तोलामोलाचो अंक आमचे भाशेंतूय काडूं येता हें खरेंच दिसना. तें तुमी करून दाखयलें म्हूण तुमकां धन्यवाद.

डिसेंबर अंकाचीं सगलीं पानां रंगीत आयिल्लीं जाल्यार ती एक इतिहासीक घडणूक थरपाची. पूण इतलें जें केलां तें कमी न्हय म्हूण तुमकां परबीं फावता. आमची कोंकणी केन्ना अशी गिरेस्त जातली असो प्रस्न पडटालो. आतां तो हुसको ना. तुमी कोंकणीचेंय अशें दर्जेदार मासिक येवं येता हें सिध्द करून दाखयलां.

म्हाका हांगा एक सुचोवणी करीन दिसता. दर वर्सा नोव्हेंबर म्हयन्याक गोंयांत इफ्फी जाता. ह्या धा दिसांत दर दिसा इफ्फीक रंगीत पुरवणी काडटात. प्रतिनिधी ती वाचतात काय खबर ना. पूण ती छापूंक लाखानी रुपया खर्च येता जावंक जाय. जर ह्या धाय दिसांचे कार्यावळीची पुराय म्हायती बिम्बा सारक्या मासिकांत छापली आनी ती आमच्या सारक्यांलागीं पावली जाल्यार ताचो खूब फायदो जावं येता. बिम्ब परिवाराक आर्थिक नदरेन तें परवडपाचें ना ही खरी गजाल. पूण मनरिजवण संस्थेन वो गोंय सरकारान ही आर्थिक जबाबदारी घेतल्यार हें काम नक्कीच जावं येता. हाका लागून पयसो उदकांत वचचोना आनी आमच्या सारख्यांक फुडाराक संदर्भ म्हूण ताचो वापर जावं येता.

मुखेलमंत्री दिगंबर कामत हे कलाप्रेमी म्हूण प्रसिध्द आसात. तांचेकडेन हो विशय मांडल्यार ही गजाल सत्यसृश्टींत येवप शक्य आसा. तुमी तसो प्रयत्न करून दर वर्साचो डिसेंबराचो अंक आमकां रंगीत दितले अशी आस्त बाळगितां.

कोंकणीक हें भाग्य फाव जातलें अशी खऱ्यानीच म्हाका आस्त आसा.

तुमकां परतून एकदां परबीं आनी नव्या वर्साचीय परबीं.

– ज्योती मुणकार
थिवीं, बार्देस

प्रिय दिलीप,

बिम्ब मासिकाचो डिसेंबर २००९चो अंक मेळ्ळो. अंक भोव सोबीत, सुंदर आनी दर्जेदार जाला. आठ वर्सां तुवें तकालस करून बिम्ब चलयला. कोंकणी समाजाक हाचो अभिमान दिसूंक जाय. रंगयाळो अंक वाचूंक मेळिल्ल्यान खूब खोस जाली.

तुका परबीं.

बरें मागून,
तुजो
सुरेश आमोणकार

मार्चाचो महिला विशेशांकूय तसोच दर्जेदार येता

डिसेंबर म्हयन्याचो बिम्ब मासिकाचो अंक गडगंज ८० पानांचो काडटनाच तो दर्जेदार कागद वापरून रंगीत काडलो देखून खूब वाचकांनी बिम्बाक परबीं भेटयल्यांत.

दर वर्सा वर्सांतलो एक तरी अंक तसो संपूर्ण रंगीत दिवंचो हो आमचो हावेस आशिल्लो. तें सपन आमी पुराय केलें आनी मुखार दर डिसेंबराक सगळींच पानां रंगीत करपाचो आमचो हावेस आसा.

पूण डिसेंबर येवंक कळाव आसा. ते आदीं मार्च म्हयन्यांत परतून एकदां हो असलो प्रयोग करपाची आमची इत्सा आसा.

मार्च म्हयनो घेवन येता आंतरराष्ट्रीय महिला दीस. ह्या दिसा निमतान मार्च म्हयन्याचो बिम्ब आमी खाशेलो अंक म्हूण उजवाडाक हाडूंक सोदतात. तातूंत महिलांच्या वेगवेगळ्या समस्यांचेर उजवाड घालपाचो आमचो उद्देश्य आसा. देखीक :-

१) बायलमनीस आयज खऱ्यानीच स्वतंत्र आसा?

२) बायलमनशेक आयज समाज आदरान पळयता?

३) बायलमनशेक राजकारणात आयज मानाची सुवात आसा?

अशे कितले तरी प्रस्न आयज आमचे मुखार तकली वयर काडटात. तुमच्याय मनांत असले प्रस्न आसतले. म्हणटकच त्या प्रस्नाची जाप सविस्तर बरोवन २५ फेब्रुवारी मेरेन बिम्ब मासिकाकडेन पावयात.

आमी सगळ्यांनी एकठांय येवन एक संग्राह्य अंक काडुया आनी चडांत चड महिलावर्गाकडेन तो पावोवया.

व्यवस्थापक
कामिनी किणी

भुरग्यां विभाग मुखेली
सुफला रुद्राजी गायतोंडे

शिरकिथा

गोंय सरकाराकडेन म्हादयचें उदक कर्नाटक सरकारान कित्याक वळोवंचें न्हय हें केंद्रसरकाराकडेन मुद्देसूद मांडपी एकूय मनीस नाशिल्लो. कित्याक, उदक वळयल्यार ताचो पर्यावरणाचेर कसो परिणाम जावं येता हाचो अभ्यास केल्लो वो जाणविकाय आशिल्लो सरकारांत कोणूच नाशिल्लो. तेच पासत, कर्नाटकान उदक वळयल्यार मांडवी न्हंय आट्टली अशें कितें तरी कारण मुखार करून लवाद स्थापन करपाची मागणी गोंयान करपाक आरंब केलो.



म्हादय खातीर लवाद आनी लवादाचो वाद गोंयकार जातलो बाद?

– दिलीप बोरकार

महाराष्ट्र आनी कर्नाटक ह्या दोनूय राज्यानी आपल्या खाक्यांत दवरिल्लें माणकुलें राज्य म्हळ्यार गोंय.

गोंयची संस्कृताय ही आर्य संस्कृती जाल्ल्या कारणान गोंयचो सांस्कृतीक आनी भाशीक संबंद महाराष्ट्राकडेन उल्लो. कर्नाटकाची संस्कृताय ही द्रवीड संस्कृताय जाल्ल्यान, आनी कोंकणी उलोवपी लोकांचो बरोच व्हडलो वाठार ह्या कर्नाटक राज्यांत आस्पावल्लो आसलो तरी कर्नाटक सांस्कृतीक नदरेन आपलो असो गोंयकारांक केन्नाच दिसलो ना. तेच पासत कर्नाटकान गोंयचेर हे आदीं आपलो हक्कय सांगलो ना वो केन्ना गोंयचेर खंयचेय बाबतींत हस्तक्षेप केलो ना.

महाराष्ट्र राज्याची नदर गोंयचेर आशिल्ली आनी गोंय पुर्तुगेजांच्या चोपक्यांतल्यान सुटलें म्हणटकच आपल्याच घासाक लागतलें ही खात्री महाराष्ट्राक आशिल्ली. पूण गोंयान आपलें स्वतंत्र अस्तित्व सांबाळपाचो निर्णय घेवन महाराष्ट्रांत वचपाचें न्हयकारलें आनी जनमत कौल घेवन विलिनीकरणाचो मुद्दो सासणाचो जमनीपोंदा पुरिल्ल्यान महाराष्ट्राचो नाय म्हळ्यार गोंयचेर आकस आसतलोच. तातूंत भाशीक वादानूय महाराष्ट्राक गोंयान बरोच

तिडायल्ल्यान गोंयांविशीं आपलेपण आसचें अशी अपेक्षा महाराष्ट्राकडेन दवरप म्हळ्यारूय आमचीं भुरगेपणाच थारतलीं. महाराष्ट्राच्या मनांत आशिल्ली गोंयविशींची कोडसाण तशी इतले बेगीन पयस जावपाची आस्त गोंयकारांनी बाळगुपाचीय गरज ना.

आतां म्हादयच्या उदकाक लागून गोंय आनी कर्नाटक ह्या राज्यांमदींय तंटो निर्माण जाला आनी तो निवळपा बदला फुडाराक चडांतचड वाडत वतलो आनी ताचेर जर वेळारूच उपाय घेतलो ना जाल्यार फुडाराक ही एक सासणाची कोंत्रसाण जावन उरतली. ह्या दोन राज्यामदीं तयार जावपी ही दुस्मानकाय दोनूय राज्यांक नाका आसली तरी ती दुस्मानकाय रूप घेतले बगर रावचिना.

केंद्र सरकारान दोनूय राज्यांच्या फायद्याक पडटा असो तोडगो काडलो तरीय कर्नाटक गोंयचेर आपलो द्रविडी छाप सोडले बगर रावचोना. तातूंत भर म्हूण आतां करवार, सुपा, हल्ल्याळ बी कर्नाटकाच्या शिमेवाठारांतले कोंकणी भाशीक, हो वाठार गोंयांत जोडचो अशी मागणी करून चळवळ उबारपाच्या वावराक लागल्यात. हीं दोनूय कारणां कर्नाटक आनी गोंय ह्या दोनूय राज्यांमदीं कोडसाण निर्माण करूंक खूब जालीं.

म्हादय प्रस्न दुस्मानकाय हाडटलो?

कोंकणी वाठार गोंयाक जोडचो. आमकां कन्नड भाशीक कर्नाटक राज्यांत रावपाचें ना ही मागणी कर्नाटकाच्या शिमेवाठारांतल्या कोंकणी लोकांची. हो वाठार गोंयांत जोडचो अशी मागणी गोंय सरकारान करूंक ना वो गोंयकारांनीय. म्हणटकच ह्या प्रस्नावेल्यान कर्नाटक राज्यान गोंयचेर दोळे मोठे करपाची गरज ना. तशें म्हादयच्या प्रस्नाक लागूनय करपाची गरज नाशिल्ली. पूण कर्नाटक सरकारान सुर्वेक सावनूच आडमुठेंपणाचें धोरण आपणायिल्ल्यान गोंयकारांक आनी गोंय सरकाराक आपली तकली वयर काडची पडिल्लीच. कित्याक तर म्हादयच्या उदकाचेर कर्नाटका इतलोच गोंयकारांचो न्हय तर त्यायपरस चड अधिकार आसा. तो गोंयकारांचो आनी म्हादयच्या सरभोंवतणच्या जिवावळीचो जीवनमरणाचो प्रस्न आसा. हो जीव सांबाळपा खातीर कर्नाटकाकडेन सादी कोंत्रसाणूच न्हय तर गरज पडल्यार सासणाची दुस्मानकाय करची पडल्यारूय गोंयकारांक आतां फुडें गेल्याबगर पर्याय ना.

कर्नाटक राज्याचे मुखेलमंत्री श्री. बी. एस्. येडियुराप्पा.

गोंयच्या मांडवी न्हंयचें म्हादय हें मूळ रूप. म्हादय म्हळ्यार म्हा-आवय. व्हडली आवय. म्हादेवाच्या म्हळ्यार पर्वताच्या माथ्यावेल्यान सकयल देंवपी म्हण्णूय तिका कोण म्हादय म्हणटा आसतूय. पूण ती आमकां गोंयकारांक म्हा-आवयूच.

कर्नाटकाच्या बेळगांव जिल्ह्यांतल्या खानापूर वाठारांतल्या शिरोली-हेम्माडगाच्या देगावच्या दोंगरावेल्यान हे म्हादयचो उगम जाता. हांगा म्हादयक मेळटा ती गोड साया उदकाची न्हंय ओला पानसिरा. देगावतल्यान देंविल्ली म्हादय ओला पानसिरा न्हंयचो हात धरून गवाळी ह्या गांवांत वता. मदींच नेरसे ह्या गांवांत तिका भंडुरा हो व्हाळ मेळटा. मुखार बैल ही न्हंय म्हादयक मेळटा. ही न्हंय

गोंयकारांनी लवादाचेर विश्वास दवरचो न्हय.

- मेधा पाटकर

उदक तंटो प्रस्नाचेर लवाद स्थापन करपाचो निर्णय म्हळ्यार फकत राजकीय सोय आसता अशें मत ज्येश्ठ पर्यावरणवादी फुडारी, नर्मदा बचावच्यो मेधा पाटकर हाणीं पणजे आयिल्लेकडेन उलयतना उक्तायलें. म्हादय प्रस्नाचेर केंद्र सरकारान हालींच स्थापन केल्ल्या लवादाविशीं त्यो उलयताल्यो.

सरदार सरोवराचे बाबतींत आपल्याक लवादाकडल्यान खूब वायट अणभव आयलो अशें ताणीं सांगलें. लवादाचे अधिकारी सर्वसामान्य जनतेचें म्हणणें आयकून घेच नांत. सरकारी अभियंते, हेर अधिकारी तशेंच राजकीय फुडारी जी म्हायती दितात ताचेर निंबून रावतात. सरदार सरोवराचे बाबतींत लवादाच्या निर्णयापासत १० वर्सां वाट पळोवंची पडली. अुमट्टी धरणाची उंचाय कोणाचेच मान्यताये बगर वाडयली तेन्ना आपणें लवादाक अहवाल भेटयलो. पूण कसलीच दखल घेतली ना. मागीर बुट्टी आयली. आमी उक्तायल्लो भंय खरो थल्लो. आदीवासी लोकांचें लुकसाण जालें. तेच पासत गोंयकारांनी लवादाचेर विस्वासून रावचें न्हय. कित्याक लवाद हे विस्वास दवरपा सारके नासतात म्हणपाचें ताणीं आपल्या अणभवाचेर सांगलें.

चिखले गांवांतले आंबेशी हे झरीच्या रुपान आशिल्ली ती बैल हें नांव घेवन वावुरता. हे न्हंयक किरवळेच्यान आयिल्लो डोल्ड हो व्हाळ आनी कोंग हांगाच्यान आयिल्लो कोंगळो व्हाळ मेळटा आनी मागीर म्हादयत भरसून वतात.

अशी ही म्हादय तळेवाडीक पावता तेन्ना तिका मरडुहाल आनी पानशिऱ्याचें उदक मेळटा. म्हादय मुखार वचतूच रावता. वाटेर गवाळी म्हणटात थंय जांबोटी घाटावेल्यान सकयल उडी मारून चापोळा, कोटणी हे गांव भोंवत कोटणीच्या जंगलांतल्यान वज्रा पोया येता.

मागीर ती भिमगडाक वळसो घेता आनी कृष्णापुराक येता. थंयच्यान कडवळ, बोंदीर, सोनाळ, सावड्डें, वेळगें, खडकी, गुळेली, गांजें ह्या गांवांक स्पर्श करीत सत्तरीच्यान उसगांव मेरेन पावता आनी आपलें म्हादय हें नांव अकस्मात बदलता आनी मांडवी जावन गोंयांत व्हांवता.

कितलीं वर्सां हें सगळें चालू आसा? कोणाक खबर ना. तेन्ना कर्नाटकाकूय कोण कर्नाटक म्हूण वळखनाशिल्ले आनी गोंयाकूय गोंय म्हूण कोण पळयनाशिल्ले. हें सगळें आशिल्लें सैमान निर्माण केल्लें एक सैम सुंदरायेचें अजाप. हें अजाप न्हय कर्नाटकाच्या अधिकारांतलें आनी न्हय गोंय राज्याच्या अधिकारांतलें. म्हादय जंयसून निर्माण जाल्या आनी जंय सोंपता ही सगळी सैमाची करामत. तिचो लाब तिचे धडेर जाणीं वसणूक केल्या त्या सगळे जिवावळीचो. मागीर आतांच हे म्हादयचेर अधिकार सांगपाची कुन्नाटकाय कर्नाटक राज्याक कित्याक आयली?

देगावच्यान उगम जावन सकयल सकयल येवपी हे न्हंयचेर कर्नाटक सरकार वेगवेगळे प्रकल्प राबयत आयलां. गवाळीच्यान म्हादय जेन्ना चापोळा गांवच्या कोटणी ह्या वाठारांत पावता थंय कर्नाटक सरकार मेगावॉट वीज प्रकल्प उबारपाच्या वावरांत आसा. कर्नाटक राज्यान धरणां आनी वीज निर्मिती प्रकल्प उबारपाक सुरू केल्ल्यान हे न्हयचें मुळचें रूप नानपयत जावपाकडेन पावलां. हाका लागून कितले तरी सैमविरोधी प्रस्न निर्माण जावंक लागल्यात.

कर्नाटकांतल्या ज्या ज्या वाठारांतल्यान ही म्हादय व्हांवत येता त्या वाठारांतल्या मनीस जातीचीच न्हय तर सगळे तरेची हेर वनस्पत आनी जिवावळीची जीवनदायी म्हूण हे म्हादयकडेन पळोवप जाता. आतांच न्हय तर हजारांनी वर्सां आदीं सावन ह्या वाठारांत जीवन सांबाळपाचें काम ही म्हादय करीत आयल्या. हांगचे जिवावळीचें अस्तीत्व तिगोवन दवरपाचें काम हे म्हादयन - व्हडले आवयन केलां. ही म्हादय सत्तरी वाठारांतल्यान गांजे हुपून फोंडे म्हालांत येता तेन्ना गोंयकार तिका मांडवी म्हणून येवकार दितात. हे म्हादयची म्हा आवयची पूजा केळबाय, गजलक्ष्मी रुपान करतात.

कर्नाटकान हाडली हावळ

कितलीं तरी हजार वर्सां चलत आयिल्ल्या ह्या चक्राक आडखळ हाडपाचें काम कर्नाटक राज्यान आरंबलें. जांबोटीच्या चापोळें गांवांत हे न्हंयचे देगेर बांद बांदून मेगावॉट वीज प्रकल्पाची तयारी सुरू केल्याच. त्या उप्रांत म्हादय न्हंयचेरूच कळसा-भांडुरा प्रकल्प उबारून ह्या वाठारांतले जिवावळींच्या अस्तित्वाचेर हावळ हाडपाक सुरवात केल्या.

कर्नाटक सरकारच्या ह्या कळसा-भांडुरा प्रकल्पाक लागून पांच हजार एकर रान उदका खाला वचपाचो भंय उप्रासला. 'कळसा' ही म्हादयची उपन्हंय. म्हादयच्या वाठारांतली सगळी जिवावळ हे न्हंयचेर पोसवता. कळसा-भांडुरा प्रकल्पाच्या नांवान म्हादयचें उदक 'मलप्रभा' न्हंयत व्हरपाचे आसात. म्हादयची उपन्हंय कळसा आनी 'मलप्रभा' न्हंयचो उगम हो एकेच सुवातेर जाता. मलप्रभा ही तशी पळोवंक गेल्यार 'म्हादय'ची भयणूच म्हणूंक हरकत ना. कणकुंबी गांवा लागसार रामेश्वर मंदिराकडेन ह्या न्हंयांचो उगम जाता. ताचो एक फांटो कळसा ह्या व्हाळाच्या रूपान तयार जावन पश्चिमेक वता. तो म्हादय न्हंयत घुसून मुखार अरबी समुद्राक मेळटा. तर दुसरो फांटो जो पूर्वेकडेन गेला तो 'मलप्रभा' न्हंयचें रूप घेवन मुखार कृष्णा न्हंयत भरसता आनी मागीर बंगालच्या उपसागरांत भरसून वता. आतां ही मलप्रभा न्हंय आटत वता. ताका लागून ह्या वाठारांतल्या लोकांमुखार

उदकाचो प्रस्न उप्रासला. धारवाड, हुबळी आनी लागसारच्या हेर शारांक पिवपाच्या उदकाची पुरवण जावंची देखून म्हादयचें उदक कळसा-भांडुरा ह्या व्हाळांतल्यान मलप्रभेंत सोडपाचो प्रयत्न सुरू जालो आनी तशें कामूय चालीक लागलें.

गोंयची हरकत

एप्रिल २००२त कर्नाटक सरकारान कळसा-भांडुरा हो प्रकल्प उबारून ७.५६ टीएमसी फूट उदक मलप्रभा न्हंयेत वळोवपाखातीर केंद्रीय जलसंसाधन खात्याकडल्यान मान्यताय घेतली. पूण गोंयच्या त्या काळच्या मुख्यमंत्र्यांनी बेगोबेग एक शिश्टमंडळ दिल्ली व्हेलें आनी केंद्रीय जलसंसाधन खात्यान कर्नाटक सरकाराक दिल्ली ही मान्यताय स्थगीत केली. पूण कर्नाटक सरकारान हे कायदेशीर स्थगीतीक किंकोंत करून, कसलोच कायदो जुमानी नासतना कणकुंबी हांगा कालवो खणपाक आनी बांदकाम करपाक आरंभ केलो. हें करतनां केंद्रीय रान आनी पर्यावरण मंत्रालयाची मान्यताय घेना आसतना कणकुंबीच्या राखीव रान क्षेत्रांत वृक्षतोड सुरू केली. ही वृक्षतोड इतली जाली की ताचो परिणाम म्हूण हांगा पावसाचें प्रमाण घटलें. मलप्रभा न्हंयवेल्या धरणाचो नवलतीर्थ हांगचो तलाव उदक साठोवंक पावलोना.

मलप्रभा न्हंय कर्नाटक राज्यांतल्या लोकांची उदकाची गरज पुराय करूंक शकना हें कारण मुखार करून कर्नाटक सरकारान कळसा-भांडुराचें काम नेटान हातांत घेतलें आनी केंद्र सरकारान बंदी घाल्ली आसतनाय तें चालू दवरलें.

मोठ्या प्रमाणांत रुखावळिची कत्तल हांगा सातत्यान जायत आसा.

लवाद हो उपाय न्हय

- निर्मला सावंत

म्हादय बचाव प्रस्नाचेर केंद्रान लवाद नेमला आसलो तरी लवाद हो हे समस्येचेर उपाय न्हय, ही वयलेवयर केल्ली मलमपट्टी. मुळांत हो विशय राज्यसरकारान गांभिर्यान घेवंक ना. उदक वाटपाचें प्रमाण कितलें आसतलें हाचो अभ्यास केल्लो ना. पावस उणो वो जास्त पडलो तर वाटपाचें प्रमाण कितें आसतलें हाचोय विचार जाल्लो ना. लवादाविशीं उलोवपाचें जाल्यार लवाद गोंयांक फायदेशीर ना. धरणाच्या विरोधांत आमची न्यायालयीन लढाय सुरू आसा. वन आनी वन्यप्राणी संरक्षण हे आमचे मुखेल मुद्दे आसात. जंगलूच तोडून उडयलें जाल्यार पावस तरी खंय पडटलो आनी खंयच्या उदकाचें वाटप जातलें, उदक वाटपाचेर कोण नियंत्रण दवरतलो? असो प्रस्न आसा. कर्नाटक राज्याचो उदक वाटपा संबंदी प्रत्येक शेजारच्या राज्यांवांगडा तंटो आसा. हे फांटभुंयेर ह्या प्रकल्पाचेर स्थगिती होच एक उपाय आसा. ते नदरेन आमी पावलां उखल्ल्यांत. वनसंरक्षण आनी वन्यप्राणी संरक्षण कायद्याची अम्मलबजावणी जावंची अशी आमची मागणी आसा. प्रस्तावीत धरण प्रकल्पाखातीर रुखां मारपांत आयिल्ल्यान रान आनी रानवटी प्राण्यांची हानी जाता. ती थांबोवंक जाय. कळसा-भांडुरा वाठार कांय वर्सां पयलीं रुखावळीन भरिल्लो. आतां पळोवंक गेल्यार तो पुरायेन काबार जाला. राज्यसरकार आनी संसदेंतले गोंयचे प्रतिनिधी ह्या प्रस्नाचेर गंभीर नांत ही दुख्खाची गजाल म्हणूंक जाय.

गोंय सरकारान कितें केलें?

म्हादय न्हंय आपल्या राज्यांत उगम पावता आनी ती चडशी कर्नाटक राज्यांतल्यानूच व्हांवता देखून हे न्हंयचेर कर्नाटक सरकाराचोच चड अधिकार आसा असो कितें तरी समज करून घेवन कर्नाटक सरकारान म्हादयचें उदक आडावन तें मलप्रभेंत सोडपा खातीर बंधारे बांदपाचें काम सुरू केलें.

गोंय सरकाराकडेन म्हादयचें उदक कर्नाटक सरकारान

केंद्र सरकाराचेर म्हजो विस्वास आसा

- जलस्त्रोतमंत्री फिलीप नेरी रॉड्रिग्ज

म्हादय न्हंयच्या उदकाचो तंटो सोडोवपा खातीर केंद्र सरकारान लवाद स्थापन केला. हो लवाद स्थापन करपाची मागणी गोंय सरकारान केंद्र सरकाराकडेन केल्ली आनी ती केंद्र सरकारान मानून घेतली ही खोशयेची गजाल.

म्हादयच्या प्रस्नाचेर कर्नाटक राज्याचें सगळ्या पक्षाचें शिश्टमंडळ दिल्ली गेलें जाल्यार लेगीत ताचो आता कांयच परिणाम जावपाचो ना.

म्हजो केंद्र सरकाराचेर पुराय विस्वास आसा. लवाद स्थापन करप हो केंद्राचो खूब व्हडलो आनी म्हत्वाचो निर्णय जावन आसा. कर्नाटकांतल्या सर्वपक्षीय शिश्टमंडळान आतां कितलोय प्रयत्न केलो तरी केंद्र सरकार तांचें आयकून घेवपाचें ना अशी खात्री जलस्त्रोत मंत्री फिलीप नेरी रॉड्रीग्ज हाणीं उक्तायली.

कित्याक वळोवंचें न्हय हें केंद्रसरकाराकडेन मुद्देसूद मांडपी एकूय मनीस नाशिल्लो. कित्याक, उदक वळयल्यार ताचो पर्यावरणाचेर कसो परिणाम जावं येता हाचो अभ्यास केल्लो वो जाणविकाय आशिल्लो सरकारांत कोणूच नाशिल्लो. तेच पासत, कर्नाटकान उदक वळयल्यार मांडवी न्हंय आट्टली अशें कितें तरी कारण मुखार करून लवाद स्थापन करपाची मागणी गोंयान करपाक आरंब केलो.

म्हादयचें उदक मलप्रभेंत वळयल्यार गोंयांत पिवपाच्या उदकाची समस्या निर्माण जातली हातूंत दुबावूच ना. गोंय हें कर्नाटक राज्यापरस कितलें तरी ल्हान आसलें तरी गोंय हें पर्यटन थळ म्हूण प्रसिध्द आसा. गोंयांत लाखानी लोक पर्यटक म्हूण येतात. गोंयांत व्हडले व्हडले प्रकल्प उबे रावतात. गोंयची लोकसंख्या भरमसाठ वाडत आसा. ह्या सगळ्या लोकांची पिवपाची उदकाची समस्या फुडल्या पंचवीस वर्सांत गोंय सरकार कशी सुटावी करतलो होच प्रस्न आसा. देशांतल्या न्हंयां पयकी म्हादय ही चडांतचड गोडें उदक दिवपी म्हत्वाची न्हंय आसा. ती आडायली जाल्यार फकत पिवपाच्या उदकाचो प्रस्न निर्माण जातलो अशें न्हय. तर त्या परस चड प्रस्न निर्माण जातलो तो पर्यावरणाचो. कर्नाटक सरकार म्हादय न्हंयचेर जीं कितें धरणां आनी बंधारे बांदता तें कर्म म्हळ्यार वन्यजीव संरक्षण कायदो आनी वन कायदो हांचो दिसा उजवाडाक केल्लो खून. ह्या धरणांक लागून वाग, हत्ती, आनी हेर वनप्राणी हाणीं समृध्द आशिल्ले वनसंपत्तीचो नाश जातलो म्हणपाचें कोण लक्षांत घेनांत. आज जे हत्ती, वाग आनी हेर प्राणी रानां सोडून गांवानी येवन धुडगूस घालतात ताचे फाटलें कारण हेंच. रानांची राखण करपाखातीर एकेवाटेन केंद्र सरकारान खाशेल्यो येवजण्यो आखप, कोट्यानी रुपया खर्च करप आनी दुसरे वटेन हें धरणाचें काम सुरू करून पर्यावरणाचें संतुलन इबाडप हें धोरणूच कोणाक पटपा सारकें ना. हो मुद्दो मुखेल मुद्दो म्हूण मांडपा बदला, पिवपा उदकाची फुडाराक समस्या जातली म्हूण लवादाची मागणी करप हेंय न कळपा सारकें आसा म्हणूंक जाय.

लवाद हें कितें प्रकरण?

प्रधानमंत्री पंडित जवाहरलाल नेहरूनी १९५३ सालांत राज्या-राज्यांतले उदका तंटे सोडोवपा खातीर उदक वांटप लवादाची स्थापना केली. ह्या लवादाक म्हत्वाचे हक्क दिवन उडयले. उदक वांटप लवादान एकदां उदक वाटपाविशीं निर्णय दिलो म्हणटकच ताचे आड केंद्र सरकाराकडेन कागाळ करूंक मेळना आनी ह्या निर्णया आड सर्वोच्च न्यायालयांतूय वचूंक मेळना. गोंय सरकारान लवादाची मागणी करून, कर्नाटक जीं म्हादयचेर धरणां बांदता तांका विरोध करून लवादूच जाय म्हूण मागणी करून ती पदरांत घेवपाक यश मेळयलें. तरी लवाद हो उदक वाटपाचेर तोडगो काडटलें. पूण तातूंत गोंयची फसगत जावंचीना हाची खात्री कोण दितलो?

म्हादयचें उदक कर्नाटकान वळयल्यार मांडवी न्हंय आटून वतली हो मुद्दो पयलीं लवादाक पटपाक जाय. सद्याचे कायदामंत्री आशिल्ले विरप्पा मोईली हाणीं लवादाची घोशणा केल्या. ते कळसा-भांडुरा प्रकल्पाचे समर्थक. तरी तांचे घोशणेक गोंय सरकारान येवकार

लवाद गोंयच्या हिताचो निर्णय घेतलो हातूंत दुबाव आसा.

- राजेंद्र केरकार

गोंय सरकार, म्हादय उदक वांटप लवाद गोंयच्या हिताचे नदरेन निर्णय घेतलो म्हणपाची सकारात्मक आस्त बाळगीत आसलें तरी तो निर्णय गोंयच्या हिताचे नदरेनूच आसतलो अशी खात्री दिवंक जायना अशें मत म्हादय बचाव अभियानाचे सरचिटणीस राजेंद्र केरकार हाणीं उक्तायलां.

गोंय सरकारान २००२ वर्सा लवादाची मागणी केल्ली ती हो प्रस्न बरे तरेन सुटचोना म्हणपाचें कळिल्ल्यानूच. ते प्रमाण कर्नाटकाचे आदले मुखेलमंत्री आनी सद्‌याचे केंद्रीय राज्यमंत्री विरप्पा मोईली हाणीं उदकाखातीर उदक वांटप लवादाची नेमणूक करपाचो निर्णय मंत्रिमंडळाचे मंजुरे उप्रांत घोशीत केल्लो आसलो तरी हो लवाद गोंयच्या हिताचो निर्णय घेतलोच अशी खात्री ना. असो दुबाव ताणीं उक्तायला.

कर्नाटकान सद्या चालू दवरिल्लें कानालाचें काम बंद दवरलें ना जाल्यार गोंयांक ताचो मार बसतलो म्हणपाचोय हुसको ताणीं उक्तायलो.

दिला. पूण कर्नाटकांतल्या फुडाऱ्यांनी ताका विरोध केला. हे आदीं कावेरी उदक वांटपा वेळार कर्नाटकान लवादाची मागणी केल्ली. लवादान कर्नाटक, तामिळनाडू ह्या दोनूय राज्यांक न्याय दिवपाखातीर कावेरीचें उदक तामिळनाडूक दिवपाचो निर्णय दिल्लो. त्या आड कर्नाटकाच्या लोकानी हैदोस घाल्लो. ते वेळार लवादाचो हो निर्णय व्हांवन वचपाचो. पूण ते वेळचे मुखेलमंत्री एस्. एम्. कृष्णा हांकां, कावेरीचें तामिळ नाडूच्या वाट्याचें उदक सोडिना जाल्यार राष्ट्रपती राजवट लायतले अशी खर शिटकावणी दितकच कर्नाटक सरकारान नमतें घेतिल्लें. हें सगळें लक्षांत जाल्यार, लवादाचो निर्णय येतकच कितें परिस्थिती आसतली ह विचार आतांच करून दवरचो पडटलो.

कळसा धरणाच्या प्रस्तावीत सुवाते सावन गोंयचें म्हा अभयारण्य सामकें लागीं आसा. ह्या अभयारण्याचो मुद्दो हो मुखे मुद्दो मुखार करून जर सरकारान प्रस्न मुखार व्हेल्लो जाल्य तातुंतल्यान प्रस्न सुटावो जावपाची आस्त आशिल्ली. लवादा खात तीन वांगड्यांची समिती स्थापन केल्ली आसली तरी जे मे कर्नाटकाचें कणकुंबी हांगा चालू आशिल्लें सद्‌याचें काम लवादा निर्णय यो मेरेन बंद दवरिनांत जाल्यार ह्या लवादाचो कांयच फाय ना अशेंच म्हणचें पडटलें.

लवादाचो फुडार कितें?

गोंयची जीवनदायीनी म्हादयचो प्रस्न लवादामुखार दवरपाच घोशणा जाल्ली आसली तरी कर्नाटकाची करणी पळयत जाल्य कर्नाटक सरकार ह्या लावादाच्या निर्णयाक किंकोंत करता म्हणपा दिसून येता.

कळसा-भांडुरा प्रकल्पाचो वाद सर्वोच्च न्यायालयांत आसा हाचेर तोडगो काडपा खातीर केंद्र शासनान म्हादय लवाद मंडळ स्थापन केलां. म्हादयचो प्रस्न सर्वोच्च न्यायालयांत ह्या म्हयन्याचे १८ तारखे आदीं सुनावणीक येवपाची शक्यताय आसा. हे विशीं कर्नाटकाची बाज केंद्र सरकारामुखार मांडपा खातीर कर्नाटक राज्याचें एक सर्वपक्षीय

लवादाची घोशणा केली म्हणून कर्नाटकान काम बंद दवरचें म्हूण कोणें सांगलां?

शिश्टमंडळ १३ जानेवारीक दिल्ली वचपाचें आसा. कर्नाटकाचे मुखेलमंत्री बी. एस्. येडियुराप्पा हाणीं 'कळसा-भांडुरा प्रकल्पाक मंजुरी मेळोवपाचो नेटान प्रयत्न करतले' म्हणपाची घोशणा केल्या. केंद्रीय जल संसाधन मंत्रालयान कळसा-भांडुरा प्रकल्पाच्या ह्या राज्यसरकारच्या प्रकल्पाक मान्यताय दिल्ली. पूण गोंय सरकारच्या विरोधाक लागून स्थगिती दिल्ली. गोंयान ते पासत सर्वोच्च न्यायालयांत प्रस्न व्हेल्लो. २००७ वर्साच्या निवाड्यांत सर्वोच्च न्यायालयान गोंय सरकारचे याचिकेचेर निर्णय दितना, कर्नाटकाची मागणी ही पिवपा उदकाविशीं संबंदीत आशिल्ल्यान ह्या प्रकल्पाक दिल्ले मान्यतायेक दिल्ली स्थगिती केंद्रान फाटीं घेवची अशें मत उक्तायलें. केंद्र सरकारान सर्वोच्च न्यायालयाच्या ह्या निवाड्याची नोंद घेवंची हें सांगपाखातीरूच हें शिश्टमंडळ दिल्ली वचपाचें आसा.

खरें म्हळ्यार हे सगळे निर्णय जाय म्हणसर कर्नाटकान प्रकल्पाचें काम स्थगीत दवरूंक जाय आशिल्लें. पूण तें नेटान चालूच आसा. कळसा कानालाचे निर्मिती पासत १२४ कोटी रुपया खर्च येवपाचो आसा आनी पाटबंधारे विभागान निविदाय मागयल्यात... सद्या कळसा व्हाळ ते मलप्रभा न्हंय हांचेमदीं कणकुंबी गांवालागसार कालव्याची निर्मणी फाटलें वर्सभर सुरू आसा. सुमार १ कि. मी. कालव्याचें खणप जालां. उरिल्लो देड किलो मिटर वाठार राखीव वनक्षेत्रांत येता आशिल्ल्यान ताका वनखात्याची मान्यताय जाय तीय मेळूंक ना. ते भायर वाद सर्वोच्च न्यायालयांत आसा म्हणटकच काम बंद दवरप गरजेचें आशिल्लें. पूण उरफाटें तें नेटान चलता.

कळसा-भांडुरा प्रकल्पाक गोंय सरकारचो आनी गोंयच्या 'पर्यावरण' संघटनाचो विरोध आसतनाय २००६त प्रकल्पाचें भुमिपूजन कर्नाटक सरकारान केलें. ते उप्रांत गोंय सरकारान न्यायालयांत यचिका दाखल केली. केंद्र सरकारान लवाद मंडळाची स्थापना केली. पूण ह्या लवादाक कर्नाटक सरकारचो विरोध आसा. ते खातीर कर्नाटकाचें सर्वपक्षीय शिश्टमंडळ पंतप्रधानाक मेळपाचें आसा. पूण फाटल्या नोव्हेंबराक कर्नाटकान कळसा-भांडुरा प्रकल्पाच्या दुसऱ्या टप्प्याचो वावर सुरू केला. अशें हें सगळें चलतना गोंय सरकार लवादाचेर भरवंसून न्हिदो काडटलें काय परिस्थितीची जाणविकाय दवरून पावलां उखलतलें तें पळोवचें पडटलें.

म्हादय प्रकल्पाचो पयलो धपको बसतलो तो गोंयच्या अभयारण्याक

एन जी ओ नी लवादा बाबतींत नकारात्मक विचार करचो न्हय

- खासदार शांताराम नायक

दोन राज्यां मदीं जेन्ना जेन्ना उदकाचो तंटो निर्माण जाता तेन्ना ताचेर उपाय काडूंक एकूच प्रभावी मार्ग म्हळ्यार लवादाची स्थापना. आयजवेर ज्या ज्या राज्यांनी हे तंटे उप्रासल्यात तेन्ना तेन्ना भारत सरकारान लवादाची स्थापना करून हाचेर तोडगो काडपाचो यत्न केल्लो आसा. लवादाच्या निर्णयाक राज्यां आव्हान दिताच. पूण फुडें कितें जातलें ह्या नकारार्थी विचारानी ट्रायबुनल स्थापनेचें पयलें पावल न्हयकारलें जाल्यार कशें जातलें?

केंद्रसरकाराच्या ह्या निर्णयाचें स्वागत जावंक जाय. गोंय सरकारान मोठ्या नेटान केल्ले मागणेचें स्त्रय आमच्या पदरांत पडिल्लें आसा ही नक्कीच खोशयेची गजाल.

कर्नाटक राज्य हें खूब व्हडलें राज्य. ताचो गोंया परस चड प्रभाव हो आसतलोच. पूण हो तंटो सुप्रीम कोर्टांत आसतना निकाल जाय मेरेन खरें म्हळ्यार कर्नाटक राज्यान काम बंद दवरूंक जाय आशिल्लें. ही मागणी सरकारान करूंक जाय.

तांचें नेटान जें बांदकाम चल्लां ताचो खर्च कोट्यानी रुपयांचो आसा. फाल्यां उच्च न्यायालयाचो निर्णय जर तांचे आड लागलो जाल्यार ह्या खर्चाविशींय समस्या निर्माण जातली.

लवादाचे स्थापनेविशीं गोंयच्यो पर्यावरणवादी संस्था, एन.जी.ओ बी नकारार्थी विचार करतात तें करूंक फावना. लवाद नाका जाल्यार जाय कितें? हो प्रस्न करो सुटावो करूं येता? हाचेर ताणीं उपाय सुचयल्यार बरें जातलें.

सि
ण
मु
क्त

हांवें दोन कपड्यांचे पयशे लालाक फारीक केले. लालानूय कांय सांगलें ना. ताका दिशिल्लें की हिशोब सारको जालो म्हूण. पूण खरें म्हणल्यार हिशोब सारको जावंक नासलो. तीस वर्सां उपरांत आयज म्हजे बायलेन उलयतां उलयतां सांगलें की तिणें त्या वगतार दोन न्हय तर चार वस्त्रांचे कपडे दवरून घेतलेले. दोन कपड्यांचे पयशे ३० वर्सांसान म्हजे कडल्यान दिवपाचे उरल्यात. हांव ह्या संवसारांतलें 'उद्दार' दुसऱ्यासंवसारांत घेवन वचूंक बिल्कूल सोदिना. हांव ह्या संवसारांतले सगळे हिशोब फारीक करून वचूंक सोदतां.

सादारण तिसेक वर्सां जालीं आसतलीं. 'मुंशी इकराम अली' म्हज्या वाड्यार रावतालो. ताचें घर म्हळ्यार पोरण्या काळाची याद करून दिवपी एक खाण. बापजाद्यांच्या वेळार घर व्हडलें आनी सोबीत आसलें जावंक जाय, पूण 'मुंशी'चे मुस्तींत त्या घरांत एक कूड आनी ताच्या सामकार एक बल्काव इतलेंच शाबूत राविल्लें. बाकी सगलें घर पडून गेल्लें.

बल्कावाच्या एका कोनश्याक विटो दवरून केल्ल्या एका दवरण्याचेर लावन दवरलेले तीन-चार कळशे आनी 'ॲल्युमिनियम'ची एक तोटी आशिल्लें आयदन, जाका मुंशी 'चांदीचें' आयदन म्हणून सांबाळटालो.

ताच्या मुखावयल्या दाराचेर बेताचो एक पड्डो हुमकळटालो. तशें पळोवंक गेल्यार त्या दाराच्यो दाव्या-उजव्या वाटेंतल्यो वणटी अशे तरेन पडून गेल्ल्यो की कोणायकूय येवपा-वचपा खातीर त्या दाराचोच वापर करपाक जाय म्हूण नासलें. ह्याच घरांत 'मुंशी इकराम अली' आपली बायल 'आमना-बेगम' हिच्या वांगडा रावतालो. तांकां भुरगें नासलें. 'मुंशी इकराम अली' खंयचेच कचेरीचो मुंशी नाशिल्लो. ती ताका मेळिल्ली 'सनद'. तो शारांतल्या 'इसलामिया हायस्कुलांत उर्दू शिकयतालो. तकलेर 'फर'ची तोपी, धोपरा सकयल मेरेन पावपी काळी शेरवानी, जाच्या सामकारच्या बोल्सांत दिसपी घड्याळाची 'चेयन', अलीगढ कट' धवो 'पिजामा', पांयांत कपड्याचे काळे बूट घालून एका हाताचेर सत्री हुमकाळावन आनी दुसरो हात आपल्या 'मेंदी' लायिल्ल्या तांबश्या खाडार भोंवडायत 'मुंशी इकराम अली' जेन्ना स्कुलांत वतालो तेन्ना वाड्यावयले लोक आपल्यो घडयाळी लायताले. मुंशी ज्युस्त पावणे धा वरांचेर चूक नासताना घरांतल्यान स्कुलांत वचपाक भायर सरतालो.

शिंयांचे दीस, उबाळाचे दीस, पावसाचे दीस, वादळ वारें कितेंय आसूं ताचो वेळ

केन्ना चुकपाचो ना. तो खूब इमानदारीन शिकयतालो. वर्सा दर वर्सा भुरगीं येतालीं, शिकतालीं आनी वतालीं. भुरगें नाशिल्ल्यान ताका भुरग्यांचो खूब मोग. दिसभर स्कुलांतल्या भुरग्यां सांगातान आशिल्ल्यान ताका आपूण भुरगें बाळ नाशिल्लो हाचें व्हडलें वायट दिसनासलें. सगळे भुरगे ताच्या मोगाळपणाचे सारकेच हकदार आसले.

मुंशीन आपलें पुराय जिवीत 'शरीयत'च्या कायद्या प्रमाण सारलें. केन्ना कसली बेइमानी करूंक ना. कोणाकडेन फटींगपणां करूंक ना. कोणाचो म्हाल हडप करपाचो विचार केलो ना. सदांच पांचूय वेळार 'नमाज' केली. दर वर्सा 'रोजा' दवरलो. सद्दां 'कुरान शरीफ' वाचलें आनी ताची अंमलबजावणी करपाचो यत्न केलो.

आपले उणे मेळकतिंतल्यान पय-पय कुशीक काडून जायते फावट 'हाज' करून आयलो, आनी आपल्या निमण्या वगता खातीर ताणें 'आबे जमजम' पयलींच हाडून दवरिल्लें. जे तरेन हिंदू धार्मीक आपल्या निमण्या वगता खातीर 'गंजाजल' हाडून दवरतात.

वर्गांत ताच्या मेजार पांचव्या लुगटांत गुठलायिल्लें 'कुरान शरीफ' दवरिल्लें आसतालें, ताचें वाचन तो फावल्या वेळार श्रद्धेन करतालो. तांतली बारकाय ताका इतली खबर आसली की स्कुलांत कोणाक कितेंय अडलें जाल्यार तें सुटावें करपाक स्कुलांतले दुसरे मास्तर ताचेशी येताले.

गरमीच्या दिसांतली उमाशेन भरिल्ली सांज आसली. धरतरी आपल्या वयल्या काती सकयल जणू खतखतताली. वारें बंद आसलें आनी सांज ल्हव ल्हव सकयल देंवताली. झाडाचें एक पान पासून हाल नासलें. हातांतलें आयणें कांय उपेगाचें नासले. आंगावेले कपडे जशे दुस्मान जावन आसले. मुंशी इकराम अलीचो 'नमाजा'चो वेळ जाल्लो. आमना बेगमीन व्हिरांचे सारणीन बल्कावांतली विटांची जमीन नितळ केली. जाजम पसरायलें. ॲल्युमिनीयमच्या तोटयेच्या आयदनांत कळशांतलें उदक काडून दवरलें, मुंशीक हात पाय धुवपाक आनी आपूण बल्कांवाच्या एका खांब्याक तेंकून उबी रावली.

'मुंशी इकराम अली'कुडिंतल्यान भायर आयलो. बल्कांवाच्या कोनशाक बसून हात पांय धुले आनी नमाजाक बसलो.

मुंशी जेन्ना नमाज सोपोवन उठलो, तेन्ना आमना बेगमीन म्हटलें, ''जाणां, कितें सांगूंक सोदतालीं.''

''सांग-सांग'' मुंशीन म्हणलें आनी तिचेकडेन कुतूहलान पळोवंक लागलो, कारण 'नमाज' सोंपतां-सोंपतां कितेंच उलोवपाची आमना-बेगमची संवय नाशिल्ली.

''तुका याद आसा तुमी म्हजे खातीर वस्त्रांचो कपडो केन्ना हाडललो?'' आमना बेगमीन सवाल केलो.

''सारकी काय याद ना. कांय म्हयने जाल्या जातले!'' मुंशीन अदमासान सांगलें.

''ना, ना, पुराय तीन वर्सां जालीं.'' आमना बेगमीन सांगलें.

''बरें मागीर?'' मुंशीन विचारलें.

''आतां ही वस्त्रां जायते कडेन पिंजल्यांत, खूब अडचणिचें जालां. दोन वस्त्रांचो कपडो आनीक हाडात न्हय.'' आमना बेगमीन आपलें मागणें दवरलें.

''बरें, हाडून दितां.'' मुंशीन सांगलें. ''पळयात हे फावट कपडो, 'सॅटीन'चो हाडात. तुमकां याद आसा, लग्ना उपरांत जेन्ना पयलेच फावट हांव हांगा आयिल्लीं, तेन्ना तुमी 'लाला बांकेलाल' कडल्यान 'सॅटीन'चे कांय कपडे पसंद करपाक लागून हाडिल्ले. 'तीस' वर्सां जालीं, पूण म्हाका कालूच जाल्ले भशेन याद आसा. पयलेच फावट म्हजे खातीर तुमी कितें हाडिल्लें न्हय.

''कसले बेस-बरे 'सॅटीन' आशिल्लें... लोणी कशें. हात दवरल्यार सुळसुळटालें. हांवें चार कपडे दवरून बाकीचे परत केल्लें. तसलेच 'सॅटीन'चे कपडे हे फावट हाडात न्हय.''

''हाडून दितां पूण एक सांग.... तुकां सारकी याद आसा की तेन्ना तुवें चार कपडे दवरून घेतिल्ले म्हूण?'' मुंशीन गंभिरतायेन विचारलें. ''तुमी यादिची गजाल करतात, तुमी जाणांत, तीं चार वस्त्रां व्हडा उमेदीन हांव जायतीं वर्सां वापरतालीं, तुमी दिल्ली पयलीच 'भेंट' आशिल्ली न्हय ती!'' आमना बेगम उमेदीन पयलिंच्यो यादी काडून उलयली.

''तुवें म्हाका कित्याक सांगलें ना तर की तुवें चार कपडे दवरून घेतिल्ले म्हण.'' मुंशीन बेजार जावन म्हणलें.

''ही कितें व्हड म्हत्वाची गजाल नासली आनी आतां तुमी बसल्यात हांगा तशे बसपाक तुमचेकडेन तेन्ना वेळ खंय आसलो? हांगासर बायलांची कूड आसली, आनी तुमी तर चडसो वेळ बसपाच्या कुडांतूच सारताले. कितें तुमकां याद ना की त्या दिसांनी हें घर इतलें सुपुल्लेंशें नासलें आनी तुमी जेन्ना म्हूण बायलांचे कुडींत येताले तो वगत कितें कपड्यांच्यो खबरी करपाचो आसतालो?'' आमना बेगमचे बाविल्ले पोले तरणाट्यापणांच्या यादीनी तांबडे जाल्ले.

''बरें अशें कर, मात्शी म्हजी शेरवानी आनी कांय पयशे घेवन यो, म्हाका आतांच लाला बांकेलालच्या मांडार वचपाचें आसा.'' मुंशीच्या मुखामळार बेजारपणाच्यो कुरवो उगतेपणी दिसताल्यो.

''आतां इतली कसली घाय आसा? फाल्यां हाडल्यार जाता न्हय!'' आमना बेगम उलयली. ''ना, तशें काय न्ही. आनी फाल्यांचो कितें भरवंसो?'' मुंशीन म्हणलें.

आमना बेगम कांयच समजली ना. ताचो घरकार इतलो कित्याक बेजारला म्हूण. ताची वागणूक पळोवन तिका समजलें की कितें तरी गडबड आसा म्हूण, कितें तरी व्हड नुकसान जालां शें. ती सडसडीत कुडींत गेली आनी मुंशीची शेरवानी आनी तोपी घेवन आयली. तिचे मुठींत पन्नास रुपया आसले. हो मुंशी

इकराम अलीचो पुराय एका म्हयन्याचो पगार आसलो.

मुंशीन बेगी बेगीन शेरवानी घातली, तोपी चडयली, रुपया मोजून बोल्सांत दवरले आनी पांयांत बूट घालून बाजाराचे वटेन गेलो. तो भितरल्या भितर लज, भीड आनी गुन्यांवकारी भावनेंत गुरफटिल्लो. तो आपल्याच विचारांत गूल्ल जावन रस्त्यावेल्यान चलतालो. वाटेर ताच्या विद्यार्थ्यांनी ताका केल्लो नमस्कार ताचे तकलेंतूच नासलो. निमाणो तो लाला बांकेलालच्या मांडार पावलो पूण लाला थंय दिसलो ना.२२-२४ वर्सांचो एकलो भुरगो गादयेर बशिल्लो. भितर ताचेच पिरायेच दोन-तीन आनीक तरणाटे, ते ताचे इश्ट जावंयेत, दोन बायलांक आनी एका जाणट्याक कपडे दाखयताले. गादयेर बशिल्लो भुरगो आपल्या कामांत गुल्ल आसलो. तो कपड्यांचे 'ताग' उक्ते करून तांचें मोल आनी तांचीं खाशेलेपणां तांकां सांगतालो.

मुंशी मांडार वचून एका बाकार बसलो. त्या भुरग्यान ताका विचारलें, ''तुमकां कितें दाखोवं?'' ''म्हाका लाला बांकेलालकडेन काम आसलें'' मुंशीन सांगलें.

''तुमकां तांचे कडेन कसलें काम आसा?'' त्या भुरग्यान विचारलें. ''म्हजो आनी तांचो कांय हिशोब बाकी आसा.'' मुंशीन सहज शें सांगलें.

''तो हिशोब बीन तांच्यासांगाताच गेलो. तांकां मरून पांच वर्सां जायत आयलीं.'' त्या भुरग्यान ताका कळीत केलें.

मुंशी इकराम अली उलयलो. ''हय रे पूण पुता, हिशोब आमच्या दोगां मदलो आसलो. ते ना जाले म्हूण कितें जालें? हांव आसा न्ही. आतां ह्या मांडाचो मालक कोण आसा?'' मुंशीन व्हडा आत्मविश्वासान विचारलें.

मांडार बशिल्लीं गिरायकांय बी तांचें हें उलोवप आयकताले. कारण कपडे दाखोवपाचें काम थांबलेलें. त्या भुरग्यान सांगलें, ''लाला बांकेलाल' म्हजो बापूय. आतां हो मांड म्हजो जावन आसा. तुमी म्हाका सांगात की तुमचो आनी तांचो कितलो हिशोब आसलो? तांचीं सगळी देणी आमी दिवन उडयल्यांत. आतां हांव तुकां कांयच दिवपाचो ना.'' मुंशी इकराम अलीक घेणेकारी समजून ताणें हात फाफुडले. ''हांव घेवपा येवंक ना. पूण ३० वर्सां पयलिंचो हिशो फारीक करपाक आयलां.'' मुंशी इकरा अली हासत हासत उलयलो.

''कितें ३० वर्सां पयलिंचो हिशोब? पू त्या काळाचें आमचेकडेन, कांयच बरयल ना.''आतां तर त्या भुरग्याचे दोळे दिपकावले हेर गिरायकय बीन थटाकलें. आयच्य जमान्यांत आनी कोण ३० वर्सां फाटल हिशोब फारीक करपाक येता. पुराय एक पिढ बदलल्या. मांडावयले गादयेर जाण्टे पयस जावन तरणाटे बसल्यात. विचार करपाचं पद्धतूय पिळगे सांगातान बदलल्या. ''तुजे हिशोब तुजेकडेन नासूं, म्हजे तकलेंत तो बेस बरो आसा, आनी पुता एक गजाल बरेबशेन मतींत दवर, दर एका कडेन फट उलोवप शक्य आसा पूण आपलेकडेन फट उलोवप शक्य ना.'' मुंशीन सांगलें.

''मुंशी मात्शें सविस्तर सांगात न्ही कितें पळय तें?'' एका गिरायकान सांगलें. जो मुंशीचेच पिरायेचो दिसतालो.

SPECS-I

In our showroom eye wear collection is distinguished by highly innovative models in terms of stylistic and creative content, you can pickup any of the premium spectacle and contact lensses including some of the world's best brands in spectacle frames and sunglasses



Spectacle Frames Sunglasses Progressive Lense Contact Lenses

Tatally Computerized - FREE EYE TESTING

Timing - 9.00 am to 9.00 pm.(Open on Sunday)

Specs i Opticians :- Sansha Lajoy Complex, Sho No. 23, Panjim - Mapusa Hignway, Alto-Porvorim, Goa. Mobile : 9096570035/9970320108

''लाला-बांकेलाला'च्या ह्याच मांडावयल्यान हांव आपल्या घरा कपडे व्हरतालों. केन्ना रोख पयशे दिवन तर केन्ना उदार. पयशे देण्याघेण्यांत केन्ना कमी-चड जालें ना. दादले मनीस मांडार येवन कपडे वेंचून व्हरताले, पूण त्या जमान्यांत लोकांच्या घरचीं बायलां आमचे बशेन बाजारांत भोव नासलीं, म्हूण बायलांचे कपडे वेंचून काडपाक, तांचे खातीरच कपडे घरा घेवन वताले. जे कपडे बायलां वेंचून काडटालीं तांचो हिशोब जातालो. आनी हेर कपडे परतून दिवप जातालें. सादारण ३० वर्सां पयलींची खबर. तेन्ना म्हजें लग्न कांय दिसां पयलींच जाल्लें. म्हजे बायलेन वस्त्रांक लागून कापड हाडपाक सांगलें. हांवें लाला-बांकेलाल कडल्यान सॅटीनचे कांय कपडे जे वस्त्राच्या मापान कापून दवरिल्ले आसतात ते घेवन घरा गेलों. म्हजे समजणी प्रमाण बायलेन दोन कपडे वेचून काडले आनी हेर कपडे परत केले. हांवें दोन कपड्यांचे पयशे लालाक फारीक केले. लालानूय कांय सांगलें ना. ताका दिशिल्लें की हिशोब सारको जालो म्हूण. पूण खरें म्हणल्यार हिशोब सारको जावंक नासलो. तीस वर्सां उपरांत आयज म्हजे बायलेन उलयतां उलयतां सांगलें की तिणें त्या वगतार दोन न्हय तर चार वस्त्रांचे कपडे दवरून घेतलेले. दोन कपड्यांचे पयशे ३० वर्सांसान म्हजे कडल्यान दिवपाचे उरल्यात. हांव ह्या संवसारांतलें 'उदार' दुसऱ्या संवसारांत घेवन वचूंक बिल्कूल सोदिना. हांव ह्या संवसारांतले सगळे हिशोब फारीक करून वचूंक सोदतां. म्हणून तूं म्हाका म्हजो हिशोब करून सांग. हांव हिशोब फारीक करूंक आयलां.'' मुंशीन पुराय खबर सविस्तर सांगली.

''पूण ही खबर तर म्हज्या जन्मापरस पयलींची. म्हाका कितें खबर की त्या काळार सॅटीनच्या कपड्याचें मोल कितें आसलें म्हूण?'' गादयेर बशिल्ल्या भुरग्यान मुंशीक विचारलें.

''म्हाका खबर आसा. त्या काळार 'सॅटीन'च्या एका वस्त्राचो कपडो अडेज रुपयांनी लालान दिल्लो. तेन्ना कपड्यांची उरिल्ली रक्कम पांच रुपया जाली. आनी हे पांच रुपया तीस वर्सां म्हजेकडेन उदार उरले. तेन्ना पांच रुपयांचें तीस वर्सांचें कळंतर कितलें तें तातूंत जोडून म्हाका सांग. मातूय फाटीं-फुडें जावं नाका.'' मुंशीन सांगलें. त्या भुरग्यान गल्ल्यांतसून 'कॅलक्युलेटर' काडलो आनी हिशोब करपाक लागलो. मांडावयलीं हेर गिरायकां अजापीत जावन हें पळयताले. ते मुंशीच्या पिशेपणाचेर हांसताले. तांचे नदरेन असली इमानदारी म्हळ्यार पिशेपणाचीं लक्षणां.

पूण जाणटें गिरायक जें आसलें ताच्या मुखामळार खोशी पातळलेली, तो व्हडा गर्वान मुंशी इकराम अलीक पळयतालो. हिशोब करून त्या भुरग्यान सांगलें, ''सगळे मेळून, व्याज धरून एकतीस रुपया जातात.''

'मुंशी न पयशे फारीक केले आनी कांयच उलय नासतना थंयसून भायर सरलो. हांसपी, एका तरणाट्यान 'कमेंट'मारलो, 'कसले कसले 'पिशे' ह्या संवसारांत रावतात. 'कलीयूग' सोपोवन 'सतयूग' हाडपाचें चिंततात.''

मुंशीक आदरान पळोवपी त्या जाणट्या गिरायकान त्या तरणाट्याक म्हणलें. ''पुता, जर तुवें तुज्या जन्मवर्साच्या चाळीस वर्सां आदीं जन्म घेतिल्लो जाल्यार अशे तरेन एका 'इमानदार' मनशाक 'पिसो' म्हणचो नाशिल्लो. तेन्ना 'इमानदारी' जिवीताची 'गरज' जावन आसली. तूं अश्या काळार जन्मला, जेन्ना लोक 'इमानदार' जावपाक न्हय, 'इमानदार' दिसपाक सोदतात. अशें दिसता 'इमानदार' दिसपाचो हो प्रयत्नय बी फुडल्या कांय वर्सांनीं काबार जातलो.''

'मुंशी इकराम अली' उपरांत जाल्ले घडणुकेपसून बेखबर जावन बाजारांतल्या रस्त्यावयल्यान आपल्या 'मेंदी' लायिल्ल्या खाडाचेर हात भोंवडायत नीट पावलां मारीत वतालो. त्याच्या मुखामळार खोशयेचीं ल्हारां व्हांवतालीं.

(नरेंद्र तिवारी हांचे हिंदी कथेचो उदय देशप्रभू हाणीं कोंकणीत केल्लो अणकार)

बिम्ब मासिकाक शुभेच्छा :

माणिक बार ॲन्ड रेस्टोरन्ट

कदंब बस स्टॅण्ड सामकार
दिवचल - गोंय

प्रोप्रा. - प्रकाश नायक

उत्कृष्ट शाकाहारी, मांसाहारी, गोमंतकीय जेवण

ललित

शं
क
रा
प्पा



आजय शंकराप्पा मरून
कितलीं वर्सां जालीं
हाचो म्हजेकडेन
हिशोब ना.
हालीं काशीय निवृत्त
जावन सोंपलो.
पूण तार्णे फाटल्यान
चार दोतोर
करून सोडले.
काशीलीं चारय
भुरगीं दोतोर.
हे दोतोर शंकराप्पा मरचे
आदीं जाल्ले जाल्यार
तो ताचें श्रेय
बिमलेश्वराक
दितलो आशिल्लो.
पूण हांव मात तें
शंकराप्पाले
सुनेक- उर्मिलेक दितां.
ती सोडून आनी कोणय
आशिल्ली जाल्यार
आपल्या चारय भुरग्यांक
दोतोर करूंक
शकची नासली.

म्हजी आनी ताची पयली भेट जाली तेन्ना तो अयशांच्या घरांत आशिल्लो जावंये! चड लांबूय न्हय आनी चड मोटवोय न्हय असो मध्यम बांदो. बुतांवां पासत काजां दवरिल्लें रिस्काद खोमीस. ताचेर धवशी ज्युदी. ज्युदयेक काळशे बुतांव आसुनय फुडलो वाठार उकतो. माथ्याक पुडी रंगाची तोपी. तोपये भितर पिक्या केसांचो भोंवरो. धाकटुलो पुनवेचो चंद्रिम कसो. खाड काडूंक एक-दोन दीस उशीर जालो जाल्यार, चेरो आनी माथेंभर धवशा केसांचें शेत उदेतालें. असल्या अवतारांत तोपी काडून कपलाक तांबडो तिबो काडून धान्यमग्न बशिल्लो जाल्यार येतो-वतो ताका नमस्कर करूनच फुडें वचपाचो. शंकराप्पाचें धोतर मात कितलेंय नितळ आनी मोलादीक आसलें तरी तें केन्नाच धोपरासकल पावनाशिल्लें. ताका बूर वाडिल्ल्यान धोतराचो चडसो वांटो गुठलावन तो धोपरा वयर अशे तरेन खोयतालो, की आपलो देफेयत दुसऱ्याक कळचो न्हय. लोकूय शंकराप्पाल्या धोतराकडेन ती एक तागेली फॅशन आसूंये म्हूण दुर्लक्ष करताले. पावसाळो आसूं वा गिमाळो, घरांतल्यान भायर सरलो की शंकराप्पाच्या हातांत लांब दांड्याची काळी सत्री आसतालीच. ह्या भेसांत गंभीर चेऱ्याचो शंकराप्पा रस्त्यावेल्यान चलतना एक आधुनीक रूशी चलता, असो भास जातालो.

शंकराप्पा जातीन दैवज्ञ. ताका आपल्या जातीचो चड अभिमान. हिंदू धर्मांत दैवज्ञाहून व्हडली जात दुसरी ना, असो शंकराप्पालो समज. दैवज्ञाचो पारंपारीक धंदो भांगर पेटपाचो. ताका लागून शेट म्हळ्यार सुवर्णालंकार घडोवपी असो लोकांचो समज. पूण शंकराप्पाक तें बिल्कूल मान्य नाशिल्लें. ताचे दिश्टीन शेट म्हळ्यार श्रेश्ठ, व्हडलो मनीस. तो मागीर भांगर पेटू वा ना पेटूं. जाचे विचार श्रेश्ठ तो 'शेठ'. शेट न्हय. शेटपण करून शेटीचो 'शेठ' जावं येता. पूण शेठ हो विचारांनी श्रेश्ठ आसतच म्हूण कोणाच्यान सांगू येना, हें शंकराप्पाचें ठाम मत्त. ताका लागून शंकराप्पा शेट जावन 'शेठ' जावपाचे भानगडीक केन्नाच पडलो ना. कारण ताका खबर आशिल्ली, उच्च विचारांचो श्रेश्ठ मनीस शेटपण करून 'शेठ' जावपाचे लायकेचो उरना. कारण एकदां धंदो सुरू केलो की, ताका उजू वाटेक बगल दिवन वाममार्गाचो आदार

घेवचोच पडटा. ताका लागून शंकराप्पाच्या घरांत ताचे मुस्तींत ना केन्ना आगटें पेटलें, ना केन्ना तुतयाक थारो मेळ्ळो. कोणय म्हण्टलो, तशें जाल्यार ताणें आपल्या बायल-भुरग्यांक पोसलीं कशीं? चलयांक लग्न कशीं करून दिलीं?

खऱ्या अर्थान शंकराप्पा शेटय नाशिल्लो आनी शेठय बी. तो आशिल्लो एक ल्हानसो जमीनदार. दोन शेताकुडके आशिल्ले ताच्या नांवार. ह्या दोन शेतांकुडक्यांच्या नाड्यार 'ठेविले अनंते तैशेचि राहावे' ह्या संतवचनाच्या आदारान चलयतालो शंकराप्पा आपलो संवसार! वर्सभर शीत-पेज जेवपाक आयतेंच भात मेळटालें. थोडें भात विकून नुस्त्या-पास्त्याची आनी कपड्यालत्त्याचो खर्च भागतालो. ताका लागून खोटलोभर भुरगीं जल्माक घाल्ल्याची खंत केन्नाच भोगलिना ताका.

शंकराप्पाक शिक्षणाची चड आवड. तो तेंप आशिल्लो पोर्तुगेज शासनाचो. लटरफटर हिंदूनी थोडेंशें शिक्षण घेतलेंच जाल्यार तें मराठींतल्यान. शंकराप्पाच्या वांगड्यांनी पयली-दुसरी शिकून शाळा सोडली. तांकां हाचे परस चड शिकून फायदो कांयच नाशिल्लो. वाचूंक-बरोवंक आयल्यार पुरो. साकाट्यांचेर बसून तकली घासल्यार कसलो आदाव? हो विचार करून खूबशे भुरगे मदेंकाताक शाळा सोडून आपापल्या धंद्याक लागताले. अशें आसलें तरी शिक्षणाची आवड आशिल्ल्या शंकराप्पान पांचवी मेरेन मराठी शिक्षण घेतलें. ह्या शिक्षणान शंकराप्पाचे दोळे उक्ते जाले. जिविताचो अर्थ ताका बरेभशेन कळ्ळो. आध्यात्मिक ग्रंथांचें ताणें भरपूर वाचन केलें. ताका दिसलें आपूण आतां पंडित जालों. तेच मोलाचें शिक्षण आशिल्लें तें. त्या तेंपावेल्या पोर्तुगेज लिसेव शिकिल्ल्या विद्वाना परस शंकराप्पालें शिक्षण खर आशिल्लें. ताका दिसतालें, पोर्तुगेज शिक्षण घेवन फांतांत गुरफटच्या परस आपूण कोट-तोपयेंतलो धोतरवालो बाप्पा खूब बरो आसा, हाचें आत्मीक समाधान मेळटाले शंकराप्पाक!

तरी एक गजाल शंकराप्पाक दिसान दीस अस्वस्थ करताली. ताच्या भावालो एक चलो पोर्तुगेज शिकून 'प्रोफेसोर जावपाचे वाटेर आशिल्लो. धोतरवाल्यांच्या घराब्यांत फातवालो सिन्योर फुडें येवपाचो आसा हें शंकराप्पाक दिसूंक लागिल्लें. ताका दिसतालें आपल्या भावालो चलो फात मारून पोर्तुगेज उलोवंक लागलो जाल्यार ताच्या मुखार आपल्या भुरग्यांची मान खालती पडटली. शंकराप्पाक पोर्तुगेजीचें व्हडलेंशें कांयच पडूंक नाशिल्लें, पूण भुरग्यांनी फुडें आपल्याक दुशणां दिवची न्हय म्हूण ताका दिसतालें, आपणे एका तरी भुरग्याक पोर्तुगेजीक घालचो.

शंकराप्पाचो दुसरो चलो काशिनाथ ऊर्फ काशी शिकूंक खूब हुशार आशिल्लो. शंकराप्पान ताकाच 'इस्कोल प्रिमारीयोंत दाखल केलो. ताणें आपल्या पुताक सांगलें, 'जाणा मरे काशि, तूं जर मन लावन शिकलो, तर हांव तुका दोतोर करतलों.' शकराप्पान आपल्या बोडार हात भोंवडायत काशीचेर नदर थीर करून म्हळें.

'हांव तुका दोतोर करतलों.' ह्या आपल्या बापायल्या उतरांची काशीन घट्ट गांठ बांदली. आपूण खऱ्यांनीच आतां दोतोर जातलों, अशें ताका दिसलें. 'हांव दोतोर जातलों-हांव दोतोर जातलों.' अशें म्हणत तो आपल्या आवय भोंवतणी नाचूंक लागलो. ताका इतली खोस भोगली की आपूण आतां खऱ्यांनीच दोतोर जातलों अशें ताका दिसूंक लागलें. आपलो बापूय जें कितें उलयता, तें खरें करून दाखयता, हाचो अणभव ताका आशिल्लो. पूण आपलो बापूय आतां सपनां रंगयता हाची कल्पना ताका खंय आशिल्ली? आपल्याक दोतोर करपाची तांक आपल्या बापायक ना म्हणपाची इल्लीय कल्पना त्या निर्बुद्ध काशीक नाशिल्ली.

काशी मुळचोच शिकपाक हुशार. मराठी चोवथी मेरेन शिकता आसतना पयलो नंबर केन्नाच सोडलो ना. आतां तर बापायन ताका दोतोर करपाची आस दाखयली. ताका आतां दिसान दीस कट्टी- कट्टी मांस चडूंक लागलें. दोतोरकेचो ध्यास घेवन तो रात आनी दीस अभ्यासाक लागलो.

आपल्या पुताक दोतोर करपाची इत्सा शंकराप्पाक आशिल्ली खरी, पूण ती पुराय जावंचिना हेंय तो जाणा आशिल्लो. पूण आपलो पूत आतां खऱ्यांनीच मन लावन शिकता तें पळोवन शंकराप्पाल्या मनांतली इत्सा वाडत गेली आनी आपल्या पुताखातीर कितेंय तरी करचें अशें ताका दिसूंक लागलें.

पुताक दोतोरकी शिकयतलो जाल्यार बापायक हजारांनी रुपयांची वेवस्ता करपाची पडटाली. शंकराप्पाचे मुस्तींत एकूय दोतोर जालोच जाल्यार तो हिंदू बामण ना जाल्यार किरिस्तांव भाटकार. हिंदू शेट-मेस्ताचें काम नाशिल्लें तें. एकाद्रो शेट चुकून दोतोर जालो जाल्यार ताणें मळबाक हात तेकयल्यावरी दिसतालें समाजाक. शंकराप्पालीय तसलीच गजाल आशिल्ली.

काशी आतां 'लिसेंवाक' पाविल्लो. तो बऱ्या मार्कांनी पास जाता तें पळोवन एक दीस ताचो प्रोफेसोर येवन शंकराप्पाक मेळ्ळो. म्हणूंक लगलो, ''शिन्योर शोंकार, तुजो पूत आहा शिकोंक हुशार. कित्याक घाली ना तूं तेका मेदिसीनांक.'' हें आयकून शंकराप्पा प्रोफेसोराच्या तोंडाक केदो वेळ पळेतच रावलो. आपूण कफल्लक. चल्यांक मेदिसीनाक घालून खर्च करपाची आपल्याक तांक ना, अशें सांगपाक शंकराप्पाच्या तोंडांतल्यान उतरां सुटलीं नांत. मात शिंतिदार आयल्या उपरांत ताणें प्रोफेसोराच्या प्रस्तावाचें हांसत हांसत स्वागत केलें. ते भायर शंकराप्पा कांयच करूंक शकनासलो. आपल्याक खबर आशिल्लें 'ओब्रिगाद' हें उतर मात तो वदूंक विसरलो ना.

प्रोफेसोर उलोवन गेल्या उपरांत शंकराप्पाच्या तकलेंतल्या विचारांचें गिरगीरें नेटान घुवूंक लागलें. इतलें की, सोताच्या

बोडार हात भोंवडायत तो बल्कांवार पासयो मारूंक लागलो. पूण ताणें कितल्योय पासयो माल्ल्यो आनी बोड सासपिलें म्हूण काशी कितें दोतोर जावपाचो आसा?

शंकराप्पाले सोयरेधायरे गिरेस्त आसले. पूण शंकराप्पाक मजत करिसारको एकटोय नासलो. शंकराप्पाय जाणा आशिल्लो, आपल्या नात्यांतल्या मनशांनी कोणाकय मजत केल्ली जाल्यार ते गिरेस्त जावंक पावचे नाशिल्ले. तेन्ना तांचेकडेन हात फांफडप म्हळ्यार ओमथ्या कळशार उदक! चड करून रिवणच्या बिमलेश्वराचेर. बिमलेश्वराशिवाय ह्या संवसारांत व्हड आनी कोण ना अशें दिसतालें ताका. संतजनाच्या तोंडांतल्यान बिमलेश्वरच उलयता. ताका लागून 'ठेविले अनंते तैसेची राहावे.' , 'आले देवाचीया मना, तेथे कोणाचे चालेना', 'जेथे जातो तेथे तू माझा सांगाती....', 'प्रयत्ने वाळूचे कण रगडितां तेलही गळे' ह्या सारक्या संतवचनांच्या आदारान दिसपट्टें जिवीत सारतालो शंकराप्पा. कारण संतमुखांतल्यान बिमलेश्वर उलयता ही ताची श्रद्धा. संतवचनां म्हळ्यार बिमलेश्वरान घालून दिल्ल्यो मेरो. ह्यो मेरो तो सट्ट करून हुपूंक तयार नासलो. ताकाच लागून 'वाळूचे कण रगडितां तेलही गळे' ह्या वचनाचो ताणें आदार घेवपाचो थारायलो.

शंकराप्पाल्या एका भावाल्या चल्याचें नांव हरीशेट. व्हडल्या भावालो चलो तो. 'शेटपण' आनी 'शेठपण' दोनूय करतालो. हातांत पयसो भरपूर. पूण हातांतल्यान दमडी सुटपाची ना. तरी 'अडला हरी गाढवाचे पांय धरी' म्हूण शंकराप्पान आपल्या पुतणयांकडेन तोंड फाफुडपाचें थारायलें. आपल्याच फामिलेंतल्या आरसाट्या कुबेराकडेन तोंड फाफुडपाक कितें दुडू पडपाचे आसात? असो विचार करून शंकराप्पा दुसरे दिसा सकाळींफुडें उठलो. मनापासून बिमलेश्वराचें नामस्मरण केलें. दचकत-दचकत आपल्या

पुतणयां म्हऱ्यांत वचून उबो रावलो. आपल्या म्हऱ्यांत आयिल्ल्या शंकराप्पाक पळोवन हरीशेटील्या तोंडांतल्यान म्होंव गळपाक लागलें. हरीशेटीच्या मनांत जेन्ना बोकडो कापचेले विचार येतात, तेन्ना ताच्या तोंडांतल्यान म्होंव गळपाक कोमेस जाता.

''कितें शंकराप्पा, आयज सकाळी-सकाळीं सो?''

लक्ष्मीच्या पायंजेलाक उजवात उंवाळून जाल्या उपरांत पुतणयान शंकराप्पाक म्हळें. ''तुजेकडेन म्हजें एक ल्हानशें काम आसलें रे हरी. तूं ते ना म्हणचोना, हाची खात्री आसा म्हाका!'' खरें म्हळ्यार शंकराप्पाक हरीशेटीची खात्री नाशिल्लीच. फुलां माळून कितेंय सादलें जाल्यार सादलें म्हूण गेल्लो शंकराप्पा हरी म्हऱ्यांत.

''कसलें काम तें सांग तरी म्हाका. पळोवया जाता जाल्यार. बस, च्या घेतलो?'' हरीशेटीन वयलेतरांक म्हळें.

''नाका-नाका, पयलीं कामाचें उलोवया.''

''सांग.'' हरीशेटीन वक्लांतल्यान पळेत म्हळें.

''काशीक मेदिसीनाक घालपाचो विचार चल्ला. कितें करूया?'' हें आयकून हरीशेटीक कच्च जालें. तरी चेऱ्याचेर खोटो उजवाड हाडून ताणें म्हळें, ''विचार वायट ना. घालता मरे मेदिसीनाक, घाल! हुशार आसा तो. जातलो पास.'' अशें म्हणून हरीशेटीन आपल्या जांगडार ठॅप करून थापटी माल्ली.

''घाल तें बरें रे, पूण दुडू नाकात? ते खंयच्यान हाडूं? एका भुरग्याक दोतोरकी शिकोवप हें गिरेस्तालें काम. हार उडटा म्हूण गायंडोळ उडटा, अशी स्थिती जाल्या रे हरी म्हजी! कितें करचें कांयच समजना.'' अशें म्हणल्या उपरांत शंकराक दिशिल्लें, आपल्या पुतणयाच्या पाखणी काळजाक पाझर फुट्टलो. बिमलेश्वर ताच्या काळजांत शिरून घडये तो म्हणत, 'कित्याक भिता रे तूं बाप्पा! हांव आसां न्हय, घाल तूं काशीक मेदिसीनाक. खर्चाचें मागीर पळोवया.' पूण तशें कांय घडलें ना. हरीशेटीच्या काळजामुखार बिमलेश्वराची कृपाशक्ती उणी पडली. हरीशेटीन चक्क म्हळें, ''पयशांचो प्रश्न तुजो. तो तुजे पद्धतीन तुकाच सोडोवंचो पडटलो.'' शंकराप्पाल्या खोट्या अपेक्षेचें वारें फस्स करून सुटलें. तरी गरजवंताक लज नासता म्हूण तो फुडें उलयलोच, ''आरे, हो काशी दोतोर जाल्यार आमकां आनी आमचे फामिलेक ऑर्र मरे पापया! हे आदीं आमच्या घराब्यांत केन्ना दोतोर जावन गेला रे...?''

''ना बाप्पा! आतां जावंदी. काशी दोतोर जाल्यार म्हाकाय चड खोशी जातली.'' शंकराप्पाचें उलोवणें हरीशेटीन मदींच तोडलें.

''तूं कर रे म्हाका मजत. धाडटां हांव ताका मेदिसीनाक. तुवें आदार दिल्यार म्हजो हुसको ना जातलो.''

''हांव कसलो आदार दितलों बाप्पा?'' हरीशेट पुटपुटलो.

''तूं म्हाका लेत्रान पांच हजार दी. तुजो पयशान पयसो ज्युरान फारीक करतां हांव.''

''कसो करतलो फारीक? कितें आसा रे

तुजेकडेन?'' हरीशेटीन म्हेळ्या आंगोस्तराक वक्ल पुशीत प्रस्न केलो?

''कितें रे पापया तूं हरी! सगळें रामायण आयकून सीता रामाची कोण काय म्हूण विचारता मरे तूं! काशी दोतोर जातकच खोऱ्यांनी पयसो ओडटलो. मागीर तुगेल्या पांच हजारांचें कसलें कोंत? हॅय! '' शंकराप्पान 'हॅय' भायल्या झाडांपेडांचेर निर्शेवणी नदर मारून म्हळें.

''कितें रे बाप्पा, फकाणां करता म्हजीं? दर्यांत आसा नुस्तें, आनी वावराडी रगड्यार वाडटा आळेण, तसली भास जाली मरे तुगेली, आतां तू मात्सो गेल्यार बरो. बेटीच तकली बेजार करूं नाका म्हजी. नसती कटकट!'' हरीशेट मनांतल्या मनांत उलयलो.

शंकराप्पा निर्शेलो ना. हें ताका अपेक्षीतच आसलें. 'अडला हरी गाढवाचे पांय धरी' अशें म्हणून शंकराप्पान हरीशेटीक फाट केली आनी घरची वाट धल्ली.

''बाप्पा थांब'' हरीशेटीन धेंगशेल्ल्यावरी केलें. शंकराप्पाल्या मनाची आस कोमरेली. तो परतलो. आपल्या पुतणयां म्हऱ्यांत येवन एका मुंडकाऱ्यावरी उबो रावलो. ''बस बाप्पा'' हरीशेटीन शंकराप्पा म्हऱ्यांत कदेल धुकल्लें आनी आपूण जमनीर आसनमांडी घालून बसलो.

हरीशेटीक दिसलें, आपल्या पुतणयां तकलेंत शेर्त बिमलेश्वर शिरला. आपणे पांच हजार मागल्यात, दोन-तिनाक तरी मरण ना. तितले मेळ्ळे तरी सुर्वेक पुरो जातले. मागीरचें मागीर पळोवया, अशें म्हणून ताणें बिमलेश्वराचें स्मरण केलें. आनी तो भाटकार कसो कदेलार बसलो.

''बाप्पा म्हज्या मनांत एक कल्पना सुचल्या. मानवता जाल्यार पळे तुका,'' एका कुल्यावेलो पेज दुसऱ्या कुल्यार घालीत हरीशेटीन म्हळें.

''उलोवन तरी दाखय, पळोवया फायद्याक पडटा जाल्यार.'' शंकराप्पान उत्सुकतायेन म्हळें.

''बाप्पा तुजेकडेन दोन शेतां आसात.''

''हय आसात. मागीर?''

''तांतलें एक उडय विकून!'' हें आयकनाफुडें शंकराप्पा फट्ट करून उठलो. हरीशेटीले खावपाचे दांत ताका स्पश्ट दिसूंक लागले. थंड आनी शांत सबावाचो शंकराप्पा रागान थरथरलो. दोळे वटारून ताणें आपल्या पुतणयाचेर नदर माल्ली.

''बाप्पा, असो रागान कित्याक पळेता! तुज्या पुताक दोतोर करूंक जाय न्हय? एकदां दोतोर जालो म्हण्टकच तो खोऱ्यांनी दुडू ओडटलो, अशें तूंच म्हणटालो. आतां दोनांतलें एक शेत विकलें म्हूण कितें जालें? काशी एकदां दोतोर जालो म्हणटकच अशीं कितलीं शेता घेत! विकलें जाल्यार भायल्यांक मात विकू नाका, हांव घेतां. आपले फामिलेंत, आमच्या भितर उरूं दी. हांवें तुका फकत कल्पना सांगल्या. तीय तुज्या बऱ्या खातीर. घरा वच आनी बरोऽ विचार कर. बेटीच घाई नाका.''

आपल्या पुतणयाच्या प्रस्तावान शंकराप्पा बेजारलो. आपले परिस्थितीचो गैरफायदो घेवन आपलें शेत पुतणयों बळकावंक सोदता, हाची ताका पुराय

When in Mumbai

॥ हायवे गोमंतक ॥

कोंकणयाची खानावळ

महिला गृहउद्योग ४४२४ गांधी नगर

मराठा म्टोअर्सच्या मागे

पश्चिम महामार्ग मरोल, वांद्रे (पूर्व) मुंबई ४०० ०५१

Phone : 26409692 / 26453120

Authentic Goan Food at it's Best

Prop. : R. P. Potnis

(गुरुवारी बंद)

जाणविकाय जाली. तरी तो तिडकलो ना. 'आलिया भोगाशी असावे सादर देवावरी भार ठेवोनिया' अशें म्हणून तो संथ पावलांनी घरा परतलो.

शंकराप्पालें चित्त इतलें अथीर ह्या आदीं केन्नाच जावं नाशिल्लें. ज्या शेतांच्या नाड्यार तो आयज मेरेन निश्चिंतपणान आपलो संवसार चलयत आयिल्लो, तीं विकपाचो विचार ताच्या मनांत केन्नाच आयलो ना. हीं दोनूय शेतां ताचें बळ आशिल्लें. हें बळ ना करपाचो विचार हरीशेटीच्या मनांत आयलो, ही गजाल शंकराप्पाच्या मनाक लागली.

घरा येवन शंकराप्पान चिंत-चिंत चिंतलें. आपल्या पुताक दोतोर करतलो जाल्यार, शेत विकल्याशिवाय दुसरो पर्यायच नाशिल्लो ताचेकडेन. काशी दोतोर जालो जाल्यार खोऱ्यांनी पयसो ओडटलो, ही गजाल शंकराप्पानच हरीशेटीक सांगिल्ली. आतां एक शेत विकलें ना जाल्यार शंकराप्पाल्या उतरांचें मोल उणें जातलें, हाची खंतय ताच्या मनाक लागिल्ली. ताका लागून शंकराप्पा आपलें मत बदलूंक शकनासलो. नाक मुठींत धरून तो हरीशेटील्या दारांत गेलो. 'हरी, हांवें घरा वचून खूब विचार केलो पुता! पटलें म्हाका तुगेलें. हांव शेत विकूंक तयार आसां. सांग कितले दितलो म्हाका?'' शंकराप्पान आशेन हरीशेटीच्या तोंडाकडेन पळेत म्हळें.

''तू आनी कितें बाप्पा! तुका पांच हजारांची गरज आसा. ती हांव भागयतां. वाटपण करून उणें कर म्हण सांगना तुका हांव.'' हें आयकून शंकराप्पाक माल्लो सणसणो. तरी ताणें राग गिळून म्हळें, ''कितें रे पुता म्हज्या, सामकोच खावंक सोदता रे म्हाका! बोट दाखयलें म्हूण हात गिळूंक सोदता?'' हीं उतरां हरीशेटीक बादलीं. तरी थंडपणान ताणें म्हळें, ''हें पळे बाप्पा, शेत घेवन हांव तुजेर उपकार करतां, हाचे परस चड मेळटा जाल्यार तूं तें आनी कोणाकय वीक नाजाल्यार विकू नाका. कोणाक जाय नसती कटकट!'' हरीशेट पिंजळ्ळो. शंकराप्पान चिंतलें, फुडें उलोवन कसलोच आदाव ना. ताणें पांच हजारांक शेत सा केलें.

काशिनाथ मेदिसीनाक येंत्राद जालो. नव्यो-नव्यो अडचणी, शंकराप्पाच्या फाटल्यान हात धुवन लागल्यो. हो वेळे मेरेन दोन शेतांचें भात मेळटालें ताका. थोडें भात विकून नुस्तेंपास्तें जातालें. थोडें शिल्लक दवरून गरज पडटा तेन्ना विकून कपडेलत्त्यांची गरज भागताली. आतां सगळ्याक येर पडिल्ली. शंकराप्पाले हात बळकट आशिल्ले तेन्ना ताच्या शाणेपणाक मोल आशिल्लें.

ज्योतिशशास्त्र शिकूनय ताचेर ताचो विश्वास नाशिल्लो. तें थोतांड म्हूण पुराय जाणविकाय आशिल्ली ताका. तरी आतां परिस्थितीक लागून, 'नरो वा कुंजरोवा' म्हणत ज्योतिशशास्त्राचो ताणें वेवसाय सुरू केलो. आपल्या बापायक मजत जावंची, ताचेवेलें चेंपण पयस जावंचें म्हूण काशिनाथानय शिकवण्यो सुरू केल्यो. अशे तरेन 'कोको-मेमे' करीत शंकराप्पान फुडलीं चार वर्सां धुकल्लीं. शंकराप्पाचो पूत काशीचो दोतोर काशिनात जालो.

काशीच्या हुशारकायेन तो दोतोर जालो खरो, पूण शंकराप्पा मात तें मानूंक तयार नाशिल्लो. ताका दिसतालें, बिमलेश्वराचे कृपेन आपलो पूत दोतोर जालो. मनशान कितलेय प्रयत्न केले, तकली धाडयली तरीय 'करता करविता' बिमलेश्वरच, अशें ताका दिसतालें.

कितेंय जावं, काशी दोतोर जालो आनी शंकराप्पाच्या फामिलेंतलो एक हरीशेट सोडून सगळ्यांक खोशेचें भरतें आयलें. शंकराप्पाले फामिलेंतलो काशी हो पयलोच दोतोर. इतलेंच न्हय, गांवांत कितलेशेच गिरेस्त शेट आसूनय तांच्यात आयज मेरेन एकय दोतोर जावं नाशिल्लो. ताका लागून काशीचें भायर-भितर सगळेकडेन कवतूक जावंक लागलें. शंकराप्पाक तर दिसलें, आपले आतां वायट दीस पैयसावले. ताच्या घरांत खोशेक ओतो आयलो.

पूण हो ओतो तसोच उल्लो ना. दुदाच्य ओत्याचेर कोणेंय तरी येवन फूंक मारची आनी तो ओतोय थंयच्या थंयच जिरचो ते प्रमाणें खंय तरी दडून बशिल्लें दुर्दैव अकस्मात फुडें येवन, शंकराप्पाच्या खोशेच्या ओत्याचेर फूंक मारून तो खिणांत जिरयल्यावरी जाल्लें.

शंकराप्पाक शेटपण केन्नाच जमलें ना. पूण ताचो बापूय शेटपण करतालो म्हूण शंकराप्पा शेट उरिल्लो. तितल्याचेरच तें थांबलें ना. शंकराप्पा शेट म्हूण ताचो पूत दोतोर जावंनूय जल्मभर शेटूच उल्लो. गांवचे लोक, चड करून हिंदू ताका शेट दोतोर म्हणूंक लागले.

गांवांत बामण, किरिस्तांव बी दोतोर आशिल्ले. पूण तांकां बामण दोतोर, किरिस्तांव दोतोर बी म्हणपाचें धाडस कोण करिनाशिल्ले. मात शंकराप्पाल्या पुताचेर 'शेट दोतोर' म्हूण मारिल्लो शिक्को मात सासणांचो उल्लो.

शंकराप्पाक लोकांकडसून 'शेट' म्हणून घेवपाक कसलेंच उणेपण दिसनासलें. कोणे ताका 'शंकरशेट' म्हळो जाल्यार तो गर्वान फुलतालो. पूण आतां मात ताका 'शेट' ह्या उतराचो वायट अणभव येवंक लागलो. खरें म्हळ्यार दैवज्ञ समाजांत कोणय दोतोर-इंजिनेर बी जाल्यार त्या समाजांतल्या लोकांक खोशी जावंक फाव आसली. थोड्यांक जालीना अशी ना. पूण कांय लोक काशीक कुन्नाटेपणा करूंक लागले. हेर समाजांतले लोकय काशी शेटआशिल्ल्यान ताच्यो फाटल्यान बकच्छायो करूंक लागले. ताच्या फिशालकायेविशीं बेटोच दुबाव घेवंक लागले. ताका लागून अणभवी दोतोर आडबऱ्यांच आशिल्ल्यान काशी म्हऱ्यांत पेशंट येना जाले. शंकराप्पा निर्शेलो. ताचें खोऱ्यांनी दुडू ओडपाचें सपन खरेपणाक येवपाक आडमेळे येवंक लागलें. आनी ताका लागून काशीक आपल्या गांवांतली प्रॅक्टीस सोडून पेशंटांच्या सोदीक दुसऱ्या गांवांक

वचचें पडलें.

काशी म्हज्या गांवांत आयलो खरो, पूण शेटींनी ताची फाट सोडली ना. आपलीं नातींगोतीं सांगून ताका लागीं जाले, पूण तपासून घेवंक मात दुसऱ्या दोतोराकडेन वचूंक लागले.

आमकां चड करून हिंदू गोंयकारांक एक पिडा आसा. अबोल मनीस भेटल्यार ताची जात तांकां पयलीं जाय पडटा. दोतोर काशिनाथाचे बाबतींतय तशेंच घडलें. रिवण म्हणटकच हो शेटूच आसूंक जाय अशें तांचें मत्त. खरें म्हळ्यार दोतोर रिवणकार आसलें कितें आनी शिरोडकार आसलो कितें, तांचें शिक्षण एकच आसता. तरी आमच्या गुप्तचरांक तांची जात सोदून काडल्या बगर सूख लागना, नांवावेल्यान ना तर देवावेल्यान जातीकडे पावल्या बगर कशेच रावचे नांत. जात कळ्ळी म्हणटकच ताचें नामकरण चालू, कोण शेट दोतोर, कोण म्हालो दोतोर म्हणून बऱ्या बऱ्या दोतोरांची ह्या लोकांनी वाट लायल्या.

अशी एक गजाल आयकूंक येता की युरोपांतले गोऱ्या कातीचे लोक खंय काळ्या दोतोरांकडल्यान आपल्याक तपासून घेवपाक अनमानतात. पूण हांगाचे लोक सोता काळे आसुनूय जातीच्या आदारान दुसऱ्या काळ्यांक पयस करतात. एक शेटीक ते दोतोर म्हूण उकत्या मनान मानून घेवंक तयार आसनात. इतलेंच कित्याक, एकाद्रो शेट संस्कृत शिकून कितलोय व्हडलो पंडित जालो तरी ताका भटाचो दर्जो दिवंक फाटीं सरतात. खंयचोय समाज, विद्वत्तेक सोडून जेन्ना जातीक चड म्हत्त्व दिता, त्या समाजाची उदरगत सोंपेपणान केन्नाच जावंक पावना.

एकदां म्हज्या घरांत कसलें तरी देवकार्य आशिल्लें. आमच्या गांवांत सदांच जातिवंत भटांची चणचण! कार्य तर वेळार जावंकच जाय. भट तर मेळना, तेन्ना हांवें म्हज्या आवयबापायक समजावन, गांवच्या एका



शेटीक भट म्हूण हाडलो. हो शेट आपल्याच समाजांत गरजेक भटपण करतालो. तसो तो जातिवंत भटापरस चड कार्यक्षम आशिल्लो. संस्कृत भाशेंत ताचो हात धरपी वाठारांत कोणूच नाशिल्लो.

हे धार्मिक कार्यावळीक कांय गांवचीं बायलां हाजीर आशिल्लीं. तांतले एके बायलेक दिसलें भटाक लागून कार्यावळ सुरू जावंना. तिणें जेन्ना भटाची चवकशी केली, हांवें शेटीक बोट दाखयलें. भटा सुवातेर शेटीक पळोवन ती बायल मोटमोट्यान खो-खो करून हांसली. हेर बायलांनीय तिका वांगोड दिलो. फाटल्यान जमनीक हात तेकोवन हांसपी ती बायल कशीच थांबना. शेटीक भट मानपांत तिका व्हडली विसंगत दिसताली. शेटीक भट केल्ल्यान म्हाका तांणी पिशांत काडिल्लो.

तेच परी चार वर्णांत वाटून गेल्लो आमचो हिंदू समाज शेटीक दोतोर मानपाक पाप समजतालो. आयज एकविसाव्या शतकांत जातीयतेचो किडो तांचे तकलेंत वळवळटा. दोतोर काशिनाथ रिवणकार म्हज्या गांवांत आयलो तेन्ना नितळ काळीज आनी हांसतें तोंड घेवन आयलो. ताचे गूण कितलेय बरे आसले तरीय तो शेट दोतोर आशिल्लो. हिंदू लोकांनी ताचेकडेन सुर्वेकच फाट केली. मात किरिस्तांव खारव्यांनी ताका आपलो मानलो. तांच्या आदारानच तो कशेंय तरी पोट चलोवंक लागलो.

दोतोर काशिनाथ रिवणकाराली दोतोरकी बरी ना चलपाक आनीक एक कारण आशिल्लें. तो गरीबकायेंतल्यान वयर आयिल्ल्यान ताका गरिबांचो देमायज कळवळो. बाकीचे दोतोर झेतकार आनी हो सादोभोळो. आपल्या पेशंटांक तो बरीं गुणकारी पूण सवायशीं वखदां सोदून दिवंक लागलो. पूण लोकांची मानसीकताय वेगळी आशिल्ली. जो दोतोर म्हारगी, आनी खूब तरांचीं वखदां दिता तो दोतोर व्हडलो आनी बरो दोतोर. काशी लोकांच्या फायद्याचें चिंतूंक लागलो आनी थंयच ताणें आपल्या वेवसायांत मार खाल्लो.

एका दोतोराचो बापूय जाल्ल्या कारणान शंकराप्पाक आतां चडच नेट आयिल्लो. कांय दिसां आदीं पोंग काडून चलपी शंकराप्पा आतां हड्डें फुडें करून चलूंक लागिल्लो. अशें आसलें तरी पुताक दोतोर करून खोऱ्यांनी पयसो ओडपाचें ताचें सपन शेळेलें. तरी शंकराप्पान धीर सोडलोना. बिमलेश्वराचेर भार घालून तो आपलें जिवीत सारूंक लागलो. आपणें गिरेस्त जावपाचे कितलेय प्रयत्न केले, तरी देवाक जाय तशेंच जातलें, देवाचे इत्सेभायर ह्या संवसारांत कसलेंच पान हालना. 'आले देवाचिया मना तेथे कोणाचे चालेना' हें संत वचन शंकराप्पाच्या मनांत

पक्कें जाल्लें. एकच न्हय, अशीं कितलीशींच संत वचनां शंकराप्पाच्या मनांत घर करून आशिल्लीं. त्या संत वचनांच्या शिकवण्यांनीच शंकराप्पाचें मन थीर आसतालें. ताचे जिणेक बळगें मेळटालें. शांतकाय मेळटाली.

'देव तारी ताका कोण मारी' अशी एक म्हण्णी आसा. मनशांनी मनशाक कितलोय पयस केलो-ताका दुख्ख दिलें तरी बऱ्या मनाच्यांक-संत वृत्तीच्यांक देव पयस करिना. देवाची नदर तांचेर सतत आसता. अशे ना तर तशे तरेन देव बऱ्या मनशांच्या जाल्ल्या लुकसाणेची भरपाय करताच. मनशांनी निर्माण केल्ल्या जातींक लागून शंकराप्पाचें सपन भंगलें. आपणें शेताकुडको विकून पुताक दोतोर करून कसलोच आदाव ना जालो. पुताक दोतोरकी शिकोवन आत्मघात करून घेतिल्ल्याची दुगदूग मनांत आसतनाच एक खोसदिणी गजाल शंकराप्पाले जिणेंत घडली.

शंकराप्पाचो एक पूत दोतोर जाला म्हणपाची गजाल शेटसमाजांत फामाद जाल्ली. एक भाटां-बेसां आशिल्लो घरंदाज शेट शंकराप्पाक सोदीत आयलो. शंकराप्पा गरीब- आपले तोडिचो न्हय- हें जाणां जावनय त्या शाण्या गिरेस्तान, आपली सुंदर आनी सुशील चली दोतोर काशिनाथाक दिवपाचो प्रस्ताव शंकराप्पा फुडें मांडलो. व्हकलेकार वांगडा व्हकलेचो फोटो घेवन आयिल्लोच. शंकराप्पा पारखी आशिल्लो. काशीन फोटवांतल्या चलयेची सुंदरकाय पळयली आनी शंकराप्पान मन. शंकराप्पाक व्हकलेची फामील पळोवपाची गरज पडलिना. शेट फामाद आशिल्लो. सोयरीगत थारपाक कसलीच अडचण पडली ना.

दोतोर काशिनाथ कातीन काळो आनी आंगलटीन जाडो आसलो तरी मनान नितळ आशिल्लो. शंकराप्पान बऱ्या संस्कारांनी घडयल्लो ताका. ताकाच लागून बिमलेश्वरान ही विठ्ठल-रखुमाईची जोडी घडोवपाक हाडिल्ली.

काशीचें लग्न व्हडा दबाज्यान जालें. नवे सुनेच्या रूपान साक्षात लक्ष्मी आपल्या घरांत आयली, अशें शंकराप्पाक दिसलें. सुशील आनी शालीन सुनेच्या तोंडाकडेन पळोवन शंकराप्पालें दुख्ख आनी काळजी खिणांत पयस जाली. पुताक दोतोर केल्ल्याचें फळ आतां शंकराप्पाक मेळिल्लें.

सूख हें मानपाचेर आसता. आपल्या मनासारकें जालेंना जाल्यार तोंड लांबोवन, सुतकी चेऱ्यान रडटल्याक सूख कशें मेळटलें? देवान फाव केल्ले परिस्थितींत सुखा कण वेंचून सूख भोगपी मनीसच खरेल्या अर्थान शाणो आसता. हें शाणेंपण शंकराप्पाक आशिल्लें. ताकाच लागून 'ठेविले अनंते तैसेच राहावे' म्हण आपलें म्हातारपण ताणें प्राप्त परिस्थितीचेर मात करून सुखी करपाचें थारायलें.

शंकराप्पाली सून मुळावीं चार पुस्तकां शिकिल्ली. पूण तिचें व्यक्तिमत्त्व दोतोराची बायल म्हूण मिरोवपासारकें आशिल्लें. तेंच कित्याक, ह्या आदीं असली बायलमनीस शंकराप्पाल्या ना कुळांत जल्माक आयिल्ली, ना सून म्हणून ताच्या घरांत आयिल्ली. घोवाकडेन, मांय-मांवाकडेन, देरां-नण्णांकडेन आनी सोयऱ्याधायऱ्यांकडेन वागपाची कला ती आपल्या कुळाराच्यान शिकून आयिल्ली.

आपलो घोव गरीब आसा आनी आपूण त्या मानान श्रीमंताली धूव म्हण तिणें केन्नाच तोंड वाकडें केलें ना. घोवाली परिस्थिती पळोवन ते प्रमाण वागपाचें थारायलें तिणें. जें कितें मेळटा ताचो सदुपेग करून, काटकसरीन संवसार कसो करचो, हाची देख कोणेंय तिचे कडसून घे सारकी आशिल्ली.

शंकराप्पाल्या घरांत गरिबकायेक लागून केन्ना केन्नाय चिडचीड उप्रासताली. तिचो मार चड करून शंकराप्पाक बसतालो. आपूण संवसार चलोवपाक उणो पडटां आनी ताचो धग आपले घराकान्नीक सोंसचो पडटा, हाचो त्रास शंकराप्पाक जातालो.

पूण आतां संवसाराचो ताबो सुने आपलेकडेन घेतलो आनी मांय-मांवाच्य माथ्यावेलो पेज ल्हव केलो. संवसार बरे तरे चलयतलो जाल्यार खंयच्या मनशाक कश तरेन हाताक धरून तो चलोवंक जाय हाच पुराय म्हायती चलयतल्याक आसची पडटा उर्मिलेक, शंकराप्पाले सुनेक ती आशिल्ली तिणें घरभर मनशांचीं मनां वळखून घेतलीं शंकराप्पा घराचो मुखेली. घराकान्न सोडलं जाल्यार शंकराप्पान 'हर्त' केलें जाल्यार सगळे गप्प बसताले. उर्मिलेन चिंतलें, मांवाक लागी केल्यार सगळेच बाबतींत आपलें काम सोंपें जातलें. मांयकडल्यान आयज मेरेन त्रस्त जाल्ल्या मांवाक थोडी माया दाखयली जाल्यार हेरांक जाग्यार बसोवपाक सोपें जातलें.

आनी जालेंय तशेंच. शंकराप्पाक दिसलें आपली सून मायेस्त आनी कर्तुबी आसा. खांबो जानव तिका तेंको दिवपाची चड गरज आसा. शंकराप्पाली घरकान्न तशी वायट नाशिल्ली. तरी तिका दिसूंक लागलें, आपली सून आपल्या परस इल्ली चडच शाणी आसा. सगळे तिचेंच आयकतात. आपलेकडेन सगळ्यांचें दुर्लक्ष जाता. ती कुरकुरूंक लागली. सुनेन आपले आदेश पाळचेशे दिसूंक लागले तिका. आदेश योग्य आनी फाव तशे आशिल्ले जाल्यार उर्मिला ते मानूंक अनमनचें नाशिल्लें, पूण तर्का भायले आदेश जेन्ना तें पाळूंक तयार जालें ना तेन्ना, मांय-सुनेचें मात्शें मात्शें बिन्नसूंक लागलें. घरांतलें वातावरण तापूंक लागलें. चडशे दादले झगडयां वेळार आपले बायलेवशीं रावतात. तें मागीर बायलेचें चुकू वा सारकें आसूं. पूण हांगा मात शंकराप्पान आपले सुनेचीच कड घेतली. कारण आपले सुनेचेर ताचो पुराय विश्वास आशिल्लो. आपलो हक्काचो घोव आपली कड घेवंक तयार ना तें पळोवन शंकराप्पाली घराकान्न थंड पडली.



दैवज्ञ समाज ओवळ्या-सोवळ्याक चड म्हत्व दिवपी. शंकराप्पाक मात तें मानवनासलें; दिसपट्टें न्हावप-धुवप, जानव्याचो मान बी राखप सगळें जातालें, पूण स्पर्शास्पर्श, भेदाभेद पयस दवरूनच वागतालो शंकराप्पा. पूत दोतोर जाल्या उपरांत तर सगळेंच सोडून दिल्लें शंकराप्पान. दोतोर पुताचो बापूय केन्ना सोवळें न्हेसता खंय?

'विष्णूमय जग वैष्णवांचा धर्म! भेदाभेद भ्रम अमंगळ ।।' ह्या मताप्रमाण वागपी शंकराप्पा. सगळेंच जग, विष्णुमय जाल्यार सगळेच लोक वैष्णव. ताच्या घरांत भेदाभेद आसचो न्हय, अशेंच दिसतालें शंकराप्पाक. एक घरकान्न सोडली जाल्यार सगळीं भुरगींबाळां शंकराप्पाच्या मत्ताचीं! आपल्या घोवान आनी भुरग्यांनी भायल्या जातीच्या लोकांवांगडा जेवणापंगतीक बसचें न्हय, अशें शंकरप्पाले घरकान्नीक दिसतालें. शंकराप्पालें विष्णुमय जग ताच्या घरकान्नीच्या तकलेंत भरनासलें. असल्या वेळार तो तिका समजायतालो. पाटार बसून जेवता तो हिन्दू, मेजार बसता तो किरिस्तांव. आपल्या पुत्राले आमीग जेवणाक येतात तेन्ना तांकां मेजार बसोवप. तांच्या खातीर एक मेज तयार केल्लें. ह्या मेजाचेर पयलीं-पयलीं दोतोर आनी ताचे इश्ट बसताले. करतां करतां शंकराप्पाय तांच्या वांगडा बसूंक लागलो. दोतोराचो बापूय न्हय तर तो! शंकराप्पा मेजार बसता तें पळोवन आतां घरभर मनशां मेजार बसून जेवंक लागलीं.

अशे तरेन शंकराप्पाल्या आशिर्वादान ताची सगली फामील सुदारीक जाली. घरांतले पोरणे विचार फाटीं पडून नव्या विचारांचें वारें घरभर घोळूंक लागलें. शंकराप्पाचो अध्यात्म आनी दोतोर काशिनाथाली पश्चिमी विचारांकडेन आशिल्ली ओड! कसल्याच वितंडवादाक थारो नासतना मेळत ते वेळार चर्चेक ओतो येतालो. अमूकच विशय म्हूण नासतालो चर्चेक. शंकराप्पा संतवाङ्मयाचो अभ्यासक आनी दोतोर काशिनाथ भारतांत जावन गेल्ल्या वीर सावरकर- आगरकर, डॉ. आंबेडकर, ज्योतीबा फुले ह्या सारक्या विचारवंतांचो पाखो घेवन उलोवपी. मतां कितलींय भिन्न आसलीं तरी, दुसऱ्याल्या मताचो मान राखपाचें भान शंकराप्पाक आसतालें. आपल्या मताक तेंको मेळना तें पळोवन शंकराप्पा वाजेतालो. रागान तांबडो जातालो, पूण रोकडोच बिमलेश्वराचें नामस्मरण करून आपलें चित्त शांत करतालो.

शंकराप्पा गरिबकायेन जगत आयिल्लो गिरेस्त. असल्या गिरेस्तांक गोंयांत 'पोब्र फिदाल्ग' म्हणपाची चाल आसा. हे गिरेस्त गरीब आसूं, प्राप्त परिस्थितींत आनंदमय जिवीत जगपाचो प्रयत्न आसता तांचो. शंकराप्पाय तांतलोच एक!

शंकराप्पा आतां फाटलें दुख्ख विसरून गेल्लो. खोऱ्यानी पयसो ओडपाची आसूय ताणें सोडून दिल्ली. कारण ताका आतां कळिल्लें मनशाक पयशांची कितलीय गरज आसली, तरी पयशे हो मनशाक सूख दिवपाचो एकमेव मार्ग न्हय! आपलो पूत जें कितें कमायता, ताचेर समाधानान जगपाचो शंकराप्पान निश्चेव केलो.

शंकराप्पाल्या घरांत आतां मेकळें वारें घोळूंक लागिल्लें. घरांतल्या हेर सुनो आनी धुवो आतां मेकळेपणान वावरूंक लागिल्ल्यो. दोतोराचे बायलेची उर्मिलेची-करामत आशिल्ली ती. हे आदीं बायलांचेर-चलयांचेर शंकराप्पाल्या घरकान्नीचो वचक आशिल्लो. आतां तांचेर उर्मिलेचो प्रभाव पडिल्लो. शंकराप्पाल्या तेंक्यानच घरांतल्या बायलांक मेकळेपण मेळिल्लें.

शंकराप्पाक इस्पिकांनी खेळपाची चड उमेद. तांतले तातूंत फोर हो खेळ ताका मानवतालो. आदींपसून आपल्या पुतांवांगडा फोर खेळटालो. फोर खेळपी कोणच मेळ्ळोना जाल्यार पोरांट्यांक आपोवन बुर्र खेळचें ताणें. कोणेंय चिटिंग केल्यार रागान पाडसभर उसळपाक तो फाटीं सरनासलो. ताणें फटिंगपणा केलीं, आनी ताका कोणेंय पकडलो, तर ताणें ह-ह-ह- करून हांसचो आनी हातांतलीं पानां जमनीर आपटुचीं आनी सट् करून उठून पासयो मारच्यो.

भुरगीं शाळेक वतालीं. जाण्टे कामाक वताले. शंकराप्पा एकटोच घरा आसतालो. सून रांदचे कुडींत कामांत गुंतून आसताली. मदेंच शंकराप्पाक इस्पीक खेळपाची कूय मारताली. आपल्या वांगडा खेळपाक कोण ना तें पळोवन ताणें मोट्यान आड्डेवंचें-

''उर्मिले, इस्पीक''

''बाबा, हांव कामांत आसां. शीत वाळून रोकडींच येतां.''

''येतना एक कप कडकशी च्या घेवन यो.''

''हां बाबा! दोन मिनटांत आयलीं.'' सगळें काम सोडून उर्मिला आपल्या मांवां म्हऱ्यांत आयली. शंकराप्पा खूश!

उर्मिला इस्पिकांनी खेळपाक कापाझ. बुर्र, कोट आनी ३०४ (फोर) ह्याय खेळांत प्रवीण आसली ती. पूण शंकराप्पा वांगडा खेळटना मुजरत हरताली. तिचें हें हरप शंकराप्पाक खूश करपाक आसतालें.

दोतोरकी जाली तरी तो वेवसाय आशिल्लो. खंयच्याय वेवसायाकडेन वेव्हाराची सांगड घाल्याबगर तो नीट चलना. आनी दोतोर काशिनाथ रिवणकार तर वेव्हारशुन्य. मात्सो धांदरट, भोळो आनी खुशालचेंडू. ताच्या ह्या गुणांक लागून तो खयंच्या एका गांवांत तिगलो ना. ताका पेशंट मेळटाले तेय कफल्लक. पेशंटाक तपासल्या उपरांत पयशांखातीर हात फांफडप दोतोर काशिनाथाक केन्नाच जमलेंना. दिल्ल्या वखदांचे पयशे लेगीत वसूल करप जमनाशिल्लें ताका. बायलेच्या लक्षांत जेन्ना हें आयलें तेन्ना तिणें आपल्या घोवाक चार वेव्हाराच्यो गजाली सांगल्यो. पूण उमथ्या कळशार उदक! संवसार चलयतना उर्मिलेचो घुस्मटमार जातालो. तरी ती कोणाकडेन कागाळ करी नासली.

एकदीस वर्तमानपत्रांत जायरात छापून आयली. सरकाराक ग्रामीण भागांत 'देलेगाद दे साऊद' जाय आसले. उर्मिलेने आपल्या घोवाक प्रॅक्टीस सोडून सरकारी नोकरी धरूंक लायली. पुताले सरकारी नोकरेन शंकराप्पा खूश जालो. घरांत आतां म्हयनो जातकच नेमान पयसो येवंक लागलो. तोय आदले परस दुप्पट-तिप्पट. शंकराप्पाक दिसलें, ही बिमलेश्वराची कृपा. आपणें शेता कुडको विकून कांय वायट केलें ना. आतां इतले, मागीर पेन्शन. काशीचेंय बरें जालें आनी काशी आपल्या भाव-भयणांकय पयस करचो ना. आतां अपूण दोळे मिटपाक मेकळों!

काशीन आपल्या बापायच्या मनांतलें दुख्ख वळखलें. बापायन आपल्या वाडवडलांचें शेत विकून आपल्याक दोतोर केलो. आपूण सुखी जालों. आतां आपल्या भावंडाचें कितें?

तांकां निश्चीतच दिसतलें, बाबान शेत विकून काशीक दोतोर केलो. आमचो विचार केलो ना. शंकराप्पा आनी काशीकय ह्या सताची खंत भोगताली. पूण ते उक्तेपणान उलोवन दाखय नासले.

एक दीस शंकराप्पा चिंतीत बशिल्लो आसतना काशीन म्हळे- ''बाबा, हांव जाणां, तुवें म्हज्याखातीर खूब कितें केलें. म्हाका भर घेवन शिकयलो- दोतोर केलो. तुवें शेत विकूंक नासलें जाल्यार तें सगळ्यांचें आसतलें आशिल्लें. ताचेर सगळ्यांचो अधिकार आसतलो आशिल्लो.''

''तुका ताची जाणविकाय आसा मरे? जालें तर! फुडें तांकांय वळून पळय म्हणचे जालें.''

आनी शंकराप्पान एकदीस बिमलेश्वराचें नामस्मरण करतां- करतांच सुखान जी सोडलो.

आजय शंकराप्पा मरून कितलीं वस जालीं हाचो म्हजेकडेन हिशोब ना. हाल काशीय निवृत्त जावन सोंपलो. पूण ताप फाटल्यान चार दोतोर करून सोडले. काशील चारय भुरगीं दोतोर. हे दोतोर शंकराप्पा मरचे आदीं जाल्ले जाल्यार तो ताचें श्रेय बिमलेश्वराक दितलो आशिल्लो. पूण हांव मात तें शंकराप्पाले सुनेक- उर्मिलेक दितां. ती सोडून आनी कोणय आशिल्ली जाल्यार आपल्या चारय भुरग्यांक दोतोर करूंक शकची नासली.

शंकराप्पा आयज ना. पूण खोऱ्यांनी दुडू ओडपाचें ताचें सपन ताचीं नातरां पुराय करतात. तांचेकडेन धा शेतां घेवपाची तांक आसा. पूण तीं जाय कोणाक?

- नं. ध. बोरकार
मास्कारेन्हस वाडो,
व्हडलें - गोंय
फोन : २२१८१४७

HLN PRINT & PACKAGING
Speciality Print Packaging for Farma Induatry
DIVISION
OF
H. L. NATHURMAL
MINING - PHARMA -TRADING - FINANCE
301 - 305 RIZVI CHAMBERS,
THIRD FLOOR
CAITANO ALBUQUERQUE ROAD,
PANAJI - GOA.
PH. : 2423218-19
FAX. : 2423220

तूंच शांता, तूंच दुर्गा
तूंच जगयता जीण
तूंच माता, तूंच देवता
तूंच सोडयता वीण
शांतादुर्गेनंदय शांती
जावन दुर्गा पयसाय अशांती
हीच मागणी तुजे लागी
हीसरात आनी दर खीण

श्री शांतादुर्गा रथोत्सवाचीं परबीं
(२० जानेवारी, माघ शुध्द पंचमी)

सुफला रुद्राजी गायतोंडे
मिरामार - पणजी

Available Single & Double Bedroom Flats & Ready Possession Row Houses

RAJ BRAGANCA RESIDENCY, BEHIND XAVIERS COLLEGE, ALTINO, MAPUSA, GOA.

Swapnil: 9923272633 Site off. No.: 0832-2475183

RAJ GROUP

Raj Housing Development Pvt. Ltd.

S1- Pai house, above The Goa Urban Co.op. Bank, Sadar, Ponda, Goa - 403 401. Ph: 0832- 2312072 / 2314647

website: www.rajhousinggoa.com email: info@rajhousinggoa.com

सागराचें पाणी लेगीत हाली चडूच खुबळटा
वेळेवयलें संगीत आयकून ल्हारां वयर उसळटात ।।२१।।

दनपार कडार दरया वेळेर रेंव जाता हुनहुनीत
तेच रेंवेंत सांजच्या वेळार हिप्पी न्हिदतात गुळगुळीत ।।२२।।

सुर्या बाबडो सगळो खेळ दोळे उगडून पळयता
फाटल्या युगा याद करून दर्यांत दुकां गळयता ।।२३।।

वेळेवयलो आनंद घेवंक दर्या येवंक सोदता वयर
आसलो तसो फाटी सरता वेळेवयलो पळोवन कोयर ।।२४।।

पाट्र्यो बिट्र्यो करतात आनी थंयच उडयतात कोयर
ल्हारां वांगडा तोच कोयर परतून येता वयर ।।२५।।

तेंच उदक न्हातात आनी थंयच करतात संडास
वेळेर चलल्यार पांयांक लागतात हाडां आनी मांस ।।२६।।

बायले भुरग्यांक घेवन येतात तोंडभर करतात तोखणाय
सुंदर दिसता म्हणून लेगीत राखून दवरनात सुरूपाय ।।२७।।

व्हडल्यो व्हडल्यो बोटी घेवन मनीस भोंवता दर्यार
दर्यान जमनीर आयल्यार ताचेर मनीस जाता रागार ।।२८।।

जमीन धरून दर्यांत लेगीत मनशान संवसार वाडयले
फातर माती बुडयले आनी उदका जागे आडयले ।।२९।।

आमी आतां खंय वचचें? रागान म्हणटा पाणी
देखून मनशाक भेंकडावपाक जाता सुनामी ।।३०।।

सागर म्हणटा खाल्ला तितलोय जागो म्हजो दियात
नातर तुमचे संवसार घेवन म्हज्या पोटांत रिगात ।।३१।।

आक्रमण मनशाचें चालूच आसा दीस म्हणना रात
दुसऱ्या दुःखा परवा करना अशी मनशा जात ।।३२।।

– भरत नायक
रेगो बाग, आल्तो सांताक्रूज
फोन : ९४२३८८३०८१



भरत - पुराण

दर्या वेळेर रचलीं तुमी कितलींय जरी सपनां
तिडकी मुखार ताच्या तुमचें कसलेंच शाणपण चलना ।।३३।।

कॉंक्रिटाचीं घरां तुमी कितलींय बांदात दाट
तो जाणा आपली कशी सोदून काडची वाट ।।३४।।

समजूंक मात्शी कठीण मनशा दर्या उदका भास
सांगू नज केन्ना तुमच्या गळ्याक घालीत पास ।।३५।।

बरेपणान वापरतल्याक वापरूंक दिवपी फाट
बेयमानपणा केल्यार मनशा दर्या रागाक वायट ।।३६।।

काडून घेतल्याक जायतें भरलां पोटांत ताच्या भांडार
सुवात ताची बळकावन बसल्यार अशें घेतलो तोंडार ।।३७।।

लुटून व्हरात धन नातर करात अमृत मंथन
ताच्या पोटार पोट भरतल्यांक कसलेंच ना रे बंधन ।।३८।।

निर्धनांक दिता धन आनी राजाक करता रंक
जाय तितले ताचे वेळेर मर्यादेन जायात दंग ।।३९।।

मनीसूच ओडून हाडटा आपूण आपणालें मरण
आपलोच खणटा फोंड आनी आपलेंच मांडटा सरण ।।४०।।

दोन कविता : वसंत आबाजी डहाकेच्यो

विशेषणां

कमळां फुललीं. काळीं कमळां फुललीं.
घोडो धावलो. काळो घोडो धावलो.
चार घोडे रथाक जोडले.
चार काळे घोडे काळ्या रथाक जोडले.
हांवें हजार कमळां देवाक ओपलीं.
हांवें हजार काळीं कमळां काळ्या देवाक ओपलीं.

दीस मावळलो.
काळो दीस मावळलो?

तूं एकटी ना

चंद्र
म्हाका हांगा पळयता
तुका थंय पळयता आसतलो
तूं एकटी ना
अशें म्हाका म्हणपाचें आसा

कोंकणी अणकार :
एस. डी. तेंडुलकार

(वसंत आबाजी डहाके हांकां २००९चो केंद्रीय साहित्य अकादमीचो पुरस्कार फावो जाला.)

निव
पाऊस



सुकिल्ले रिफिल मोडकुरे बॉलपेना मधी
खंय गेल्लें तें मगलें मोगाचें इंक पेन
आनि टॉप काढतानाचें ताज्जें
गोड करकर आवाज

हाताच्या बोटाक पुरा परमळी नीळें
सुतैयल्ले सान कागद सुध्दा ओले
खंय पडलें तें पेन स्कुला वाटेरी
नीब्बाचें तोंड सकैल करून

शेजारच्या बागेच्या जांबा रुका सकैल
तीनसांजे वेळार नीब्बा डोळ्यांत नीळो उजवाड
सीधा धरल्यार सम बरैयता
मातशें आड धरल्यारि कर्कश करकरता
उल्टा धरल्यार बस्
उपरारि जर्ल्या वरि वळवळता

प्रति सकाळी थंड किनाऱ्या वाऱ्यांत
खिडकिलागी उभे रावून न टाळयता
तांतू शाई भरचें नाजूक काम
संपत आयले की फाफूडचें पडता
आनि तेन्ना कागदावैर नीळो पाऊस

होडी सुध्दा पांय दवरच्याक भिता –
असलो पावसाळीचो तांबडो समुद्र...
श्रावण महिन्याचो पाचवो पागोर....
पाचवीं काकणां घातलेली बाय....
गटारांत धारावाही थंड थंड चा
सिव्हिल आस्पत्रीच्यान डिसचार्ज घेऊन
तिन कट्ट्यालागी बसाची वाट पळैणारी
बाळंतीले मांडयेर कुशीत न्हिदिल्ल्या बाळाचे
अलौकिक हाम....

हें सगळें मेळ्ळून पानापानाथावून
डोळ्याडोळ्याथावून देविल्ली अमृतवाहिनी शाई
गेली खंय
शाईखताचें लहान नीळे बोटान
कालवून कालवून पेज जेवताना
पेज्जी निवळ्ळात शिरिल्ली शाई
आमगेल्या रक्तांत खंयपर्यंत येतली
आमका खंय पर्यंत राखतली !



– जयंत कायकिणी
बंगळुरू

मनसंवेदना

। चार कविता ।

नरेंद्र बोडके हांच्यो

किडो

'तूं किडे पडून मरतलंय',
तिणें म्हाका म्हटलें
साप दिल्ल्यावरी
हांव हांसलों:
पिशी-
किडे पडपाचो भंय
किड्याक घालताय?

हांव हासलों
आनी लुचत रावलों
तिजें रगत.

खेळ

केन्ना केन्ना हांव जिखतां
केन्ना केन्ना हरतां
हो खेळ जाणें सुरू केलो
ताका सोदतां.

तो म्हज्या वेंगेत येना
तेन्ना हांव म्हण्टां तो नाच्च
नाच नाच म्हणून नाचताना
हांव जातां मोर
पिसारो फुलयतां
हजार दोळ्यांनी स्वतःकडेन पळैतां.

शेत

कालच्या रोप्यांक
हांव आयज सारें घालतां
हांव शेत रोयतां...

कवी

वण्टींतल्या फास्कीतल्यान
कवी पळैता
ताजे जल्मशतीक आयिल्ले लोक
जेवणाचे लायनीत उबे;
सुंगटां घालून केला बरो बिमलांचो रोस?
कवी विचारता
आर्ट अॅण्ड कल्चरच्या डायरेक्टराक:
तो बाबडो नर्व्हस
ताका दिसता - केन्ना केन्ना जांवय
ज्यूस्त सासऱ्याभशेन उलयता जावंये.
कवी लायनीन आपुणूय उबो रावता
सोदीत माग्दालीन खंय दिसता काय म्हणून
लायनीन निम्माणी
एक जाण्टेली...
डायरेक्टर तिजेर धेंगसो घालूंक
कवी तिका पळैता:
रॉबिन रॉबिन रेड ब्रेस्ट, ओ रॉबिन डीअर
कवी गायत रावता
डायरेक्टर काचाबूल जावन
सीएमाक मोबाईल करता
सर, कार्यावळ बेस बरी जाली
जेवण सुरबूस चल्लां:..

मनसंवेदना

येवकार

काट्यांतली वाट ती
फुलांनी सोंपतली
काटे माड्डयत हांव
फुलां तुका दितलीं
फकत तुजी नदर
म्हज्या खातीर दवर
कांय खीण उगडासाचे
अशेच भरून घेवया
तूं म्हज्या खातीर
हांव तुज्या खातीर
जिणेक येवकार दिवया

– शोभा शिवा फुलकार
किरला वाडो,
मारुती देवळा फाटल्यान,
चिंबला, गोंय

जीण

जीण म्हजी फुलावरी
सूर्या सांगातान फुलपाची
देवान दिल्लो कोर चडोवन
सूर्या किरणांनी रंगपाची
वाऱ्या सांगातान धोलतना
भोवऱ्या जाळ्यांत शेणटना
स्वताकूच विसरपाचें
अस्तित्व म्हजें फुलावरी
सूर्या सांगातान अस्तंपाचें

– हेतल सुभाष शाह
शांताबन कॉलनी,
मेरशी – गोंय.

प्रतिबिंब

संस्काराच्या हुंबऱ्या भितर
जुवानपणाचें वजें
कितले दीस जपत रावपाचें?
मनांतल्यो संवेदना
बंदखणींत घालून
कितले दीस जगपाचें?
अस्वस्तेभितर
मन आत्मकेंद्रीत करून
सत्त्याचो सोद
घेतांघेतां मनशाचें
मनिसपण गुरफटत वता...
अनैतिक चक्रव्यूहात
जुवानपणाचें
समाजान आडनदरेन
तळिल्लें प्रतिबिंब....

– श्रीनिशा नायक
बेतकी – खंडोळा

आस

जिवीत मनशाचें अप्रुपाचें
कश्ट करून जियेवपाचें
कश्टांची जीण भांगराची
देवाच्या आशिर्वादान भरपाची
जिवितांत दवरल्यार चड आस,
इश्टगतीच्या नात्याक लायता फास
कश्टांनी घेतिल्लो अन्नाचो घास
जिवितांत भरता खुशालकायेचो वास
मनशान धरचो एकच ध्यास
सोडून जिवितांतली चड आस
आस इबाडटा मनशाचें कर्तुब
आनी दाखयता ताचें इबाडिल्लें रूप
सोड मनशा जिवितांतली आस
आनी घडय तुजें जिवीत खास

– शैला (तरूलता) श. धुमटकार
कलानिकेतन,
दादा वैद्य रोड,
सांत इनेज, पणजी.

सांग कशें

मळबांतल्यान वा वाऱ्यांतल्यान
ह्या दर्याच्या ल्हारांतल्यान
खंयच्यान आयलें तूं ?
सांग कशें म्हज्या मनांच्या
आंगणांत पावलें तूं?

वोंठार तुज्या हाशें
फुलान फुलचें तशें
तुज्या रुपाचें चान्नें
लायता म्हाका पिशें
असो फुलांचो चंवर घेवन
चान्न्याचो हो शिंवर घेवन
अचकीत म्हज्या सपनांच्या
वाटेर पावलें तू....

तुजी भुलयता ओड
आनी जीणच जाली गोड
म्हज्या जीवाच्या उल्याक दी गो
तुज्या उल्याची जोड
सपनाक दिवन अर्थ नवो
जिणेंक दिवंक वर्ख नवो
नव्या सुखाचें गुपीत घेवन
काळजांत पावलें तूं....

कृष्णा तूं धांव

उतरांनीं बांदूंक येना
मन वाऱ्यार घालूंक येना
आसून नासून सारकेंच
हे काळजांतले भाव

खिणाखिणांत गुंथलीं जरी
हावेसाचीं फुलां
जीण जपता तुटिल्ल्या
सपनांची माव

आलतड तर सोडल्या
पलतडय दिसना
आत्म्याची लज राखूंक
कृष्णा तूं धांव

काळजाच्या दवरण्यार

काळजाच्या दवरण्यार
कितलीं हीं वर्जीं
दुसऱ्यांचींच चड
एक दोनच म्हजीं

एकेका पोटलेंत
कितली पिडा, कितलीं दुखां
ल्हान ल्हान इत्सांचीं
गळूंक लागल्यांत पाखां

मनच मोडूंक पावलां
आतां खंयची लावं धिगी
खंयचें सपन खंयची आशा
ओडून घेवं लागीं

वाडत आसा तरीय कशी
म्हणूं वर्जीं जड
इतलेंच मागतां जावं दी म्हजें
मन खोल काळीज व्हड



कपड्यांचो खेळ

पाकळ्यांनी घाले घाय
सांगलें नांव फातराचें
उरले नांत काय खंयच
कोणूच खऱ्या उतराचे

भर दिसाउजवाडांत
काळोख रूख मनांत रूज
शांत शितळ मुखा आड
कोण जाणा कसलो उजो

व्हावता न्हंय उपाट भरून
मोडून शिमो हुपून देगो
घसघश्यांनीं ओतता पावस
ताच्या जिवार घेता मिरोवन

रुपड्यांचोच खेळ असो
हांगा थंय चल्ला
सत्य नांवाचें अर्भक
अनाथ जावन उरलां

मोनेळ

मोनेळ
एक अथांग गूढ डोह
खोल खोल तळांत
कितें लिपलां
सांगूंक नज

मोनेळ
एक तळप
तुटपाचो फुटपाचो
हावेस शेणिल्ले
विरगळपाची इत्सा सोपिल्ले

मोनेळ
सपनांच्या झुंबराचे
कुडकेच .. कुडके
तीक्ष्ण, तोंकाळ
रोमपी विखार

मोनेळ
ल्हवू ल्हवू वाडत वचपी
उण्या दाबाचो पट्टो
उटंगार पावसाची शक्यताय
वादळा आदींची खर शांतताय

– राधा भावे
पणजी – गोंय.

मोलाचणी

रोमा लाड हांच्यो कविता : एक भाश्य

– एस. डी. तेंडुलकार

'बिम्बा'च्या डिसेंबर अंकांत 'काव्योत्सव' ह्या सदरांत नवोदीत कवयित्री रोमा लाड हांगेल्यो तीन कविता प्रसिध्द जाल्यात, तांचेरूय हांवेंच भाश्य करचें अशें संपादक दिलीप बोरकार हांणी सुचयलां.

कवयित्रीच्या कवितांकडेन वळच्या आदीं हांव म्हजो पर्सनल अणभव हांगा कवयित्रीकडेन आनी समेस्त वाचकांकडेन शेअर करूंक सोदतां.

हांव तेन्ना पंद्रा-सोळा वर्सांचो नवोदीत कवी आशिल्लों. कविता वाचनांत-लेखनांत हांव सामको भारावन गेल्लों. अशा वेळार एक दीस बापायन म्हाका शंबर रुपयांची नोट दिवन कितेंतरी हाडपाक पसऱ्यार धाडलो. पसऱ्यार वतना ती शंबर रुपयांची नोट खंयतरी शेणली. कारण हांव सदाकदा कवितेचे तंद्रेंतूच आसतालों. ती नोट शेणनाफुडें म्हजे पांय एकदम जमनीक तेकले. म्हाका खर वास्तवाची जाणविकाय जाली. नोट शेणली हें कळनाफुडें म्हजो बापूय रागान तांबडो जालो आनी ताणें म्हजो मेजार आशिल्लो कवितेचो कादेर्न पिंदून तिस्त्यो तिस्त्यो केल्यो. म्हज्यो तेन्नाच्यो सगल्यो कविता पिंदून भायर मारल्यो आनी म्हज्या वांगडा म्हज्या कवितेचोय धिक्कार केलो. तेन्ना ही गजाल मनाक खुबूच लागिल्ली. पूण आतां दिसता बापायन म्हज्यो कविता पिंदून उडयल्यो त्यो बऱ्याकूच. कारण त्यो तेन्नाच्यो कविता पिंदपाचेच लायकीच्यो आशिल्ल्यो.

आतां तर केन्नां-केन्नां हांवूच म्हज्यो कविता पिंदून भायर मारतां. बरो कवी जावंक सोदता जाल्यार त्या कवीक आपली स्वताचीच कविता पिंदून भायर मारपाची शक्त येवंक जाय. तेन्नाच तो अस्सल कविता बरोवंक पावतलो. 'मेळचे ना' हे कवितेंत कवयित्री रोमा लाड हांणी स्वताच म्हळां की, – सोपेपणान कांयच मेळचें ना?

'मेळचें ना', 'तुजें-म्हजें' आनी 'चान्न्या राती' ह्यो कवयित्रीच्यो तीन कविता आज म्हजे फुड्यांत आसात. तांची 'चान्न्या राती' ही कविता वाचून म्हाका माधवी सरदेसाय हांची एक कविता उगडास जाली. सद्या माधवीक कोण कवयित्री म्हूण वळखना. संपादक आनी भाशाशास्त्रज्ञ हीच आज तांची वळख. पूण सुरवातीच्या काळांत ताणें कांय कविताय बरयल्यो. तातूंत 'हांव बाये मिठाकणी, दर्याक मेळूंक गेली आनी दर्यायेदी जाली' – अशा आशयाची ताणें एक ल्हान दोन-तीन वळिंची कविता बरयल्ली. (मूळ टेक्स्ट म्हाका आतां नीट याद जायना). पूण त्या दोन-तीन वळींतूच एक मोटो आशय माधवीन बेसबरो सांगिल्लो. उलट होच आशय सांगपाक कवयित्री रोमा लाड हांणी चवदा वळी घेतल्यात. लाड हांची ती कविताच पळयात :

मिठा कणी जावन
गेलें हांव दर्या सरीं
अचळय म्हाका चिमटेंत धरून
बेगीबेगीन घेतलें कुशींत
ल्हारांचें दिवन उशें
वाऱ्याचीं पांगरूणां घालीं
नखेत्रांची भांगरा बावली
करूंक लागली खातखुतली
कितें वयर पळयल्यारी?
म्होवेंलें चान्ने चोखून
कुपांतल्यान उडी मारीत
चंद्रीम सरतलो म्हजेसरी
जालें हांव दर्यायेदी
न्हिदिल्ले कडेन चान्न्या राती

आतां हे कवितेंत कितें दिसता? तर माधवीच्याच कवितेचो, तांतल्या आशयाचो कवयित्री लाड हांणी आपले परीन कल्पनारम्य

'विस्तार' केला. तो करताना ताणी अलंकारीक प्रतिमाय वापरल्यात. देखीक, ल्हारांचें उशें, वाऱ्याचीं पांगरुणां, नखेत्रांची भांगरा बावली, म्होवेलें चान्नें बीन. पूण हो सगलो कल्पनाविस्तार, प्रतिमा, मूळ आशयाचो व्हडलोसो 'विकास' करिना. कवितेंत आशयाचो 'विकास' म्हत्वाचो आसता बेठो 'विस्तार' न्हय.

'तुजें-म्हजें' ही कवयित्रीची एक प्रेमकविता. तातूंत कवयित्रीन कांय 'कॅची' वळी बरयल्यात. देखीक,

तुजी जीण
म्हजी जीण
जिणे जिणेंत
म्होवाळ खीण
वा
तुजें मन
म्हजें मन
मनामनांत
पांचवें तण

पूण ही संबंद कविता वाचली की तो एक उतरांचो खेळसो दिसता. आशयाचो विकास करिनासतना तोच-तोच आशय वेगवेगळ्या उतरांनी परत-परत सांगप, म्हळ्यारूच आशयाचो फकत विस्तार करप हेंच हांगा घडलां. फकत तातुंतल्यो ह्यो सकयल दिल्ल्यो वळीच ताका आडवाद थरूं येतात :

तुजीं सवंगां
म्हजीं सवंगा
न्हिदेचीं, जागेचीं
सुंदर सवंगां
सवंगांचीच
सवंय जाल्या
किंवा
तुजें हाशें
म्हजें हाशें
हाशाहाशार
फुलत रावला
तुजें म्हजें
म्हजें तुजें

– अश्यो वळी कवितेंत मदींच खंयतरी किल्लतात पूण फुडें त्या आशयाचो नीट विकास जायना.

'मेळचे ना' ही तांची कविता ह्या दोनाय कवितांपरस रचनेंत आनी ट्रीटमेंटांत वेगळी पूण बरीच बेसूर. कारण आशय मांडटना कवयित्री बरीच गोंदळात पडल्या अशें दिसता. एकीकडे ही सामाजिक जाणविकायेची कविता आशिल्ल्यावरी दिसता. पूण ना. हेंवूय एक प्रेमकाव्यूच. पूण सामकें बेसूर, बेताल बरयल्लें :

तुजेविणे कठीण जिणें
जालें हांव सैर भैर
मन जालें जागें पळय
जैत रोकडेंच मेळचें ना
जैत रोकडेंच मेळचें ना

– हातूंत 'मन जालें जागें पळय' ह्या वळीचें प्रयोजन कितें? काय कवयित्रीच्या उतरांच्या लाडांतल्यान ती वळ आयल्या?

उतरांक ताल आसता, लय आसता, वजन आसता, आशय आसता; तांचेर प्रभूत्व मेळोवंक जाय. उतरां कवीच्या रोमारोमांत भिनूंक जाय. तीं भिनल्या उपरांत कवीक उतरांचे लाड करपाची आनीक गरज उरना, हें कवयित्री रोमा लाड हांणी नीट मतींत दवरपाची गरज आसा.

कवितेंत उतरांची ताकद कितें आसता हाची देख दिवपाक हांव हांगा एकूच उदाहरण दितां. बाळकृष्णजी कानोळकार हांची 'माजी आई' ह्या नांवाची पेडणेच्या कोंकणींत बरयल्ली एक सुंदर कविता आसा. ('आदिमायेचे उले' ह्या संग्रहात ती वाचूंक मेळटा). तातुंतल्यो ह्यो सुर्वेच्यो वळी पळयात:

गुप्प काळखांत चलान गेली
मुक्या-मोनयां बोलान गेली
भल्ल्या घरांतसून उठान गेली
चिटीमिटी करून गेली
जीव माजो. मा ऽ जी आई ।।

– हातूंत लय, नाद आनी आशय पळयात. तो इतलो एकजीव जाला की आवय मरपाचें दुख्ख कवीबरोबरूच रसिकांच्याय काळजाक भिडटा. 'गुप्प काळखांत', 'मुक्या मोनयां', 'भल्ल्या घरांतसून' हीं उतरां आशयाची फाटभूंय तयार करताच. पूण 'चलान', 'बोलान', 'उठान' हे क्रियेंतल्यान आवयच्या मरणाची प्रक्रियाच खरें म्हळ्यार कवी व्यक्त करता आनी 'चिटीमिटी करून गेली / जीव माजो' अशें म्हणून आपल्या दुख्खाक एका क्लायमॅक्सार व्हरून दवरता.

चिटीमिटी करून गेली
जीव माजो. मा ऽ जी आई

– हांगा 'माजी' हें उतर 'मा ऽ जी' अशें दीर्घ 'आ'कारांत बरयलां तातुंतल्यान आवयखातीर फुटलेलो हंबरडोच हांगा सुचीत जाला. तशेंच 'जीव माजो. मा ऽ जी आई' हीं उतरां कवीन एकेच वळींत बसयल्यांत. त्याखातीर 'कवीची आईच कवीचो जीव आशिल्लो' असोय आशय हांगा ध्वनित जावन वता. सादेपणान बरोवन कवितेंत चिरेबंदी रचना कशी करप, आशयाचीं वेगवेगळीं आवर्तनां कशीं निर्माण करप हें कानोळकरांच्या वयर दिल्ल्या कवितेच्या कडव्यांतल्यान शिकपासारकें आसा. (ही सबंद कविताच वाचपासारकी आसा.)

आनी कितें बरोवं? इतलें भाश्य पुरो!

भुरवयांचें आंगाण

कोगळ

वसंत रूतू लागीं पावला. वसंत म्हणलो की आमच्या दोळ्यां मुखार कोगूळ येता आनी ताचो गोड आनी म्होंवाळ आवाज आमचे कान तृप्त करता. हेर सगळ्या सवण्यां परस कोगळाचो आवाज इतलो गोड कसो हें तुमकां खबर आसा? श्रावण म्हयनो सुरू आसलो. भांगराकोराच्या वतांत पाचवेंच रान सुसेगाद लोळटालें. मोर पिसारो फुलोवन नाचतालो. सोंशे धरच्यांनी खेळटाले. माकड लिपच्यांनी खेळटना ह्या झाडा वेल्यान त्या झाडार उडयो मारताले. फकत बाबडें कोगूळ मात पानां फाटल्यान ओग्गी बशिल्लें. ताचे कडेन पळोवन किरान म्हणलें, 'काळुबाय, अशें कशें काळें गो तूं? नाजाल्यार आमकां पळय. आमचें आंग पाचवेंच आनी चोंच तांबडीच.' किराचें उलोवणें आयकून आंब्या झाडार बशिल्लीं सवणीं किटकिटून हांसलीं. तांचें तें कुचित्री हांसप पळोवन कोगळाक वायट दिसलें आनी रागूय आयलो. म्हणूंक लागलें, 'सगळेच म्हजीं फकांडां मारतात. म्हाका जिणें नाका करून सोडटात. हांगा आतां खिणभर लेगीत रावप ना.' अशें म्हणून तें थंयच्यान उडून गेलें.

कितलींशींच रानां फाटीं पडलीं तरी तें रावलें ना. खूब पयस वतकच ताका पुरो जालें. तें एका झाडार विसावलें. इतल्यांत ताका कोणाचो तरी गोड आवाज आयकूंक आयलो. 'वा! कितलो गोड आनी म्होंवाळ आवाज. कोणाचो आसतालो काय?' आवाजाची सुलूस घेवन तें मुखार वचत रावलें. पळयल्यार कितें! एक सुंदर राजकुंवरी राजवाड्याचे गॅलरींत बसून पद म्हणटाली. राजकुंवरीचो आवाज तिच्या रूपा सारकोच सुंदर आसलो. कोगळाक त्या आवाजान पिशें लायलें. राजकुंवरी सगळें कितें विसरून गायताली आनी कोगूळ थंय बसून आयकतालें.

अशें सदांच घडूंक लागलें. एक दीस कोगूळ सदचे भाशेन आयलें, पूण राजकुंवरीचो आवाज ताच्या कानार पडलो ना. ताका अजाप जालें. राजकुंवरीक कितें जालें काय? पळोवया तरी अशें म्हणून कोगूळ सगल्यांची नदर चुकोवन राजवाड्यांत गेलें. राजकुंवरी गादयेर न्हिदिल्ली.

राजकुंवरीक आंबो खावपाची इत्सा जाल्या आनी आंबो मेळूंक ना म्हणून ती खंती जाल्या हें कोगळाक राजवाड्यांतल्या लोकांच्या उलोवण्यां वेल्यान कळळें. ते दीस आंब्याचे नासलेच. पूण हें राजकुंवरीक कोण सांगतलो? जे मेरेन आंबो मेळना ते मेरेन आपूण कांयच खावची ना म्हणपाचें राजकुंवरीन जाहीर केल्लें. कोगळाक हें आयकून वायट दिसलें. तें आंबो सोदूंक भोंव भोंव भोंवलें, पूण आंब्याक चंवरूच येवंक नासलो. आंबो कसो मेळटलो? पूण खंय तरी आंबो मेळटलोच हे आशेन तें उडत रावलें. भोंवन भोंवन ताका पुरो जालें. ताचीं पाखां दुखूंक लागलीं. ताचो ताळो सुकलो. पूण आंबो मात खंयच दिसलो ना. कोगळाक रडूंक आयलें. एका आंब्या झाडा पोंदां तें ध्यानस्थ बसलें.

ताणें देवाक उलो माल्लो. थांबनासतना देवाचो जप करूंक

लागलें. आनी कितें अजाप! ज्या झाडा पोंदां कोगूळ ध्यानस्त बशिल्लें त्या झाडार एकूच हळडुवो आंबो हुमकळटालो. आंबो पळोवन कोगूळ भुल्लुसलें. ताणें देवाचे उपकार मानले. आंबो घेवन कोगूळ सोमतें राजकुंवरी म्हऱ्यांत गेलें आनी ताणें तो आंबो व्हरून राजकुंवरी मुखार दवरलो. पिकिल्लो हळडुवोच आंबो पळोवन राजकुंवरीक खोस जाली. तिणें कोगळाचे फाटीर मायेन हात भोंवडायलो आनी म्हणलें: 'आगो पिश्या, म्हजे खातीर इतले त्रास कित्याक काडले? चल, तुका हांव वर दितां. तुजो आवाज म्हजे सारकोच गोड आनी म्होंवाळ जातलो. तुजो म्होंवाळ आवाज आयकून लोक आपलें दुख्ख विसरतले, व्यथा विसरतले.'

राजकुंवरी आंबो खावन सुस्त न्हिदली. राजकुंवरीक उलो मारपा खातीर कोगळान चोंच उगडली आनी अजापूच घडलें! कोगळाचो आवाज राजकुंवरी सारको गोड जाल्लो...हय. सामको गोड, म्होंवाळ, मधूर. राजकुंवरीक लागून आपलो आवाज म्होंवाळ जाला हें कोगूळ विसरूंक ना आनी म्हणूनच झाडाचेर आंबे पिकूंक लागले की कोगूळ राजकुंवरीक उलो मारता... कुऽऽ हूऽऽ कुऽऽ हूऽऽ

– सिया अ पंडित
यत्ता णववी
मडगांव – गोंय



रंग

रंगयाळीं हीं फुलां
रुचिचीं हीं फळां
सोबीत सुंदर गोंयचीं
आमी भुरगीं बाळां

गोंयचे पांचवे दोंगर
दिसता राजकुंवर
दरएके सुंदरेच्या
आंगा खांदार चंवर

रंगयाळ्यो राती गोंयच्यो
रंगयाळेच दीस
गोंयकार मनीस खुशालभरीत
पियेवन उदक नीस

निसर्गाच्या आंगार
रंगांचो गा खेळ
मुखार चलता पालखी
फाटीं व्हडलो मेळ

– सुवेदा सुनील पालकार
अवर लेडी ऑफ रोझरी,
हायस्कूल.
दोना-पावला-गोवा.
फोन : २४५९३२१



३१ डिसेंबर

सर्कशींतल्या माटवांत
३१ डिसेंबर बरो फुलयलो
हांसत, नाचत, गायत
माटव बरो गाजयलो
घोड्याचेर बसलो माकड
माकडाचेर वयर सोंसो
'डिस्को' डान्स करतना
माटवांत फुल्लो हांसो
शींव आनी वाग दोगूय
वांगडा नाच करी
दोगांयच्या शेपड्यांक
एक कुत्रो घट्ट धरी
तोपयो घालीत काडीत
धांवतालो एक मनीस
जोकराचे चाळे पळोवन
लोक हांशान कासावीस
विसर केन्ना पडची ना
त्या वर्सा निमण्या दिसाची
वर्साक चारदां किद्याक
येना काय तो दीस ?

– भिकाजी घाणेकार
लिदीया गार्डन,
सांत इनेज, पणजी.
फोन : २४३१३६५

गाडी नंबर १०८

एक आशिल्ली नुस्तेकान्न. तिचें नांव आशिल्लें दुर्गा. वाड्यावयलीं सगळीं तिका दुर्गामावशी म्हणटालीं. ह्या दुर्गामावशेचो घोव सामको भुरगेपणातूच गेल्लो. हिका भुरगीं-बाळांय नाशिल्लीं आनी नात्यांतलोयबी कोणूच नाशिल्लो. गांवच्यांनी तिका परतून लग्न जा म्हण सोयरीगती बी हाडिल्ल्यो. पूण दुर्गामावशी परतून लग्न जावपाक कशीच तयार जायना जाली. तशीच ती आपली एकटीच जीण सारताली. आतां हे दुर्गामावशेक पन्नाशेक वर्सां आसतलीं.

दुर्गामावशी सकाळची बेगीनच भायर सरून वताली. दुसऱ्यांकडल्यान नुस्तें विकतें घेताली आनी आपूण विकताली आनी सांजे स मेरेन घरा पावताली. वाड्यावेलीं सगळीं भुरगीं हे दुर्गामावशेगेर आसतालीं. घरा येतना ती भुरग्यांक खावपाक केळीं, ॲपलां, मोसंबी, नाजाल्यार चॉकलेटी तरी हाडटालीच. इतलेंच न्हय तर ही दुर्गा मावशी ह्या सगळ्यां भुरग्यांक सद्दां रातची बाजारांत घडिल्ल्यो गजाली काणी कशी करून सांगताली. भुरग्यांक इतकी सवंय जाल्ली की मावशेन काणी सांगल्या शिवाय हीं भुरगीं घरा वचनाशिल्लीं. ह्या भुरग्यांभितर सामकी ल्हान म्हळ्यार चार-पांच वर्सांच्यो दोन चलयो आशिल्ल्यो. जाल्यार बाकिच्यो सगळ्यो सात-आठ वर्सांच्यो आशिल्ल्यो. हे मावशेन त्या दोगांय भुरग्यांक चिंटू आनी बिट्टू अशीं नांवां दवरिल्लीं. मावशेन तांका चिंटू बिट्टू असो उलो मारल्यार पुरो तीं रोखडींच, न्हिदेंतल्यान सुद्धां 'ओ' म्हणत फडफडीत उट्ठालीं. कोणूय मावशेगेर वचत जाल्यार मावशी घरांत एकलीच रावता अशें म्हणचोच नाशिल्लो. रातचीं न्हिदपाक सुद्धा एक-दोन भुरगीं आसतालींच.

नुस्तें विकपाक मात्शी सांज जाली म्हणटकच मावशेचो जीव सामको वयर-सकयल जातालो. बरोबरचीं मागीर तिका म्हणटालीं, ''कितें गो दुर्गा, तूं एकलेंच रावता आनी तुका गो कसलो हुस्को? आमचीं भुरगीं-बाळां आसता तिवूंय आमी दुसऱ्यांकडेन दवरून येतात.आमी कितें करूंक फावो?'' अशें म्हणटकच ती म्हणटाली, ''वाड्यावेलीं सगळीं भुरगीं म्हजींच म्हटल्यार जाता. म्हाका वचपाक वेळ जालो जाल्यार तातुंतलीं दोगां भुरगीं रडपाक लागतात.'' आनी खरेंय बी. मावशेक वचपाक वेळ जालो जाल्यार चिंटू आनी बिट्टू रडपाक लागतालीं. त्या भुरग्यांखातीर मावशेक बेगीबेगीन धांवचें पडटालें. हाकाच लागून मावशेक आपूण एकली अशें केन्नाच दिसलें ना. एक दीस सदच्या प्रमाण सांजेची दुर्गामावशी कामाक साकून आयली, भुरग्यांक खावपाक बी दिलें. आपलें आसा तें काम केलें आनी काणी सांगपाक म्हण बशिल्ली. इतल्यांत तिका कितें तरी जावपाक लागलें. आनी ती बशिल्लेकडेन सकल पडली. मावशी पडल्या तें पळोवन सगळीं भुरगीं भियेलीं, कितें करचें तें तांकां कळना जालें. तांच्या वाड्यार कोणाकडेनूच गाडी नाशिल्ली. एक-दोगां जाणांगेर स्कुटरी आशिल्ल्यो. डॉक्टरूय लागीं नाशिल्लो. हे मावशेच्या घरालागींच एक जॉनी अंकलाचें घर आशिल्लें. त्या घरांत घोव आनी बायल दोगांच

रावतालीं. तांकां दोगां भुरगीं आशिल्लीं. पूण तीं दोगांय दुबय आसतालीं. वाड्यावेलीं भुरगीं तांकां अंकल आनी आण्टी म्हण उलो मारतालीं. तांगेर फोन बी आशिल्लो. गरजेवेळार लोकांक फोन करपाक तीं दितालीं म्हणपाचें ह्या भुरग्यांकूय खबर आशिल्लें. चिंटू आनी बिट्टून वेळ केलो ना. बेगीबेगीन तीं दोगांय त्या अंकलागेर गेलीं. अंकलाच्या घराचें दार बंद आशिल्लें. दाराक बॅल आशिल्ली पूण ह्या भुरग्यांचे हात थंय पावना जाले. दोगांय भुरग्यांनी दाराचेर हात मारून अंकल...अंकल असो उलो केलो. दाराचो आवाज आयकून अंकलान रोकडेंच दार उगडलें.

''कितें जालें? इतक्या रातचीं तुमीं हांगा कितें करतात?'' म्हण अंकलान विचाल्लें, पूण तीं भुरगीं तागेलें आयकनासतना फोनाकडेन धांवत गेलीं आनी फोन उखल्लो आनी १०८ नंबराचेर फोन डायल केलो, ''हॅलो...हॅलो.. १०८ नंबर, आमची दुर्गामावशी बरी ना. ती सकयल पडल्या आनी तिचेकडेन उलोवपाक जायना. बेगीन यो'' अशें रडत रडत सांगपाक लागलीं. हें आयकून तांकांय कळ्ळें आसतलें हीं भुरगीं ल्हान म्हूण.

''तुमच्या म्हऱ्यांत आनी कोण आसा?''

''अंकल आसा.''

'तशें जाल्यार ताचेकडेन दी...''

बिट्टून काडून त्या अंकलाकडेन फोन दिलो. अंकलान तांकां जाग्याचो



पत्तो सांगलो. बेगीबेगीत अंकल आनी तीं भुरगीं दुर्गामावशेगेर आयलीं. वाड्यावेलो सगळो लोक थंय जमा जाल्लो. कोण उदक मारता. कोण वारें घालता, कोण कांदो धाडायता. तेद म्हळ्यार धा मिन्टाभितर १०८ नंबराची गाडी आयली. ते गाडयेंत एक डॉक्टर आनी एक नर्सूय आशिल्ली. डॉक्टरान तिका पयलीं तपासली आनी रोखडीच गाडयेंत घालून हॉस्पीटलात व्हेली. रोकड्या रोकडोच मावशेचेर उपाचार जालो म्हण मावशी वाटावली, अशें डॉक्टरूय म्हणपाक लागले. वाड्यावेले सगळे लोक एकामेकांक विचारपाक लागले, 'डॉक्टराक कोणें आपयलो? हॉस्पिटलांतली गाडी कशी आयली?' तेन्ना अंकल येवन म्हणपाक लागलो, ''चिंटून आनी बिट्टून १०८ नंबराक फोन केलो. वाड्यावेल्या कांय जाणांक १०८ नंबरचेर फोन केल्यार गाडी येता म्हण खबरूय नाशिल्ली. सरकारान लोकांखातीर इतली बरी सोय केल्या हें कांयजाणांक तेदिसाकूच कळ्ळें. सगळ्यांनी वचून चिंटूक आनी बिट्टूक विचारलें. ''बाय तुमकां कशें कळ्ळें १०८ नंबराचेर फोन केल्यार गाडी येता म्हण?''

''इल्लिशीं भुरगीं! पूण हांकां आमच्याकूय चड खबर आसा न्हय?'' अशीं कांय लोकांच्या तोंडातल्यान उतरां आयकुपाक येवपाक लागलीं. बिट्टून सांगले, ''आमकां हें सगळें दुर्गामावशेनूच सांगिल्लें, घरांत कोणूय चड बरो नासल्यार आनी त्या दुयेंत मनशाक व्हरपाक कोणूच नाजाल्यार १०८ नंबराचेर फोन केल्यार रोकडेच ते गाडी घेवन येतात म्हण. उजो खंय लागलो आनी तो व्हड जायत जाल्यार फायरब्रीगेडीक फोन करपाक जाय म्हण मावशी आमकां सदांच सांगताली. आनी ते सगळे नंबर तिणें आपल्या घराचे वणटीचेर आमचेच कडल्यान बरोवन घेतिल्ले.''

हें आयकून वाड्यावेलीं सगळींच म्हणपाक लागलीं, ''खरेंच मावशेन भुरग्यांक काणीच न्हय तर गरजेक पडपाच्यो गजालीय सांगिल्ल्यो आनी ह्या गजालींक लागून आयज मावशेचोच जीव भुरग्यांनी वाटायलो.'' ते खातीर सगळ्यांक भुरग्यांची लक्तुबाय दिसली.

– कुमूद भिकू नायक
खोर्ली, तिसवाडी-गोंय
फोन : ९९२१८२५२००

स्नेहसंमेलन



म्हजे मुळावे शाळेचें स्नेहसंमेलन अजून पर्यंत म्हाका याद आसा. आतांच्या स्नेहसंमेलनाक आनी भुरगेपणांतल्या स्नेहसंमेलनाक खूब फरक आसा. भुरगेपणांत भुरग्यांक शिकोवपाक टिचराक खूब मेहनत घेवंची पडटाली. एक-एक भुरग्याचो अभ्यास घेवपाक टिचराक खूब कळाव लाग. सगळ्या भुरग्यांक तालीम रुमांत व्हरून कॅसेट लायता तेन्ना भुरगीं कशींय नाचतालीं. तांका पळोवन टिचरांक हासूंक येतालें. टिचरीय तांच्या बराबर भुरगीं जातालीं.

तांकां टिचऱ्यो समजायतालीं की मम्मी-पप्पा भायर आसतलीं. लोक पळयतले. रडूंक जायना. भायर वचूंक जायना. तांकां चॉकलेटी, आयस्क्रिमींच्या नांवान भुलयतालीं आनी तालीम करून घेतालीं. असोच एक दीस स्नेहसंमेलनाचो दीस उजवाडलो. माची बरेतरेन लायटींच्या चकचकान सजयिल्ली. भुरग्यांक मेकअप रूमान व्हरून रंगयतालीं. हॉल कचाकच भरिल्लो. भुरग्यांचीं सोयरीं-धायरीं, शेजारी-पाजारी बी नाच पळोवपाक आयिल्लीं.

पड्डो उगडटगीर ताळयांचो कडकडाट जालो. मुखेल सोयरे भुरग्यांखातीर चड वेळ घेनात. एक-एक भुरग्यांचें सवंग पळोवन हॉलान बशिल्ले लोक तांचीं तीं सवंगां पळोवन आपल्या भुरगेपणांत रमताले. निमाणे वेळार भुरगीं तीं भुरगीं कोण आपले मम्मीक सोदता, कोण रडटा कोण नाचता, कोण जामयो काडटात. कोण तकली खरपिता. पूण लोकांक तांचें तें भुरगेंपण पळोवन वाज येना. तांचें ते मनोरंजन पळोवन लोक हासून ताळयो मारतात. आनी अशें करून केन्ना भुरग्यांचें स्नेहसंमेलन सोंपता हे कोणाकूच कळनाशिल्लें. अशें हें तेन्नाचें भुरगेपणावयलें स्नेहसंमेलन अजून म्हज्या काळजांत रिगून आसा.

– संजना सं. घोडगे
भाटीकर मॉडेल हायस्कूल
यत्ता – सातवी
विद्यानगर, मडगांव – गोंय
फोन : २७५९६४७

मोनजात

हुनुल्ले गे हुनुल्ले
खंयचे घोलींत रावता गे
माऊ म्हजें आतां
सोदीत तुका भोंवता
कोंब्यादादा, कोंब्यादादा
माती कित्याक उस्तिता
चानये पोरा असो कित्याक
वयर सकयल देंवता
दुकुपेट्या, दुकुपेट्या
दारांक कित्याक येता
कुतुमाम येतलो आनी
तुजेर भुकतलो
हामा बुचू, हामा बुचू
कित्याक गो हांबेता
हामा गेल्यां रानांत
येतलीं तीं आतां
काक्या काक्या असो तूं
कित्याक रे केकेता
बुकीक म्हज्या आफोवन
आतां फाटीक तुज्या लायतां

– नम्रता शैलेश सालेलकार
सांगे – गोंय.

तेफलां

नि र्ण य

खूब तेपान शीला म्हाका बसस्टॉपार मेळ्ळें. आमी दोगांय म्हापशां वचपाचीं. खरें म्हळ्यार पणजे-म्हापसा ह्या रुटावयल्या बसींतच आमची वळख जाल्ली आनी केन्ना आमी सुखदु:खाच्यो खबरो एकमेकांक सांगूंक लागिल्लीं तें आमकांच कळ्ळेंना. हालीं खूब तेंप जाल्लो मेळ्ळ्यार. म्हण चुकिल्लेभशेन दिसतालें. पूण आमकां दोगांकय एकामेकांच्या घरचो नामो आनी फोन नंबरय खबर नाशिल्ल्यान वगीच रावपाशिवाय दुसरो पर्याय नाशिल्लो. फाटले खेप मेळिल्लें तेन्ना शीलान म्हाका आपलें लग्न थरिल्ल्याचें सांगिल्लें. घडये तें लग्न जावन घोवागेर गेलांय आसतलें. पूण तें म्हाका लग्नाक सांगतलें आशिल्लें न्हय? ताकतिकेन बी जालां आसतलें. हांव म्हज्याच मनाचें समादान करतालें.

आनी ते दीस मेळ्ळें तें म्हाका मात्शें कृश जाल्ल्याभशेन दिसलें. ''आगो कितें बरें नाशिल्लें? लग्नाक बी सांगचें पडटलें म्हण पळून भोवता काय कितें गो?'' हांवें प्रस्नांची सरबत्ती चालू केली. ''पयलीं बसींत बसुया मागीर सगळें सांगतां.'' म्हण बेगबेगीन वयर चडून ताणें म्हाकाय सीट धल्लें. ''आई मगो मान्न्यांत पडली आनी तिचे कमरेचें हाड फ्रॅक्चर जालें. म्हणटगीर तिच्या म्हऱ्यांत हॉस्पीटलांत रावपाखातीर म्हाका घरा रावचें पडलें.'' ताणें खुलासो केलो. ''मागीर आई कशी आसा? आनी लग्न केन्ना थारयलां?'' म्हजें चालूच. ''आईक दोन म्हयन्यांची रेस्ट सांगिल्ली. आतां ती हळुहळू उठून भोंवता. आनी लग्नाचें म्हणशीत जाल्यार हांवें तें लग्न मोडलें.'' म्हणत तें जनेलाभायर पळोवंक लागलें. फाटले खेप मेळिल्लें तेन्ना आपली सोयरीक जाल्या म्हणपाची खबर ताणें कितले उमेदीन सांगिल्ली. आनी आज आपणेंच सोयरीक मोडिल्ल्याचें सांगता. हांव बुचकळ्यांत पडलें. तशें दिसपाक तें सादारणूच म्हळ्यार जाता आनी तातूंत वय वाडिल्लें. आयिल्ल्यो सोयरिको ह्या ना त्या कारणान मोडटाल्यो. एकुलतो एक भाव खूब त्रास काडटालो. घरची परिस्थिती जेमतेम. म्हापशांच एका दुकानांत काम करून हें आपलेपरीन संवसाराक हातभार लायतालें. 'हम भला अपना काम भला' हे मनोवृत्तीचें. पूण आपलेय केन्नातरी दोनाचे चार हात जावन आपलें नशीब फळफळटलें ह्या आशावादी विचारांचें. न्हवरेकारांकडल्यान आयिल्ले कितलेशेच न्हयकार ताणें म्हाका कळीत केल्ले. आनी हे खेपेक मात झाड सुकत वच्चें आनी अचकीत ताका पालवी फुटची त्याप्रमाणे तें सामकें भुरकुटून गेल्लें. ताची सोयरीक जमिल्ली. न्हवरो सरकारी नोकरेक आशिल्लो. घरांत फक्त तो, आवय आनी हालींच लग्न जाल्लो ताचो भाव. अशें ल्हानशेंच कुटूंब. ताणी हाका पळयतनाच पसंत केल्लें आनी दिवपा-घेवपाचेंय चड बंधन नाशिल्लें. भावाचेर चड भार पडचोना म्हण हेंवय खूश आशिल्लें. आनी आतां अशें जालें कितें? ताका कितें विचारचें तें कळना जावन हांवें ताच्या हातार हात दवरलो. तशें तेंच उलोवपाक लागलें, ''जाणा मगो, सगळें फटाफट जालें. प्रसाद, पाकळी जावन म्हूर्त पसून काडिल्लो. मागीर बेगीन म्हूर्त ना म्हण ताणींच गडबड केली. रजिस्ट्रेशन आनी पंदरा दिसांनीं लग्न. सगळें स्वप्नच कशें. त्या दिसाक रजिस्ट्रेशनाक तो घरच्यांसयत आयलो तेन्ना ताच्या तोंडाचो एकदम भस्स करून सोऱ्याचो वास म्हज्या नाकांत रिगलो. हांवें त्याच वेळार निर्णय घेतलो. 'आयच्या भर दिसाक पसून हो जर घेना आसतना येवपाक शकना जाल्यार फुडें कितें संवसार कपल करतलो? त्या परस हांव आसां तेंच बरें आसां.' हांवें रोखडीच म्हज्या भावाक कल्पना दिवन म्हाका ताचेकडेन लग्न करपाचें ना म्हूण सांगलें. ही खबर तांका विचारनाफुडें तीं मान सकयल घालून ओगीच रावलीं. आनी आमी तशींच घरा परतलीं. त्या निर्णयाचो मात म्हाका इल्लोपसून पश्चताप जायना.'' अशें म्हणून तें परत भायर पळोवपाक लागलें.

आनी ताणें तो घेतिल्लो निर्णय बरोबर काय चूक हाचो हांव विचार करपाक लागलें. खरें म्हळ्यार इतल्या प्रतिकूल परिस्थितींत ताणें घेतिल्ल्या धाडसी निर्णयाची तोखणायच करपाची. पूण समाज? वयार आयिल्ले चलयेक कोणाच्या गळ्यांत बांदलें म्हणटगीर मेकळीं म्हणपी लोकांची विचारसरणी? कारण गरिबान खंय शेण खालें जाल्यार पोटाभरीक खालें आनी तेंच गिरेस्तानी खालें जाल्यार वखदाक खालें म्हणपीय समाजाचोच एक घटक. एक मन भिलें पूण ना दुसरें मन म्हणपाक लागलें, आनी फाल्यां त्या घोवान जर बायलेक सोऱ्याच्या नेटार मारबडय करून धावंडयिल्लें आनी ताका जिणें नाका शें करून सोडिल्लें जाल्यार समाजांतलोच एक पूण मनीस ताका आपल्या घरांत थारो दिवपाचो? ताच्या घरचींय पुसून ताका कितलो तेप पावतलीं आशिल्लीं? ताणें केलें तेंच योग्य केलें. असोच निर्णय घेवपी असंख्य शीला आमच्या समाजांत जेन्ना तयार जातल्यो, आनी समाजांतल्यो सगळ्योच न्हय तर थोड्योतरी शिलासारकेल्या चलयांक मानसीक बळगें दितल्यो तेन्नाच बायलांच्या सशक्तीकरणाक खरो अर्थ येतलो अशें म्हाका दिसलें.

– रूपा कोसंबे
शिंदोळी,सांकवाळ,
कुठ्ठाळी-गोंय.
फोन-२४५२१५०

दिक्का

घरगुती तंटे



"जींगल बॅल, जींगल बॅल, जींगल ऑल द वे..." घराचें दार उक्तें आसलें पूण कोणूच ना तें पळोवन बॅल वाजयत नातालांचें गीत गावपाक सुरवात केली.

"कोण थंय यो भीतर, हांव हांगा आसां." भितरल्यान इश्ट संजयाचो आवाज आयलो. हांव घरांत भितर सरलों. तो आपल्या मेजार कसलीं तरी कागदां उस्तितालो.

"आज इतल्या खुशालकायेच्या दिसाक कितें सोदपाच्या गोंदळांत आसा संजय."

"हॅलो हॅलो, हॅपी क्रिसमस खुशालभरीत नातालां." तो उटून आयलो आनी म्हाका वेंग मारीत ताणें परबीं भेटयलीं. आमचो आवाज आयकून ताची घरकान्न आयली आनी तिणेंय म्हाका नातालांचीं परबीं भेटयलीं. तांचे खातीर हाडिल्ल्या कुंसवाराचें पारसेल हांवें तिच्या हातांत दिलें आनी चाव घेवन येता म्हणत ती भितर गेली.

"आज बरोच टॅन्स दिसता असो." हांवें बसतां बसतां ताच्या तोंडावयले हावभाव वळखुपाचो यत्न केलो.

"कितें सांगूं, म्हजी बायल सारकीच फाटीक लागल्या. आमच्या त्या शॉपाक लागून केसूच केल्यार अदीक बरी म्हण. त्यापासत हांव लुगाराचीं आनी शॉपाचीं कागदां सोदतालों." संजयान सरळ सांगलें.

"आरे म्हज्या इश्टा, कोर्टांत केसी कमी आसात म्हण तूं तुजे आनीक एके केशीची भर घालूंक सोदता? भावाकडेन आपसांत मिट्टा जाल्यार पळय मरे."

"आपसांत मिटोवपाचें आनीक कांयच उरूंक ना. तो केसीचीच भास समजता." तो आयकून घेवपाच्या मुडांत नासलो.

"पयरूच म्हजो एक इश्ट म्हाका सांगतालो, ताणें आपल्या भाटांत रावपी मुंडकाराचेर केस घाल्ली. तीन वर्सां जावन गेलीं ताची केस अजून पयले फावट वयर सरूंक ना. कोर्टांत कितले लोक फक्त पावटी घालतना दिसतात. कितल्या जाणांनी आपलें आयुश्य काबार केलां फक्त कोर्टांत पावटी घालीत. ह्या काळांत कितल्या पयशांचो इदवास जाता तें खबर ना. आनी हे पयशे कोण खातात जाणा? दोनय पक्षाचे वकील. ते तारखेर तारखो घेतात आनी गरीब लोकांक पिशांत काडटात. हाकाच लागून आमच्या नितीघरांनी हजारांनी केसी पडून आसात. त्यो केसी काबार जावंचे बदला अदीक आनी अदीक वाडतूच आसात."

"मागीर तूं कितें कर म्हणटा? इतलें व्हडलें शॉप आसा तें ताका फुकट सोड म्हणटा? दोगूय सांगाताक आसतना चलिल्ल्या धंद्याचेर तें शॉप घेतिल्लें. सादें चायेचें हॉटेल म्हण चलोवंक घेतिल्लें जाल्यार आज कितलें जोडून काडटलों आसलों. म्हजे आईन सांगिल्लें 'तुका रांदपाचो हातगूण आसा. तूं थंयच च्या-पाण्याचें दुकान घाल आनी तुजें पोट भर.' ती आस पासून हय हय घालें. ती वतकच म्हाका घरगुती धंद्यांतल्यान पसून बेदखल केला. शॉपाचो आपूणय फायदो काडिना आनी म्हाकाय उपेग करूंक दिना. बंद दवरून कितें फायदो?"

"तुमची मस्ती न्हय ती? तुमी दोगूय एकामेकाचें आयकुपाक तयार नासले. आनी आतां लेगीत खंय तयार आसात? तुमचें झगडें मिट्टा म्हणल्यार तें शॉप मरमत्तेक येतलें दिसता म्हाका."

"आतां म्हण वापरिनासतना ताची दशा बरी आसा?"

"मागीर आतां कोण कोलो वकील मेळ्ळा तुका? तो आपलें सादयतलो आनी विनाकारण पयशांची वाट लावंक तुमकां दोगांकय तयार करतलो."

''हांव इतलो पिसो ना. म्हाका वकिली समजता.''

''केन्ना शिकलो तूं वकिली?''

''आरे राजकारण्या बराबर भोंवले म्हणटच वकिली आपशींच शिकतात. फाटलीं कितलीं एलेसांवात हांव सक्रीय वावुरलां मरे. तांचे बराबर सदांच वकील आसतात. ताणींच म्हाका ही बुद्ध दिल्या.''

''जाल्यार तुज्या भावाकय कोण तरी मेळ्ळा आसतलो. शॉप तुमचें, झगडें तुमचें, पयशे तुमचे. पूण तुमकां नाचोवंक आनी पयशे खावंक मात वकीलय तुमचे.''

''जाल्यार तुज्यान जाता आमचें झगडें मिटोवंक.''

''चल जाता जाल्यार पळोवंया. तुजें म्हणणें सांग.''

''म्हाका ह्या जानेराक थावन त्या शॉपार चायेचें दुकान उगडूंक जाय.

''आरे वाह! ह्या जानेराक उरल्यात आठ दीस. कोर्टांत गेल्यार आठ दिसांनी केस सुटावी जाता?''

''तशें त्या वकिलान म्हाका सांगलां.''

''सामकोच मामा केलो मरे ताणें तुका. आठ दिसां भितर तुजी केसच नोंद जाता जाल्यार पयलीं पळय.''

''हांव सिरीयस आसां. तुजें शॉप गेल्लें जाल्यार तुका कळपाचें.''

''इश्टा, म्हज्या घराकडेन तूं जायते फावट आयला. म्हजें घर तुवें फुडल्यान पळयलां. फाटल्यान केन्नाच लक्ष दिवंक ना. म्हज्या घराफाटल्यान आशिल्ले जमनीर आमच्या शेजाऱ्यान कबजो करून दवरिल्लो. ताणीं तो लुगार सोडपाक बापायन जायते यत्न केले. तो तांचेकडेन तोंडी झगडत रावलो. निमणें हांवें म्हज्या बापायक सांगलें तो लुगार तांकाच दिवन उडोवंया आनी आसा त्या लुगाराक शेरको घालुंया. ताणें म्हजें आयकलें आनी आज हांव कितलो खुशाल आसां. म्हजो इल्लो लुगार ताणीं व्हेलो पूण तातुंतल्यान म्हज्या जिवितांत शांती आनी खुशालकाय हाडली.''

''तुमचे भाशेन आमचे केसींत करूंक जाता?''

''हाका त्याग करपाचें मन जाय. अहंकार आनी हट्ट धरल्यार समजीकाय जायना.''

''सोल्युशन आसा जाल्यार सांग न्हय.''

''एक दीस तुजो भाव कोणाक तरी सांगतना आयकल्लें, तूं वोगीच हाका ताका घेवन येता आनी आपणाकडेन नस्ते वाद घालता म्हण.''

''हांव वाद घालतां? मागीर मुकाट्यान शॉपाची चावी कित्याक दिना तर?''

''चावी दिवपाक तें तुमच्या दोगांच्या नांवार आसा न्हय? कोणें तरी एकल्यान फाटीं सरूंक नाका?''

''हांव कसोच फाटीं सरचो ना. म्हाका थंय धंदो करपाक जाय.''

''जाल्यार सामकी सोपी गजाल मरे. शॉपाचो वालोर कर, अर्दे पयशे ताका तूं फारीक कर. तो तसो तयारच आसा.''

''तुका कोण सागतालो?''

''राव. कोण सांगतालो तें घेवन बसचे परस हांव आतांच तुज्या भावाकडेन सरळ उलयतां. बऱ्या कामाक उशीर कित्याक?'' हांव भायर आयलों आनी ताच्या भावाक मोबायल फोन लायलो. ताच्या मनांतलें आयकून घेतलें. संजयाचो विचार सांगतना अर्दे पयशे दिवपाक तयार आसा म्हण सांगना बराबर तो तयार जालो. हांव भितर आयलों आनी संजयाक हात दिवन म्हणलें ''पळय संजय, फाल्यां लेगीत तो उलोवणी करपाक तयार आसा.''

''तूं परतून फकाणां करिना मरे म्हजीं? हांवें आयकल्लें तें शॉप तो आपणाकच दवरपाक सोदता म्हण.''

''तूं ताचेकडेन उलोवणी करपाक तयार आसा जाल्यार पयलीं सांग. आपलेंच पेंपारें वाजयत राव नाका.''

''तुजो प्रस्ताव बरो आसा.'' इतलो वेळ आयकत आशिल्ले संजयाचे घरकान्नीन सांगलें आनी म्हाका च्या पिवपाचो आग्रो केलो. तांचे मदीं मात्सो वेळ भासाभास जाली आनी फाल्यां उलोवणीं करपाक तयार जालीं.

''जाणा संजय, नातालांच्या दिसांनी आमी हो कुंसवार आनी इश्ट-मित्रांक भेट कित्याक दितात तें? आमचे मदली इश्टागत अदीक वाडोवंक, सोयरीगतीचे धागे अदीक मजबूत करूंक. हें म्हज्यान कोणाकडल्यान धाडूंक जातालें. पूण हांव प्रत्यक्ष आयलां, म्हजो मोग तुमचे सवें वाटूंक. आनी पळय, होच मोग गवाय आसा, कितलीं वर्सां तुमचे मदीं चलिल्लो घरगुती तंटो मिटूंक वता. कितलो तेंप जालो तुमी एकामेकाकडेन उलयनाशिल्ले ते उलोवंक तयार जाले. देवान आमकां ह्याच खातीर गिन्यान दिलां, मन दिलां आनी काळीज दिलां, एकामेकाक समजूंक आनी मोगान फुडें वचूंक. तुमच्या भावांचो एकवट जावंचो हीच इत्सा हांव ह्या दिसाक बाळगितां आनी दोगांकय खुशालभरीत नवें वरस आवंडेतां.''

संजय आनी ताचे घरकान्नीच्या तोंडार नवो हांसो पळोवन म्हजें मन खूश जालें.

– विन्सी क्वाद्रूस
'स्नोज कृपा'
आर्लेम राय,
सालसेत-गोंय
मो. 9822587498

भ
न

तांच्या मनाट एक वेगळो परिणाम जाता. स्वताक ती आवय बापूय आसून अनाथ समजतात. तुमगेल्या रजताच्या बाबतीक हेच घडलां. तुमी हे सगळें कमयतात... कोणाखातीर हें? तुमगेल्या भुरग्या खातीरच न्ही? पूण पैशांपेक्षा तेका खरी गरज आसा ती तुमची. तुमगेल्या करीअराचो विचार तुमी सध्याक मात्शो कुशीक दवरात. ताका तुमच्या मायेची, आपलेपणाची गरज आसा हाचें भान दवरात. बापायन भुरग्याक भितले वयर धरचें की ताका पयसल्लें दिसचें.

मुखावयलें दृश्य पळोवन अनघाची भिवन गुळी जाल्ली. बारिकशी किळांच तागेल्या तोंडांतल्यान भायर पडली. हातातली ब्रिफकेस केन्ना सकयल पडली ताचें ताकाच कळ्ळें ना. तागेलें काळीज धडधडपाक लागलें. स्वासाची लय वाडली.

तागेली नदर हॉलांत भिरभिरली. ताणें आवंडो गिळ्ळो. सोफ्यावयले ल्हान तक्के फरशीचेर जळामळां पडिल्ले. फ्लॉवरपॉट फुटिल्लो. जनेलांचे हारशे फुटून कवच्यांचे कुडके पडिल्ले. टिपॉय उलटो जाल्लो. फोनाचो रिसिव्हर हुमकळटालो...!

तागेल्या काळजांत एकदम धप्प जालें. हें सगळें कोणें केलें? कित्याखातीर? घरांत चोर घुसले...? काय... आनी रजत खंय?? रजाताले यादीन तें काचाबूल जालें. ताची तकली सून्न जाली.

"रजत... रजत... रज्जू..." ताणें एकदम उलो माल्लो. पूण ताच्या सुकिल्ल्या ताळ्यांतल्यान आवाज भायर सल्लो ना. तें परत आड्डलें. धांवट बेडरूमांत आयलें. पळयलें. रजत ना. ताणिल्ल्या तारी सारको ताचो देह थरथरपाक लागलो. तें फाटीं सरलें. रजताले कुडींत आयलें. कूड रिकामी. ताका कांपरो भरलो. आंगावयल्यान हूम देंवपाक लागली.

खंय गेलो काय रजत..? चोरांनी ताका मारून उडयलो..? ना... ना... ताणें एकदम किळांच मारली. तो विचार ताका सहन जालें ना. मागीर खंय गेलो? कोणा बरोबर गेलो? कोणें किडनॅप बी करूं ना मूं?

अनघाची तकली चलना जाली. शिरो बधीर जावन गेल्यो. सामकेंच घुस्मटलें. कितें करप ताका सुचना जालें. तें थंयच बसलें. गळसणून गेल्ल्यासारकें. मनगटावेल्या घडयाळाचेर ताची नदर गेली. साडेसात... आजसुद्धां सदचेवरी आपल्याक घरा पावपाक कळाव जालो. सीताबाय काम करून पांचाकूच गेली आसतली. तशी ती सदांच वता. सीताबायनूच रजताचें अपहरण केलें ना मूं? आतांच्या काम करतल्या बायलांचें कांयच सांगूक जायना. जळवो लागिल्ल्यावरी ताका तो प्रस्न लुचपाक लागलो.

तेन्नाच रांदचेकुडींत कितेंतरी फुटिल्लो आवाज जालो. अनघान कच्च करून आंग काडलें. थंडेच्या दिसांनी झेलाद उदक आंगार पडिल्ल्या सारकें. भिरांकूळ नदरेन ताणें पळयलें. कोण? चोर? की दुसरे कोणी? प्रस्नांच्या जाळ्यांत तें घुस्पटून गेलें. कितें करचें ताका समजना जालें. संदिपाक फोन

करपाचो? पूण तो कितलो पयस गेला. बेंगलोराक. आपूण हांगा गोंयांत... ताणें सुको आवंडो गिळ्ळो. मनावयलो ताबो सुटत वतालो. परतो कितेंतरी फुटिल्लो आवाज. खळ्ळकन. मागीर जोरान किळांच. गळो अंदिल्ल्यासारको. अरे देवा! ही तर रजताली किळांच...! एकदम अनघाच्या आंगांत नेट भरलो. तशेंच ते धांवलें. रांदचेकुडींत. रजत स्टुलार उबा आशिल्लो. वयल्या कपाटांतलें कप ताच्या हातांत आशिल्लें. दुसऱ्या खिणांतच कप ताणें जमनीर शेवटायलें. कपाचे कुडक्यान कुडके जाले. रांदचे कुडीची फरशी कंवच्यांनीं भरून गेल्ली.

अनघा थंयच थारलें. भक्क दोळ्यांनी पळयत रावलें. हें... हें... सगळें रजतान केलें? रजतान?? पूण कित्याक? कसलें कारण??? ''रजत... रजत... कितें करता तूं हें?'' अनघान स्वत:चेर ताबो दवरपाचो शक्य तितको प्रयत्न केलो. रजत वोग्गी. हां ना चूं ना. ताची नदर पळोवन ताचें काळीज चिरकेलें. रजतान दुसरें कप उकल्लें. जमनीर शेवटायलें. आवाजान अनघाच्या आंगार कांटो फुल्लो. ''र...जत, शाण्या कितें चलयलां तुवें... थांब..'' अनघाक स्वत:चो आवाज अनवळखी दिसपाक लागलो.

''ना थांबचों. हांव स...सगळें फोडून उडयतलों. सगळें...'' तो एकदम चवताळिल्लेभशेन जालो. खर्शेवपाक लागलो. घडायंच करून ताणें उडकी मारली. धांवत भायर गेलो.

धक्को बशिल्ल्यासारकें अनघा पळयत रावलें. रजतालें हें असलें वागप? कित्याखातीर? तो खंय भिलो बी ना मूं? अनघाक कांयच थाव लागना जालो. रजत कितलो समजूतदार.. केन्नाच कसली कटकट ना. आतां ताका आठवें लागपाक आयलां. सदांच थंड, ओग्गी आनी ताणें आज हें अशें करप? कारण तरी कितें?

जड जाल्ल्याभशेन अनघा भायर सरलें. रजताल्या बेडरूमाकडेन आयलें. खाटीर रजत न्हिदिल्लो. उमथो. उशांत तोंड मुंगरून रडटालो. हुंडके दितालो...अपुरबायेन अनघा फुडें सरलें. तर रजत हात लावन घेवपाक तयार ना.

''म्हाका... म्हाका हात लायनाका.. तुमी कोण न्हय म्हजीं... कोण कोण न्ही...' ताचे हुंडके वाडले...अनघा ताचेकडेन पळयत रावलें. निश्चल जावन... थिजून गेल्ल्यासारकें...!!

***

अनघाचो मोबायल वाजलो. फोन घेवचो काय ना.. अनघा अनमनलें. ताका अर्जंट ऑफिसांत वचपाचें आशिल्लें. म्हत्वाची मिटींग आशिल्ली. मिटिंग यशस्वी जाल्यार ताका जनरल मॅनेजरची पोस्ट मेळपाक चड वाव आशिल्लो. ताका नाका जाल्लो फोन येवन कळाव जालो जाल्यार... पूण...

अनघान फोन उकल्लो.

''हॅलो...''

''हॅलो..''

''हॅलो मिसेस भेंडे... हांव हेडमास्तर राणे उलयतां..''

''येस प्लीज...''

''मिसेस अनघा... आय ॲम सॉरी टू टेल यू.. बट इट इज व्हेरी इम्पॉटंन्ट.. तुमच्या चल्यान... रजतान... एका भुरग्याची तकली.. फोडल्या...''

''व्हॉट... कशी? केन्ना...??'' अनघा एकदम आड्डलें.

''हय... मदले सुटयेंत ते खेळटाले. खेळटां खेळटां तांचे भितर कितें जालें देव जाणा... पूण रजतान रोहन नांवाच्या भुरग्याची फातर मारून तकली फोडली... देवा दयेन चड कोंक जाली ना. पूण धिस इज डेंजरस! म्हाका ह्या दिसांनी ताचें वागप सारकें दिसना. फाटल्या दोन -तीन दिसांनी ताच्या क्लास टिचरांनी त्याच्या बद्दल कंप्लेन केल्ली. पूण हांवें गंभीरतायेन दखल घेतली ना. पूण हें खूबच सिरियस प्रकरण. म्हणून तुमकां कळयलां. तुमी स्कुलांत येयात. मागीर उलोवया. ओ.के.?''

''ओ.के. सर. थँक्स...हांव येतां...'' अनघान मोबायल बंद केलो.

ओह शीट! हांगा कामाचो भार आनी तातूंत रजतालें हें वागप. फाटले खेपेक ताणें घर फोडलें. एक खेप टीव्ही फोडलो. कितें सांगल्यार आयकना. चार-पांच दिसांपयलीं घरा आयिल्ल्या सोयऱ्यांचेर च्या रकयली. कितें जालें हाका? कांयच कळना. कितें सांगपाक गेल्यार, समजावपाक गेल्यार म्हण्टा तुमी म्हजीं कोण न्ही. पिशें बी लागलें ना मूं हाका?

विचारां सरशीं अनघान आंग काडलें. ताणें तो विचार पयस धुकल्लो. येदेशा भुरग्याक कसलें पिशें लागतलें? पूण ताचें हें वागप.. कित्याखातीर...? अनघाक कांयच सुचना जालें.

पयलींच मिटिंगेक वचपाक वेळ जाल्लो. तातूंत हें! शाळेंत आतां वचप? शक्यच ना. अनघान संदीपाक फोन लायलो. पूण तो अँगेज येवपाक लागलो. मागीर पळोवया. पयलीं मिटिंग ॲटेन्ड करपाक जाय. कशीय करून जनरल मॅनेजरची पोस्ट मेळवपाकूच जाय. हें करिअर करपाखातीर आपल्यान कितले त्रास काडले.

अनघा भायर सरलें. ना म्हळ्यार रजताली चिंता ताच्या मनांत जिवाण्या भशेन नाचताली.

***

आज रजताचो वाडदीस आशिल्लो. सकाळसावन पार्टीची तयारी चलताली. संदीप खंयचेतरी मिटिंगेक. दोन दिसांपयलींच मद्रासाक गेल्लो. आज दनपारां मेरेन तो पावपाचो आशिल्लो. अनघान आज सुटी काडिल्ली. सकाळीं ताणें रजताक शाळेंत व्हरून पावयिल्लें. खरें म्हळ्यार तें ताका धाडपाचें नाशिल्लें. पूण क्लासिंतल्या भुरग्यांक चॉकलेट वाटपाक जाय म्हूण रजतान हट्ट केल्लो. मदले सुटयेंत तें ताका हाडपाक वचपाचें आशिल्लें. इतल्यान फोन वाजलो. फोन संदीपाचो आशिल्लो.

''हॅलो...''

''हॅलो.. अनू... हें पळय सकाळची मिटिंग कॅन्सल जाल्या. जे डॅलिगेट्स अमेरीकेसावन येवपाचे, तांगेल्या विमानांत बिगाड जाल्ल्या कारणान तें लेट पावतलें. मिटींग सांजे चारांक थारायल्या. अनू... रजताक मात्सो सांबाळून घे. ताचो वाढदीस. पूण कितें करू? ही मिटींग म्हाका खूब मोलाची आसा. यू नो दॅट! तूं आसाच न्ही घरा. मागीर म्हाका प्राब्लेम ना. ओ.के. बाय.. रजताक म्हज्या सायडीन विश कर.'' ताणें फोन कट केलो.

फोन दवरून अनघा सीताबायक मजत करपाक रांदचे कुडींत आयलें. रजताल्या आवडीची चिकन बिर्याणी ताका स्वतः करपाची आशिल्ली. तें रांदपांत गूंग जालें. अकराक ताका रजताक हाडपाक स्कुलांत वचपाचें आशिल्लें. मोबायल वाजलो आनी तें भानार आयलें.

''हॅलो..''

''हॅलो मिसेस अनघा... सारंगपाणी हियर...''

''येस सर...'' तागेलो बॉस उलयतालो.

''मिसेस अनघा.. आय ॲम सॉरी टू टेल यू... पूण हें खूबच म्हत्वाचें आसा. बोर्डाची अर्जंट मिटिंग आसा. आनी तुका ती ॲटेंड करपाकूच जाय. अकरांची वेळ दिल्या. खरें म्हळ्यार हांवेंच ती ॲटेंड करपाची. पूण म्हाका वेळ ना. म्हजेवतीन तुवेंच हें सांबाळपाक जाय. म्हाका नवीन कंपनीच्या जाग्या खातीर पुण्याक वचपाक जाय. आय ॲम व्हेरी सॉरी... आयज तुगेल्या चल्याचो बर्थ-डे. बट आय ॲम हेल्पलेस. डॉन्टवरी... दोन वाजेपर्यंत तूं घरा पावतलें. मिटिंग चुकय नाका. तुगेल्या प्रमोशनाचो चान्स आसा. दॅट्स ऑल..!''

फोन कट जालो. रजताच्या वाढदिसा खातीर ताणें मुद्दाम सुटी घेतिल्ली. पूण बोर्डाची मिटिंग पार्कसन्स ॲण्ड हॅण्डसन्स हे कंपनीकडेन आशिल्ली ही मिटींग यशस्वी थारली जाल्यार कंपनीक कोट्यांचो फायदो जातलो. आनी मागीर आपल्याक जनरल मॅनेजराची पोस्ट मेळपाक सोपें जातलें. मागीर नवो बंगलो... नवी कार... तीस-पस्तीस हजार रुपया पगार...

''सीताबाय... रजताक हाडपाक तूं मात्शी स्कुलांत चल. ड्रायव्हर आसा सकयल. गाडी घेवनच चल. म्हाका अर्जंट ऑफीसाक वचपाक जाय.'' सीताबायक सांगून अनघा बेगबेगीन तयार जालें आनी भायर सरलें.

***

बरोबर सात वरांचेर तागेली मिटींग सोंपली. अधिकाऱ्यांक आपलो मुद्दो पटोवन दिवपाक अनघा यशस्वी थारलें. तागेल्या कंपनीचो प्रॉजेक्ट कंपनीन स्विकारलो. पार्कसन्स ॲण्ड हॅण्डसन्साचे अधिकारी ताचेकडेन हॅण्डशेक करून गेले. आतां अनघाचो जनरल मॅनेजरचो पोस्ट जवळ जवळ पक्कोच जालो. येदोळ सावन ऑफ करून दवरिल्लो मोबायल ताणें ऑन केलो. अकरांची मिटींग अधिकाऱ्यांक येवपाक वेळ जाल्ल्या कारणान फुडें धुकलिल्ली. बारा-दोन-तीन-चार करतां करतां ती साडेचारांक सुरू जाल्ली आनी सात वरांचेर सोंपिल्ली.

रजताचो वाडदीस ताका चुकपाक आयिल्लो. बाबडो आपली वाट पळयत रावतलो. संदीप सुद्धां ना. बेगबेगीन घरा वचपाक जाय. ताणें आनी कितेंय बरें वायट केलें जाल्यार? तागेल्या काळजांत खप्प जालें. रजतालें वागप भिवपासारकें जायत गेल्लें. कितें कारण कांयच कळना आशिल्लें. आनी ह्या असल्या कामाचे गडबडींत लक्षय दिवपाक मेळना आशिल्लें.

मोबायल वाजलो. ताणें फोन घेतलो.

''हॅलो...''

''उलय सीताबाय...''

''बाय... तुमी बेगीन रांजणकार हॉस्पिटलांत येयात.''

''हॉस्पिटलांत? कित्याक?'' अनघा भिवन गेलें. चिंतनांनी तें घुस्पलें.

''रजत बाबाक हांवें थंय व्हेला...''

''रजत... कितें जालें ताका?''

''बाय ... म्हाज्यान सांगपाक जायना. हांगा गर्दी सुद्धां खूब आसा. तुमी बेगीन येयात. मागीर सांगतां...'' फोन बंद जालो.

अनघा थरथरलें पयसुल्ल्यान धांवत आयिल्ल्या सारकें खर्शेवपाक लागलें. रजताक ॲक्सिडेंट बी जालो ना मूं? काय भुरग्यांकडेन झगडीं जावन भुरग्यांनी ताका मारलो बी ना मूं? काय खंय पडलो? दावें सुटिल्ल्या गायच्या पाडकासारके तागेले विचार उडक्यो मारूंक लागले.

तशेंच तें रस्त्यार आयलें. टॅक्सी केली. 'रांजणकार हास्पिटल' कशेबशें तें उलयलें. मनांत विचारांनी धुमशेणां घातिल्लीं. ताचें सगळें लक्ष रजताकडेन आशिल्लें. भायर काळोख दाट जातालो. निर्शेणी आयिल्ल्या सारकें ताणें फाटल्यान सिटार मान तेकयली.

***

अनघा हॉस्पिटलांत पावलें तेना सीताबाय तागेलीच वाट पळयताली.

''सीताबाय खंय आसा रजत,''अधीर जावन ताणें विचारलें.

''हांगा. हे सायडीन. रूम नं. सात. कवठणकार डॉक्टर आसात. तुमी आयल्यार बेगीन तुमकां घेवन येवपाक सांगलां. तशें भिवपाचें कांयच कारण ना म्हळां.''

तें धांवत रूमांत गेलें. रजत थंड न्हिदिल्लो. तकलेक बारीकशी बँडेज बांदिल्ली. बाकी बरो आशिल्लो. ताका एकदम बरें दिसलें. तें रजताल्यो पापयो घेवपाक लागलें.

''सीताबाय जालें तरी कितें?''

''हांव रजताक हाडपाक शाळेंत गेलें. पयलीं म्हज्या बरोबर येवपाकूच तयार ना. हांवें फुतलायलो. मागीर रडपाक लागलो. मम्मी-डॅडी खंय काय म्हूण विचारपाक लागलो. कसो तसो समजावन घरा हाडलो. सगळी वेवस्ता केली. केक टिपॉयचेर दवरलो. फुगे फुलयले. मेणवात्यो पेटयल्यो. आनी हांव रांदचे कुडींत आयलें. एकदम भायर आवाज जालो. कितेंतरी पडिल्लो. भायर येवन पळय जाल्यार केक सकल पडिल्लो. आनी रजत मोठ-मोठ्यान रडटालो. मागीर कित्या कितें बडबडपाक लागलो. मम्मी-डॅडी फटींग म्हणपाक लागलो. तसोच धांवत वयर टॅरेसीर गेलो. हांव सामकेंच भिलें. फाटल्यान हांव धावलें. म्हाका चुकोवन परत सकयल धावलो. सोपणां वयल्यान पांय निसरलो. गडगडत सकल पडलो. तागेल्या तोंडांतल्यान फेस येतालो. म्हजी भिवन सामकी गुळी. नेट केलो. ड्रायव्हराचे मजतीन हांगा हाडलो. कवठणकार दोतोर आशिल्ले म्हूण बरें जालें.'' सीताबायन एका झटक्यान सांगून उडयलें. पदरान ती घाम पुसपाक लागली. तितल्यान पावलांचो आवाज जालो. डॉक्टर कवठणकार भितर सरले.

''डॉक्टर भिवपा सारकें ना न्हय?'' ताणें विचारलें.

''ना.पूण माळयेवयल्यान पडिल्ल्यान मात्सो मार लागलो. तुमगेल्या चल्याची ही जी पळय केस आसा ती मात्शी मेंटल स्वरूपाची आसा. ताका मानसिक उपायांची गरज आसा. हांव ह्या मळार तज्ञ न्ही. पूण नाशिक सावन डॉक्टर भावे हांगा आयिल्ले आसात. कांय दिसां खातीर. हांव तांचेकडेन उलयलां रजताबद्दल. फाल्यां धा वरांचेर ॲपॉईंटमेंट आसा. रजताबद्दल फाटीं तुमी म्हाका जें सांगिल्लें तें सगळें तांच्या कानार हांवें घातलां. कसलेंय काम आसा जाल्यार फायच्या खातीर तुमी तें पयस दवरात. बाय द वे, संदीप खंय गेला?''

''अं... ते येतलेच आतां...'' ताणें कशेंबशें म्हणलें.

''सध्या भिवपाचें कारण ना. फाल्यां तुमी दोगांय डॉ. भावेंक मेळात. ओ के! बाय...'' डॉक्टर कवठणकार गेले. अनघा रजताचे फाटीर मायेन हात भोंवडापाक लागलें.

***

बरोबर धांक तीं दोगांय रजताक घेवन डॉ. भावेल्या कॅबिनाकडेन आयलीं. ताणीं दारार मारलें.

''येस कम इन.'' भावेन म्हणलें. तिगांय भितर सरली.

''हें पळयात मिस्टर ॲण्ड मिसेस भेंडे. म्हाका रजता कडेन मात्शें उलोवपाक जाय. तेन्ना तुमी दोगांय मात्शी भायरूच थांबात.. प्लीज....''

रजताक भितर सोडून तीं दोगांय भायर थांबलीं.

दोगांय आपापल्या विचारांत गर्क. अर्द वर अशेंच गेलें.

''येयात मिस्टर भेंडे. भितर येयात.'' दार उगडून भावेन म्हणलें. दोगांय भितर सरलीं.

''रजत तूं येदोळ म्हणटालो न्ही तुका बागेंत फिरपाक आवडटा म्हूण? वतलो तूं फिरपाक?'' भावेन म्हणलें. रजत पेपरवेटाकडेन खेळटालो. 'हय' ताणें एकदम मजेंत म्हणलें. डॉ. भावेन शिपायाक उलो मारलो.

''शंकर... आरे रजताक बागेंत फिरपाक व्हर पळोवया मात्सो... आनी रजत.. तुगेली मम्मी-पप्पा हांगाच आसात. कळळें?'' तकली हालयत रजत शंकराबरोबर भायर गेलो.

''हां... तर भेंडे... तुमच्या फॅमिली डॉक्टरान.. कवठणकरान म्हाका तुमच्याबद्दल सांगलां. तुमच्या चल्याचे हे अवस्तेक कारणीभूत तुमीच आसात...'' डॉ. भावेन ठामपणान म्हणलें.

दोगांय अजाप जावन डॉक्टराकडेन पळोवपाक लागलीं.

''अजाप जाय नाकात. ही वस्तुस्थिती आसा. हांव मात्शें स्पश्टच उलयतां. मनांक लावन घे नाकात. रजतालें जें वागणें आसा ताका सर्वस्वी तुमीच जापसालदार आसात. तुमगेल्या ऑफीसांतल्या कामांक लागून जो वेळ तुमी रजताक दिवपाचो तो तुमी दिवपाक अपेशी थारल्यांत. तुमी सदांच तुमच्या करिअराचेर लक्ष दवरलें. ही एक नवीनच मानसिक समस्या आज कालच्या ह्या भुरग्यांमदीं नदरेक पडटा. ताचें मुख्य कारण म्हळ्यार हीं भुरगीं स्वताक असुरक्षीत समजतात. शाळा सुटतगीर भुरग्यांक व्हरपाक उसरां येवप, घराकडेन तांचेर विशेश अशें

लक्ष ना दिवप, तांच्यो आवडी निवडी कितें तें जाणून ना घेवप.... हाका लागून तांच्या मनार एक वेगळो परिणाम जाता. स्वताक तीं आवय बापूय आसून अनाथ समजतात. तुमगेल्या रजताचे बाबतींत हेंच घडलां. तुमी हें सगळें कमयतात... कोणाखातीर? तुमगेल्या भुरग्या खातीरच न्ही? पूण पयशांपेक्षा ताका खरी गरज आसा ती तुमची. तुमगेल्या करीअराचो विचार तुमी सध्याक मात्सो कुशीक दवरात. ताका तुमचे मायेची, आपलेपणाची गरज आसा हाचें भान दवरात. बापायन भुरग्याक इतलें वयर धरचें की ताका पयसुल्लें दिसचें. अवयन इतलें म्हऱ्यांत घेवचें की ताका सुरक्षीत दिसचें. तुमी दोगांय घरा वचून थंड विचार करात आनी कितें करपाचें तें थारायात...' डॉ. भावे उलोवपाचे थांबले. ताणीं चश्मो काडलो. हारशे पुसले. परत चश्मो दोळ्यांर चडयलो.

''भायर पळयात...'' जनेलांतल्यान पळयत डॉ. भावेन म्हणलें. ''पळयात... रजत बागेंत कसो खेळटा तो. कारण ताका खबर आसा तुमी ताच्या आजुबाजूक आसा तें. आतां तुमकां भिवपाचें कायच कारण ना. ट्रिटमेंट थोडे दीस चालू दवरची पडटली. पूण सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हळ्यार तुमचें ताचे बरोबर आसप. तेन्ना कितें तें थारायात. ओके सी.यू...''

''थँक्यू... थँक्यू डॉक्टर...'' दोगांनी भावेंचो निरोप घेतलो. भायर सरलीं.

***

सपणां चडून अनघा ऑफिसांत आयलें. तागेलो बॉस सारंगपाणी पयलींच आयिल्लो. ताणें दाराचेर हातान थापटायलें.

''येस, कम इन...''

दार धुकलून अनघा भितर सरलें.

''यो... यो मिसेस भेंडे... कॉंग्रेच्युलेशन... पार्कसन्स अण्ड हॅण्डसन्स कंपनीची मिटींग तुमी यशस्वी केल्याबद्दल व्हडले सायब तुमचेर खूश आसात. घेयात...'' अनघाल्या हातांत एन्वोलप दियत ताणी म्हणलें. अनघान एन्वोलप घेतलो. पर्सीतल्यान कागद काडून ताणें बॉसाकडेन दिलो.

''हें कितें?''

''म्हजो राजिनामो...'' थंडपणान अनघान म्हणलें.

''रा... वॉट?...'' सारंगपाणी अजापीत जालो. ''आर यु शुअर? एकदां तो एन्वालोप फोडून वाच. तुगेल्या प्रमोशनाची ऑर्डर आसा. तातूंत ... जनरल मॅनेजराची प्रमोशन...''

''म्हाका आतां गरज ना सर...''

''मिसेस अनघा... भानार आसा तूं...?''

''येस सर.. हांवें जो निर्णय घेतला तो पूर्ण विचारान घेतला. इतले दीस भानार नाशिल्लें. आतां आयलें... थँक्यू... येतां हांव...!!''

झटक्यांत अनघा भायर सरलें. सोपणां देंवताना ताणें प्रमोशनाच्या ऑर्डरीचे कुडक्यान कुडके केले. वाऱ्यार भिरकटावन उडयले. कांय खीण तें वाऱ्यार उडपी कुडक्यांक पळयत रावलें. आनी मागीर येरादारीचें भान दवरून घरची वाट चलूंक लागलें....

– उदय नायक

नगर्से – काणकोण

गोंय

बिम्ब प्रकाशनाचीं नवीं पुस्तकां

तॉलस्तॉय	: रवीन्द्र केळेकार	मोल : १२० रुपया
बाकी विशेश	: दिलीप बोरकार	मोल : १०० रुपया
जाय काय जूय? (दुसरी आवृत्ती)	: दत्ता दामोदर नायक	मोल : १०० रुपया
आत्मभान (कादंबरी)	: सुजाता सिंगबाळ	मोल : २०० रुपया
स्वीकार (कथा संग्रह)	: सुजाता सिंगबाळ	मोल : १२० रुपया
काणी एका सुण्याची (बाल साहित्य)	: सुधा खरंगटे	मोल : १०० रुपया

पुस्तकां खातीर संपर्क करात :

फोन : २४३८३५५

ऑर्डर नोंद केल्यार आमी पुस्तकां घरपोच पावयतात

२५% सवलती सयत.

साहित्य अकादेमी पुरस्कार जैतिवंत जॅस फर्नांडीस हांची मुलाखत घेतना लेखिका रजनी भेंब्रे

आयज काळोक पेटला
एक व्हड आगटें जावन
जळून लासून वतात सगळे
सुक्या वांगडा ओलेंय लासतात
रसरसतात, कडटात
ओल्या वांगडा लोखंड लेगीत

अश्या उतरांनी आपली अस्वस्थताय उक्तावपी कवी जॅस फर्नांडिसांक अंदूचो साहित्य अकादेमी पुरस्कार फावो जाला. तांच्या 'किरवंट' ह्या कविता झेल्याक २००९चो पुरस्कार लाबला. ह्या निमतान तांचेकडेन वार्तालाप करपाचो योग आयलो. कुसमणच्या पांचव्याचार सैमाच्या गोपांत जॅसबाबाचें घर वसलां. हांव जेन्ना तांच्या घराकडेन पावलें तेन्ना जॅसबाबाले घरकान्नीन मिनाबायन म्हाका उर्बेभरीत येवकार दिलो आनी खोस परगटायली. जॅसबाबाली खोस तोंडार दिसताली. खुशालकायेन तांचें काळीज भरून आयिल्लें. नव्या वर्साचीं परबीं भेटोवन आमी मेकळेपणान उलयलीं. ताचोच हो सार.

हो पुरस्कार म्हज्या फावो त्याच पुस्तकाक योग्य वेळार लाबला.

- जॅस फेर्नांडीस

❀ नमस्कार जॅसबाब नव्या वर्साक येवकार दिवया.

❀❀ नमस्कार. नव्या वर्साक म्हाका बरोच येवकार मेळ्ळा.

❀ जॅसबाब तुमकां साहित्य अकादमीचो पुरस्कार फावो जाला म्हणून कळटकच तुमकां कशें दिसलें?

❀❀ पयलीं म्हाका सत दिसलें ना. जेन्ना फोन आयिल्लो तेन्ना हांव घरा नाशिल्लों. म्हजी घरकान्न मिनान फोन घेतलो. हांव घरा येतकच मिनान म्हाका रकाद दिलो, कीं दिल्लीच्यान फोन येवपाचो आसा. पुंडलीकबाबान घराच राव म्हणलां. आनी जेन्ना पुंडलीकबाबाचो फोन आयलो आनी ताणीं सांगलें म्हज्या 'किरवंट' कविता झेल्याक साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार फावो जाला तेन्ना खिणभर दिसलें, म्हजीं फकाणांबी करिनात मूं? पूण मागीर सत मानून घेवन विश्वास दवरलो. कडक वतांतल्यान येवन थंड उदक न्हातकच जी अवतिकाय जाता तशी कितेंशी म्हजी अवतिकाय जाली. म्हजे नदरे मुखार पाळोळें गांव फिल्म कसो चलूंक लागलो. म्हजें सगळें भुरगेंपण आनी जुवानपण पाळोळें गांवांतच गेल्लें. पिरायेचीं ३२ वर्सां हांवें पाळोळे गांवांत घालयल्यांत आनी म्हणूनच 'किरवंट' कविता झेल्यांतल्यो ७५ टक्के कविता थंयच्योच आशिल्ल्यान मन उचंबळून आयलें. खूब खोस भोगली.

❀ जॅसबाब तुमी बरपावळीकडेन कशे पावले?

❀❀ म्हजो बापूय बरो वाचक आसलो. वेवसायान रेंदेर आसून लेगीत ताका जेन्ना-जेन्ना पुस्तकां मेळटालीं, तेन्ना तो विकतीं घेतालो आनी वाटेर येतना कोणेंय पुस्तक मागलें जाल्यार दितालो. पूण तो जीं पुस्तकां घरांत घेवन येतालो तीं दुसऱ्यांक

कोणाकच दिना आसलो. आपूण वाचतालो आनी मागीर म्हाका वाचपाक दितालो. वाचल्यानंतर पुस्तकाचो सारांश देवनागरींत बरयले.

❀ मुखेलपणान तुमच्या बरपावळींत तुमी कसले विशय हाताळ्ळे?

❀❀ भायले सोडच पूण गोंयकारानीं आपल्या भावा भयणीचेर केल्लो अन्याय, पावला-पावलाक दिसपी कौटुंबीक संघर्ष, घुस्मटमार, पालक आनी भुरग्यांमदलें वेगळेपण, अनिती, दिसपट्ट्यो आशीकुशीक घडपी घडणुको आनी गरज पडल्यार देवाकडेनय कागाळी, अश्या विशयांचेर मनसोक्त बरयलां. जें कितें वायट दिसता तें पळोवन काळीज पेटून उट्टा आनी मागीर हातांत पेन येता.

❀ तुमचें शिकप पुर्तुगेजिंतल्यान आनी इंग्लेजिंतल्यान जावन लेगीत तुमकां कोंकणीचो मोग कसो लागलो?

❀❀ म्हजो बापूय इंग्लेज जाणा आसलो. पूण तो सदांच कोंकणी उलयतालो. मुखावेलो मनीस इंग्लेजींतल्यान उलयल्यार सुध्दां तो कोंकणींच उलयतालो. म्हाका बापूय सदांच सांगतालो तूं कोंकणीच उलय, कोंकणींतल्यान बरय आनी तेन्नाच तूं व्हड मनीस जातलो. रेंदेर काती घेवन वयर माडार चडून आपलें जिवीत सोदपाचो यत्न करता. तुका हांव पेन दितां, तूंय माडावरी वयर-वयर पावतलो. आयचे हे सुखदिणे घडयेक म्हाका बापायचीं उतरां याद जातात. कोंकणीनच म्हाका वयर काडलो ही खोस भोगता. जाणटेल्याच्या आशिर्वादान म्हजी लेखणी पर्जळ्ळी.

❀ तुमकां केन्ना बरोवपाक सुचता? वा, तुमी कित्या पासत बरयतात?

❀❀ कसलीय घटना घडली आनी जर काळजांत रिगली जाल्यार मन अस्वस्थ जाता आनी त्याच खिणाक हांव बरोवंक बसतां. दीस आसूं वा रात. झरझर मनांतले विचार कागदांत उतरायतां. बरोवन जातकच मन ल्हव जाता. बापायन सुध्दां कितें म्हणिल्लें वायट दिसलें जाल्यार हांव रोखडोच कागदार बरोवन, कागद बापायक दितलों म्हणून चिततालों, पूण थोडो वेळ वतकच म्हजो राग न्हिवतालो आनी बरयल्लो कागद हांव पिंजतालों. म्हजी अस्वस्थताय कवितेच्या वा कथेच्या माध्यमांतल्यान उक्ती जाता.

एक याद सांगतां. म्हजी पिराय सोळा वर्सांची आसली. आमच्याच सोयऱ्यांतलें एक चली आमचे बरोबर लिसेवा पणजे शिकतालें. खूब घमेंडी, स्वताकच व्हड समजुपी, दुसरो म्हणल्यार किंकोत. म्हाका ताचो राग येतालो. त्या खिणाक हांवें एक नाटकुलें बरयलें. ते चलयेचें नांव आसलें मोनिका डायस - पूण हांवें नाटकुल्याचें नांव बरयलें - माणिक मावशे की जय - तें नाटकुलें अजून म्हजे लागीं आसा, जें हांव प्रिंट करतलों. सांगपाचें म्हणल्यार राग उक्तायन दिसलेबरोबर पेन घेवन कागदार बरोवन काडप ही म्हजी संवय.

❀ कित्या खातीर तुमच्या 'किरवंट' कविता झेल्याक साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार फावो जाला अशें तुमकां दिसता?

❀❀ 'किरवंट' कविता झेलो कोडू सत, गोड सत, सुख-दुख, काळजाक पीळ घालपी कवितानीं भरिल्लो आसा. म्हज्यो कविता अणभवाचेर आदारिल्ल्यो आसात. काळजांत रिगिल्लें बीं, सारें, माती घालून

किल्लायलें. वाडयलें आनी म्हणूनच त्यो जिव्यो तटट्टीत दिसतात. म्हणून पुरस्कार दिवपाचे योग्यतेचो जाला जावंये.

❀ *हो पुरस्कार उसरां लाबला अशें तुमकां दिसना?*

❀❀ ना. हो पुरस्कार म्हज्या फावो त्याच पुस्तकाक योग्य वेळार लाबला. म्हजीं चडशीं पुस्तकां रोमीत आसात. तरी लेगीत देवनागरींतल्या म्हज्या पुस्तकाक हो पुरस्कार फावो करून अकादेमीन म्हाका उपकृत केला अशेंच हांव म्हणीन.

❀ *तुमचो आदर्श बरोवपी कोण?*

❀❀ पुर्तुगेजीन - लुईज द कामोईश. लिसेवा आसतना किंताना वेळार तांचे लुझीआदास - महाकाव्य तांची पयली पयली कादंबरी - क्रिस्तांव घराबो. तांची फामाद कविता - एव्हा मोरी. आनी पाळोळें गांवांतलो रेंदेर जुवांव फिलिप फेर्नांडीस. देवनागरी कोकणींतल्यान म्हाका मनोहरबाबान घडयलो. तांचो हांव व्हड उपकारी.

❀ *तुमी म्हणलें, रेंदेराचो तुमचेर प्रभाव पडलो. कशे तरेन?*

❀❀ रेंदेर देवाची भक्ती करपी, उक्ते मनाचो. उक्ते मळबावरी सदांच पयलो माडार चडटना माडाक खुरीस करतालो. आनी खुरसाचो उमो घेतालो. पयल्या खापार पांय दवरतकच गावपाक लागतालो आनी अशे तरेन ताचें गीत तयार जातालें. पयल्याच माडार चडटना तो म्हणटालो - ओ म्हज्या धनया, गोंयच्या म्हज्या राखण्या, पावलां म्हजीं राख गा, नांव तुजें घेवन, कृपा तुजी मागून माडार चडटां सायबा.

❀ *आयज मेरेन तुमचीं कितलीं पुस्तकां उजवाडाक आयल्यांत?*

❀❀ आयज मेरेन म्हजीं २९ पुस्तकां उजवाडाक आयल्यांत. तांतलीं फकत दोन नागरींत. पांयवाट आनी किरवंट. रोमींतल्यान - किरवंट, पुर्नजिवन आनी उरिल्ल्यो सगळ्यो कादंबरी.



❀ *आयजवेर तुमकां कसले कसले पुरस्कार लाबल्यात?*

❀❀ फा. थॉमास स्टीवन केंद्राचो, कला अकादमीचो आनी आयचो साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार लाबला.

❀ *नागरी आनी रोमी हाचे संबंदी तुमचे कितें विचार?*

❀❀ फाटल्यान पळयतां तेन्ना म्हाका रोमी दिसता. आयज चिततां तेन्ना देवनागरी दिसता आनी फुडाराचें चितता तेन्ना कळून येता आपलो फुडार घडयतलो जाल्यार देवनागरीकच आपणावंक जाय. कारण शिकपी भुरग्यांक नागरी शिकलीं जाल्यार हिन्दी, मराठीय आपसूक कळटा. गोंयांक तरी एस्.एस्.सीक हिन्दी हो अनिवार्य विशय आसा.

❀ *तुमकां बरोवपाचें काम करतना घरच्यांचें कशें सहकार्य लाबलां?*

❀❀ पुरायेन सहकार्य दिलां. घरकान्न मिना तशेंच म्हज्या पुतानीय आपआपले परीन सदांच आदार केला. पुतांचे नदरेन तर हांव एक व्हड मनीस. म्हाका केन्नाच कोणे दुखोंवना. एक वेळ असो आयलो कीं म्हाका दिसलें म्हजें बरोवप बंद केल्यार बरें. पूण म्हजें दुसरें मन सांगपाक लागलें, तूं फाटीं सरनाका. बरयत राव. एक ना एक दीस तूं जैतिवंत जातलोच आनी आज तो दीस उदेलो. म्हजे खोशयेचो दीस.

❀ *सरकारी कर्मचारी आशिल्ल्यान तुमी प्रत्यक्ष चळवळींत वांटेकार जरी जालेनात तरी साहित्य निर्मणी करून तुमी चळवळींतले एक आधारस्तंभ जाले अशें हांव मानतां आनी म्हणून विचारूंक सोदतां तुमच्या जिविताचो हेतू कितें?*

❀❀ जिवीत हें अथांग सागरा बशेन जावन आसा. तातूंत पेंवपाची उमेद, आस्त आनी उर्बा जाय. संकश्टां सामकार पावला कणकणी आसतात. तांतल्यान तड मारतलो जाल्यार जिणेच्या सगळ्या तासांची गरज

आनी अणभव जाय आसतात. सृश्ट निर्माण करपी आनी आपली अगाध लिला दाखोवन सृश्टी अजापांत घालपी, जाका आमी देव मानतात ताचेर म्हजी निश्ठा आसा. आपूण कितें करतलों आनी तें फळादीक जातलेंय हें कदापी शक्य आसना. पूण जो मेरेन तूं निश्टेन आनी पवित्र भावनेन तें काम करतलो तेन्नाच तें फळादीक जातलें. निश्टेन काम करप्यांच्या आदाराक ईश्वर सदांच येता. जाता जाल्यार जिवितांत बरें कार्य करचें पूण वायट केन्नाच करचें न्ही वा चितचेंय न्ही.

❀ *म्हाका दिसता हेच विचारान तुमी कांय धर्मिक पुस्तकांची निर्मणी केल्या जावंये?*

❀❀ हय. म्हजे साहित्य निर्मणेंत धर्मिक पुस्तकांय आसात देखीक - सिराक (Book of Sirak) जॉबाचें (Book of Job) म्हणीचें (Book of Proverbs) जाणवायेचें (Book of Wisdom) उपदिशकाचें (Book of Eeelesiastes). हीं पांचूय पुस्तकां रोमी लिपयेंतलीं. 'पवित्र पुस्तक' होली बायबलांत अणकार जाल्यांत.

❀ *तियात्र, खेळ-तियात्र हातुंतल्यान तुमी कसले विचार व्यक्त केल्या?*

❀❀ तियात्र, खेळ-तियात्रांतल्यानय हांवें जिवितांतल्या घडणुकांचेर उजवाड घालपाचो पवित्र यत्न केला. आमकां समजता पूण कांय गजाली प्रत्यक्ष जेन्ना आमच्या जिवितांत घडटात तेन्ना आमी त्यो आपणावंक फाटींफुडें जातात. आवयच्या गर्भांत जल्मल्लो भुरगो व्हड जातकच आपल्या जापसालकेक पाळो दिताच अशें नासता. समाजांत बऱ्यो घडणुको घडटात त्याय बरोबर नितिभायल्योय गजाली घडटात. खेळ-तियात्र, तियात्र अशी माची जावन आसा जे माचयेवेल्यान थेट भौसाकडेन संवाद सादप जाता. चडान चड लोकां मेरेन विचार पावोवप जातात आनी म्हणूनच हांवें खुबशे तियात्र बरयल्यात आनी खेळ-तियात्रय

समेस्त मनीस जातीकच हांव सांगूंक सोदतां - मनीसपण सांबाळात, मनीसपण राखात, मनीसपणान जगात, तेन्ना आमकां मनशांक देवाच्या पांयार घालून घेवचें पडचें ना.



बरयल्यात. म्हाका हांचें संकलन करून पुस्त रुपान हाडपाची इत्सा आसा. कांय तियात्रां पुस्तकां आसात पूण कांय अजू हस्तलिखितांच आसात. पळोवया देवाच्य मनांत कितें आसा तें?

❀ *तुमी मन काळजांतल्या समाजाच्या हिताचे नदरेन, साहित निर्मणेंतल्यान वावर करीत आयल्यात. तुमच्य ज्यो इत्सा आसात त्योय पुऱ्यो जातल्यो अश अपेक्षा बाळगुया. आतां मेरेन आमी गंभी अश्यो गजाली केल्यो. आतां म्हाका सांगा लिखाणा भायर तुमकां आनी कसली आवड आसा?*

❀❀ चित्रकला, झाडांचीं मुळां, खांवे आनी वयले चाराक उपेगी ना अश्यो दिसपी वस्तू वापरून शोभेच्यो तशेंच उपेगी वस्तूय तयार करप.

❀ *तुमचे आवडीची वस्त खंयची?*

❀❀ पेनाचेर हांव काळजांतल्यान मोग करतां. पेन मनशाक जोडटा आनी मोडटाय बी. पेनान म्हाका व्हड केला.

❀ *तुमचे आवडिचो जागो खंयचो?*

❀❀ जंय म्हजें भुरगेंपण, जुवानपणगेलां. जाणें म्हज्या कवी मनाक उर्बा दिली आनी म्हाका घडयलो तो म्हजो जल्मगांव पाळोळें.

❀ *आतां समेस्त गोंयकारांक तुमी कितें सांगूंक सोदतात?*

❀❀ समेस्त मनीस जातीकच हांव सांगूंक सोदतां - मनीसपण सांबाळात, मनीसपण राखात, मनीसपणान जगात, तेन्ना आमकां मनशांक देवाच्या पांयार घालून घेवचें पडचें ना.

❀ जॅसबाब तुमी मेकळेपणान आपलेविचार व्यक्त केले. आयच्या ह्या समयार तुमकां बरी भलायकी आनी तुमच्यो सगळ्यो इत्सा पुऱ्यो जावं अशें मागतां. तुमकां चड आनी चड देव बरें करूं म्हणटां.

इंद्रधोणू

सुनामी

आंब्यामुळांत न्हिदिल्ल्या कुत्र्यान एकदम मान वयर काडली. ताका जमनींतल्यान येवपी एकेतरेचीं कंपना जाणवलीं. ताणें शादूर जावन कंपनांचेर लक्ष केंद्रीत केलें.

पेल्यान झाडामुळांत एक गाय चरताली. चरताली कसली? कागदां चाबडायताली बाबडी. मनशांनी 'खावंक दवरलां तरी कितें? वता थंय कागदां आनीक प्लास्टीक. पियेतलीं जाल्यारय उदकाचो थेंबो ना. सगलें उदक पायपांतल्यान व्हांवयतात.

मनात विचार चालू आसतना ताका परत तीच कंपनां जाणवलीं. जमीन थरथरिल्ले भशेन जाताली. ताणें गायचे वटेन पळयलें. गायय चरपाची थांबून तकली वयर काडून पळयताली. दोगानींय एकमेंकाकडेन पळयलें. दोगांचीय दोळ्यांची भास एकमेकांक समजली.

हय. कितें तरी विपरीत घडटा.

कुत्र्यान सगल्यांक इशारो दिवंक तोंड उक्तें केलें. आनीक तेन्नाच दुसऱ्या एका कुत्र्याचो इशारो ताका आयकूंक आयलो. एकल्याचो येता म्हणसर दुसऱ्याचो आयलो. चारय वटेन कुत्रे तोंड वयर करून इशाऱ्यांचो आवाज काडूंक लागले. कुत्र्यांपरी कुत्रे, सवण्यांपरी सवणीं, माकडांपरी माकड.. सगळींच जनवरां एकमेकांक सादूर करतालीं. सगलेकडेन कुलकुलाट..

आतां आनीक दुबाव उल्लो ना. ताणें गायक पळयलें. गायन शिंगां हालयलीं. शेंपडी फांफुडली. आनीक ती चरपाचें सोडून चलूंक लागली, दोंगरावटेन.

सूंऽऽऽ करून एक बुकलो घराच्या जनेलांतल्यान उडी मारून भायर सरलो. झाडाच्या मुळांत बिळांतल्यान तकली भायर काडून पळोवपी हुंदराक मात्शें कच्च जालें. पूण बकुल्याचें ताचेर लक्षच नाशिल्लें. बुकलो धांविल्लो तो खंयतरी नाच्च जाल्लो. हुंदराकय ताकीत आशिल्ली भायर सरपाची. ताकाय कसलीतरी सुलूस लागिल्ली. त्या भायर भोंवतणचीं जनावरां तरेतरेन एकमेकांक कळीत करीत आशिल्लीं. जमनींतल्यान हळुहळू करून शेड्डे, शिल्ल्यो जिवाणीं भायर सरूंक लागिल्लीं.

झाडां एक्कय पान हालयनातसना ओग्गी उबीं आशिल्लीं. तांचे मोनेळ कुलकुल्यांपरस चड प्रभावकारी आशिल्ले. आपल्या आंगाखांदार, पायांमुळांत वावुरतल्या जनावरांक तीं मोन्यानी येता त्या संकश्टाची सुचना दितालीं. पूण दरएकलो प्राणी सादूर जालो, सोडून मनीस. मनशाक बुद्ध आशिल्ली. पूण तो फकत बुद्दीकच तोखेत रावलो. सैमांतल्यान मेळटात ते संदेश वळखुपाची ताची तांक केन्ना शेणली कोण जाणां!

सगलीं जनवरां दोंगरावटेन चलूंक लागिल्लीं तेदेवेळार मनशां आपलेच तंदरेंत आशिल्लीं. खावप, जेवप, नाचप, भोंवप आनी कितें आनीक कितें! सदांच आसा ताचे परस चड कशें मेळटलें? ह्याच विचारांत तांकां भोवतणच्या सैमाचें, जनावरांचें धंगण नाशिल्लें. ताका सैमाच्या मोनेळीचो अर्थ समजनाशिल्लो. सगळ्या जनावरांनी सुरू केल्ल्या प्रवासाचीय जाणवीकाय नाशिल्ली. जमनींतल्यान येवपी कंपनां, वातावरणांत भरून वतलो दर्याचो वास, पयसल्यान येवपी अनवळखी आवाज... तांकां कसलेंच धंगण नाशिल्लें. पूण दरएकलो आपलेच बढायेंत, आपलेच तंदरेंत.

जनावरां दोंगर चडूंक लागिल्लीं. अनवळखी आवाजाची तीव्रताय वाडत आशिल्ली. दर्याच्या खाऱ्या उदकाचो वासय खर जाल्लो. पूण सगल्या जनावरांक दोंगराच्या माथ्याचे दिकेन वचपाची प्रेरणा जाल्ली.

जनवरां दोंगरार पावलीं. सगले तरेचीं. तीं एकमेकांक मारून खावपी हाचीय जाणविकाय कोणाक जाली ना. वयर पावतकच कुत्र्यान फाटीं वळून पळयलें. आनीक ताका दिसलें तें सामकेंच अजापाचें आशिल्लें.

वणत कशी एक ल्हार दर्यांतल्यान मुखार सरतालें. पळोवंक संथ पूण केद्या खिणांत कितलेंशेंच मुखार पावतालें. ल्हार कसलें? सगलो दर्योच जसो उठून उबो राविल्लो. मेळत ताका पोटांत घालीत मुखार सरतालें. सैमाचें एक आकांताचें भिरांकूळ रूप.

मनशां आनीक मनशांचीं म्हजें तुजें करून सांबाळिल्लीं घरां दारां, शेतां,भाटां गिळीत दर्यो मुखार येतालो. हीं मनशां सगळी सृष्ट आपलीच, आपलेच खातीर अशें समजतालीं. हांकां खावंक, जेवंक, रावंक, भोवंक भूंय उणी पडटाली. झाडां, पेडां, दोंगर न्हयो हांकां आडखळटाल्यो. जाय तेन्ना जाय तशें कातरून, तोडून फोडून काडप हो तांका आपलो हक दिसतालो. जनावरांची तर तांका नसायच. फकत ताणी पोसल्यारच जनवरांनी जियेवंचें. नाजाल्यार मरून वचपाचें अशे कितेंशे तांचे विचार.

दोन पायांनी भोंवपाचें सोडून तरांतरांच्यो गाडच्यो घेवन भोंवताले. आनीक मदीं आयिल्ल्या जनावरांचो जीव घेताले. तांकां मोडून घालतालीं आनीक वेल्यान मदीं आयलीं म्हण तांकांच संवतालीं. सैमान दिल्ली बुद्ध हीं मनशां सैमाचेर अत्याचार करूंक वापरूंक लागिल्लीं.

पूण आज ह्या सैमाच्या रुद्रावतारांत असहाय जावन बळी गेल्लीं. जनावरांनी दोंगराच्या माथ्यार रावन सकयलो देखाव पळयलो. सगल्याक उदक भरिल्लें. तीं सगलीं सुरक्षीत आशिल्लीं कारण तांका सैमाच्यो कुरवो वळखूंक आयिल्ल्यो. सैमान दिल्ल्यो सुचना तांकां समजल्ल्यो. सैमान तांकां आपल्या रुद्रावतारांतल्यान तग मारूंक दोंगरार येवपाची प्रेरणा दिल्ली. अंतर्ज्ञान दिल्लें. कारण तीं सैमाचो आदर करतालीं. मेलीं तीं मनशां आनीक तांचेर अवलंबून आशिल्लीं जनवरां. मनशाचे नष्टे बुद्धीन तांचोय बाबड्यांचो जीव घेतिल्लो.

अत्याचार करपी मनशांक मात फावो तें मेळिल्लें.

सगल्या जनावरांनी सूऽऽ करून हुस्कारो सोडलो.

(श्री लंकेक सुनामी जाली तेदेवेळार खंय एकय जनावर मेल्लें मेळूंक ना अशें आयकतां.)

– किरण म्हांब्रे
२०६ कैलाश दर्शन,
आळें, मडगांव, गोंय
फोन : ९८२३५७६०९२

नव्या वर्सा संकल्प

म्हाका याद जाता म्हज्या भुरगेपणांत पापा (म्हजो बापूय) सदांच नव्या वर्सा एक जानेवारीक देवा मुखार हात जोडून नव्या वर्साचो नवो संकल्प करूंक लायतना. गेल्या वर्सा आपणें कितें कितें वायट केलां हाची याद करूंक लायतालो.

काल हांव मडगांवच्यान पणजे येतना दोन बायलो उलयताल्यो. २००९ वर्स कशें आनीक कितले बेगीन सोपलें तें. हांवेंय बारीक येवजीलें. खरेंच केन्ना सुरू जावन केन्ना सोपलें तेंच समजलें ना. नव्या वर्सा कांय इश्टिणींक हांवें परबीं दिलीं तें अजून याद जाता आनी देवा म्हज्या कशें सोपलें हें वर्स म्हणत काळजाकडेन हात वता. २००९ वर्स बरें वायट आनी नकलामीचें गांठवल सोडयतच सोपलें, आनीक २०१० वर्साच्या येवकाराक सगळींच लागलीं. उमेद, सूख समादान, बरी भलायकी, व्हड आयुश्य, मनासारकें जगप हें सगळें वांगडाच घेवन नवें वर्स येतलें ह्याच विस्वासार जगणें सुरू जाल्यार पुरो अशें सगळ्यांक दिसप साहजीकच आसा. पूण आमकां जण एकल्याक दिसूंक जाय की नव्या वर्साचो आमी जण एकल्यान संकल्प करचो म्हूण.

म्हाका याद जाता म्हज्या भुरगेपणांत पापा (म्हजो बापूय) सदांच नव्या वर्सा एक जानेवारीक देवा मुखार हात जोडून नव्या वर्साचो नवो संकल्प करूंक लायतना. गेल्या वर्सा आपणें कितें कितें वायट केलां हाची याद करूंक लायतालो. भोगसणी मागूंक लायतालो. आनीक फुडल्या वर्सा कितें बरे गूण आपणावंक जाय ते सांगतालो. आनीक हांव मग्न जावन करतालें.

दर वर्सा एक एक बरो गूण आपणायत तर तुजें जें आयुश्य म्हूण आसता तें सोपसर बऱ्या गुणांची शिदोरीच तुज्या वाट्याक तयार जातली. ह्या वर्स आमी जण एकल्यान आपणांक जाय तें संकल्प नव्या वर्सा निमतान करूं येता. हांव दर वर्सा प्रमाण नव्या वर्सा संकल्प करतलेंच तुमीय तुमकां जाय तो करात.

ह्या वर्सा हांवें थारायलां 'म्ह ज्या वेळाक जशें हांव जो वालोर दितां तसोच दुसऱ्याच्याय वेळाक दितलें' आजकाल जणएकल्याचो व्याप इतलो वाडला की कोणाकच स्वत:कडेन वेळ नासता. म्हज्या मतान आज पयशांपरस वेळाक म्हत्व चड दिवंक जाय. पयसो उसणो मागल्यार कोणाकडेन मेळूं येता. पूण वेळ कोणाकडेन नासता. तो मागल्यार मेळूं येना.

एकएकदां म्हज्याच सारक्या मनशाची परिस्थीती इतली जाता की घड्याळीच्या दोनी काट्यार म्हजे दोनय पांय दवरून वेळाखातीर जिणेची धांवपळ जाता, म्हूण हांव केन्नाय म्हज्या वळखीच्या, नात्यांतल्या इश्ट-इश्टिणींक सदांच म्हगेर येतना म्हाका फोन करून येवंक सांगतां. ना तर दारांत आयिल्ल्या मनशांक वेळ दिवंक म्हजेलागीं नासता. थोड्यांक संवयच आसता वा तांच्या रक्ताचोच गूण आसता की आपलीं घरांतलीं-भायलीं कामां जाग्यार घालून घोव बेकार जातगीर भायर सरतात. हांव म्हणना ही तांची वायट संवय म्हूण! ही बरीच संवय मनरिजवण करपाची. पूण त्या

आपल्या बऱ्या संवयेचें दुसऱ्यांक कितलें लुकसाण जाता तें ताणीं पळोवंचें. थोडीं तर दीस भरांत खंयच्याय वेळार भोंवडी मारतात. दुसऱ्यांचें तांकां पडिल्लेंच नासता. हांगा लागींच पाविल्लें म्हूण आयलें वा तुका अजापांत उडोवचें म्हूण आयलें म्हणपी ह्या जगांत लोक आसतात. तूं लागीं पावलां वा अजाप करपाक येता हो तुजो भाग जालो. तुवें ही अबुध्दीपणां करतना तूं कोणागेर वता हाचो विचार केला? ताचें कितें? हां त्या वेळार घराच ना तर पिडाच गेली. पूण समज जर तूं जांगेर वता तो मनीस त्या वेळार पुरोऽ जावन आयला वा तो दुयेंत आसा हें दुसऱ्यांक कळपाक नाका वा कसल्या तरी तो टेन्शनांत आसा आनी परक्यान वा भावंडानी न कळयतां निखाल्लस आयिल्ली ताका आवडना. वा केन्ना केन्नाय ज्या घरांत तुमी वतात त्याच घरांत फामिले भितर 'गेट टुगेदर' आसता. तातूंत तुमची जर भर जायत तर विचारूं नाका. हांगा जेवणाचो प्रस्न न्हय तर सवंकळीचो.

तेन्ना ह्या वर्सा हांवें नव्या वर्साचो संकल्प केला तो म्हळ्यार म्हज्या वेळाचें भान राखतना दुसऱ्याच्याय वेळाचो मान राखप.

केन्ना केन्नाय खूब वर्सांनी म्हजी इश्टीण म्हाका कळोवन येता आनी अकस्मात हांव आशिल्ले अवस्थेंत जर हीं न सांगपी मनशां आयलीं तर दुदांत मिठा खडो. खूब वेळां घराचो घरकार आपल्या कामावेल्यान आमोरेर पुरो जावन भितर सरला. ताका च्या दिवपाची म्हजी ही धावपळ वा आमीय कोणागेर वचपाचो बेत आखला. ताणीं यो म्हूण सांगिल्ल्या वेळार आमचीय तांगेर वचपाची तडजोड आनी आयच्या काळांत जण एका घराण्यांत कितें ना कितें आसताच. खंयच्या वेळार आयली रे ही पिडा अशें जावंक जायना. तरी म्हजी असलीं तोंड फटकळ म्हणटलींच 'तुमी फोन करून येवपाचें न्हय? तुमकांय बरो वेळ बसपाक मेळपाचें.' तीं कांयच म्हणनात. पूण आमी खंयतरी वतलीं हें जाणां जावनय खबरांचो खजिनो उगडून बसतात. वचपाचें नांव घेनांत. आनी तांकां धुकलूनय घालूंक शकनांत.

तेन्ना ह्या वर्सा म्हजो नव्या वर्साचो हो संकल्प बरो आसा. ताका लागून हांव दुसऱ्यांच्याय वेळाचें भान राखतलें. जणएका घरांत, जण एका कामांत, जण एकलो बुडिल्लोच आसता. एक एकदां म्हज्या सारको सकाळीं पाचांक उठ्टा तो रातच्या बारांक हातुणार पडटा. उठ्टा तेन्ना कोणाचें तोंड पळयल्लें काय दिसता. दिसभर घाण्यांक लायिल्लो जीव न कळयतां आयिल्ल्या सोयऱ्यांक येवकार दिवंक तयारच नासता. पयलीं तरी कोणागेर वतना चिटी धाडूंक जाय आसल्यो. आतांवरी सोय नासली. म्हणटगीर आतां वेळाक चड व्हालोर दिवंक जाय. अशें म्हाका तरी दिसता.

म्हूण म्हज्या मनांक दिसता जण एकल्यान आपल्या वेळाक म्हत्व दितना दुसऱ्याल्याय वेळाक म्हत्व दिवंक जाय. होच नव्या वर्साचो संकल्प हांवें थारायला. तुमच्याय जण एकल्याच्या मनांत कसलो ना कसलो तरी संकल्प थारलाच जातलो!

सगळ्यांचेंच जिणें धांवपळीचें जालां. तारेवयली कसरत जाता. खूब जाणांक, दादल्यांक तरी आपूण घरा दिसभर कामावयल्यान येतगीर भायल्या लोकांची कटकट नाका आसता. मन रिजवण करपाक तांकां फक्त आपली फामील पुरो आसता. न कळयतां येवप हें तांचें वा तिचें संस्काराचें लक्षण! तांची डिसेन्सी कळटा ती अशी.

तुमी सगळ्यांनीं नव्या वर्साचो संकल्प आजच केला आसतलो! हय हय केला आसतलोच!

हांवें केला! म्हजो वेळ सांबाळटना दुसऱ्याच्याय वेळाची पर्वा करतलें म्हूण.

तेन्ना म्हजो संकल्प फळाक येवं हीच इत्सा!

तुमकां सगळ्यांक नव्या वर्साचीं हुनहुनीत परबीं !

– सुफला रूद्राजी गायतोंडे
मिरामार – पणजे.
मो. – ९८२३१११९१७

पडवेर

चूक कोणाची?

आयताराचो दीस आसलो. मनासारकें नुस्तें हाडटलें म्हूण हांव, घोवा बरोबर नुस्त्या बाजारांत गेलें. आमच्याच शाळेंतल्या भुरग्यांचो एक पालक थंय मेळ्ळो. सामको थतर-वितर जाल्लो. हरशीं कणखर सभावाचो. जिणेकडेन धडपडपी. आपल्या भुरग्यांक जिवापरस चड माया करपी. दर एका बापाप्रमाण भुरग्यांचे भावी जिणेचीं सपनां रंगोवपी. हासत्या तोंडाचो. म्हाका पळयना बरोबर ताचे दोळे भरून आयले. म्हणपाक लागलो. ''मीस तें गेलें. इतलें सांगून सुद्दा तें पळून गेलें आनी लग्न जालें.''

आपल्या धुवेच्या दुखान हताश जाल्लो बापूय आज म्हज्यामुखार उबो आशिल्लो. जिवांत प्राण आसून लेगीत नाशिल्ल्याभशेन! कथेंत खूब वाचिल्लें पूण आज प्रत्यक्षांत ताची ती अवस्था अणभवतालें. ताची ती अवतीकाय पळोवन म्हज्या पांयांसकयली जमीन हाल्ली.

त्या दिसा हांव खूब अस्वस्थ जालें. घोव-बायलेच्या मोगाचें प्रतीक म्हूण भुरगें जल्माक येता. कुसव्यांत आसतनाच आमी ताचे लाड करतात. आपल्या भुरग्यांक कांयच जावंचें न्हय म्हूण आवय आपल्याक खूब जपता. आनी जेन्ना जल्माक येता तेन्ना ताची अपूर्बाय करपाक तिका पुरो जायना. तुस्त करपाक तिचें तोंड वळना.

जगांतलें सगळें सूख तांकां मेळचें म्हूण आवय-बापूय खूब धडपडटात. प्रत्यक्षांत आपल्या पोटाक चिमटो काडून ताका बरें बरें खावयतात. आपलें कलसांव खूब पोन्ने जालां, जोतें झरलां हें बापूय विसरता. पूण आपल्या भुरग्यांक कपडे हाडपाक तो विसरना. भुरगो सशक्त जावंचो म्हूण आपले कुवतीप्रमाण बऱ्यांतलें बरें खाण ताका खावयतात.

अशे तरेन तो आवय-बापायच्या मायेच्या उबेंत वाडटा. शिक्षणाचे बाबतींत तर काटकसर करपाक तीं कशींच तयार नासतात. ताका बऱ्यातलें बरें शिक्षण मेळचें, बरी नोकरी मेळची हो तांचो हावेस .

जसजसो भुरगो वाडटा तसतशे तांचे विचार बदलतात. प्रत्येक वेळा अशें करूं, तशें करूं विचारपी भुरगीं स्वतंत्र विचार करपाक लागतात. आपले निर्णय आपूण घेवपाक लागतात. आवय-बापायक खोशी जाता. आपलें भुरगें गिन्यानी जालां, स्वताच्या पांयांचेर उबें आसा म्हूण तीं भितरल्या भितर मुरगट्टात.

हळुहळू ताचो असो समज जाता की आपले जिणेविशीं निर्णय घेवपाचो अधिकार फक्त आपलो. आपली सहचरिणी वा जिवनसाथी हांव सोदून काडटलों. तो निर्णय म्हजे नोकरी बाबतींत बरोबर आसा. थंय वायट बरें तांकां सोसचें पडटा. लग्नाचे बाबतींत पुतान वा धुवेन आपल्याक सांगून निर्णय घेवंचो अशें आवय-बापायक दिसता. हांगा लग्न जावन दोन व्यक्ती एकठांय जायनांत. दोन घराण्याचें तें मिलन आसता.

प्रत्येक आवय-बापायक आपलें चली बऱ्या घराब्यांत लग्न जावंचें, भुरगो निर्व्यसनी आसचो अशें दिसता. इतली जर तार्णी अपेक्षा केली तर तांचें कितें चुकलें?

आमचो शाणूबाब भाटांत वावर कर, पाडो कर, आळीं काड अशें करून आपलें आनी आपल्या घराण्याचें पोट भरता. अपुर्बायेची एकलीच धूव आनी एकलोच पूत. खूब दिसांनी एक दीस अचकीत दारांत उबो. सदचे भशेन हांवें फकांडां केलीं ''कितें शाणूबाब दुबय वचून आयलो? कितले दीस भेटूच ना! ''जाप येना म्हूण हांवें ताच्या तोंडाकडेन पळयलें. हाचें तोंड पडलां ''कितें जालां रे?'' हांवें विचारलें. ''बाय, चली पळून वचून लग्न जालें''. हांवे म्हळें, ''भुरगो बरो आसा मरे?''. ''कितें सांगू? म्हजें नशीब भुरगो सामको बेबदो. एक दीस काम करता, दोन दीस सोरो पिता. घात घेतलो म्हजो, म्हजे धुवेन. आवयन हांतरूण धल्लां. हांवूय बरो नासलों.'' हें आयकून म्हजी वाचाच बंद जाली.

भुरग्यांनी आपले आवडटे व्यक्तीकडेन लग्न जावंचें पूण ती व्यक्ती निर्व्यसनी आसा, आपूण ताचेकडेन सुखान संवसार करूंक शकतलें हाचो विचार करप खूब गरजेचें. ज्या आवय-बापायन आपल्याक तायटावयलो फोड कसो जपलो तांका आपूण सुखी ना जाल्यार त्रास जातलो इतलो विचार करपाची क्षमता तांच्यांत आसूंक जाय. एक वेळ भुरगीं आवय बापाय शिवाय रावत पूण आवय बापूय तांच्याशिवाय रावपाकूच शकना.

नोकरीच्या निमतान म्हणात वा संवसाराच्या व्यापा-खातीर म्हणात भुरगीं आनी पालक हांचें नाते पयसावपाक लागलां. ताका गरज आसा समंजसपणाच्या दोराची. भुरगीं आवयबापायच्या सान्निध्यांत आशिल्ल्या कारणान आवय बापायच्यो अपेक्षा तांका कळटात. तेचप्रमाण भुरग्यांच्यो आवडीनिवडी जल्मदात्याक खबर आसतात. अशा वेळार ताणून धरपाक अर्थ नासता. एकामेकांचीं मनां सांबाळ्ळीं जाल्यार भुरग्यांची आवय बापायकडल्यान अर्थ अपुर्बाय जातली आनी आवय बापायची भुरग्यांपासून ताटातूट जावचिना.

हे नात्याचे धागे नकसूदपणान काळजांत विणिल्ले आसात. तांकां खूब जपचें पडटा. जर तुटले जाल्यार भितरल्या भितर घुस्पतात आनी त्याखातीर आमची जीण बेरंग जाता. जिणेकडेन पळोवपाचो उत्साह मरून वता.

– कुसुम अग्रवाल
सडयें, शिवोले.
फोन :२२७२०२१

मोतयांची माळ

वयल्यान ताईबायन भायर येवन तांगेर सरबताचीं फळां म्हळ्यार पॅशन फ्रूट जातालीं तींय व्हर म्हळें. घरा येवन ही गजाल हांवें आजयेक सांगली. मागीर केन्नातरी ती ताईबायगेर गेली तेन्ना ही खबर आयली. तेन्ना ताईबायन आजयेक म्हळें खंय, आगो, तांका पळोवन म्हाका म्हज्या भुरगेपणांतली याद आयली. तोरां, बिमलां पळयतकीच आमचेय जिबलेक अशेंच उदक सुट्टालें. तें आयकून ताईबाय म्हाका आमचे वरींच भुरगी कशी दिसली.



नव्या घरांत रावपाक वतालीं तेन्ना पोरण्यो पोटल्यो उस्तून पळयतालीं. तांतून म्हाका म्हज्या भुरगेपणांतली एक पोती मेळ्ळी. पोती म्हज्या पोरण्या व्हिस्तीदांची. बरो काश्मिरी टाक्यान भरिल्लो व्हिस्तीद. मडगांवा जार्दीनात खेळूंक गेल्ले कडेन घसरगुंडेचो पत्रो लागून पिंजिल्लो. त्या व्हिस्तीदाची म्हजे मावशेन म्हाका सोबीत पोती शिवून दिल्ली. आज इतल्या वर्सांनी पोती हातांत मेळतकीच हांवें तातुंतल्यो वस्तू भायर काडल्यो.

....आनी कितें, हांव पळयतच उरलें. भुरगेपणांतलो जिवापरस चड जपिल्लो खजिनो. अलिबाबाची घोल म्हळ्यार जाता. मोराचीं, पोपटाचीं पिसां, चॉकलेटीचीं चकचकीत कागदां. भायल्या देशांचे स्टॅम्प्स. इश्टिणीच्यो चिटयो. तांबड्यो गुंजो. जांबावले पाण्ट्यावयले पुंजायल्ले वाटकुळेच धवे फातर, वेळवयल्यो घुलो, मणयांच्यो माळो, रिबिनां. गोश्टींचीं पुस्तकां. चेराच्यो रिकाम्यो बाटल्यो. अमिताभ बच्चनाचे फोटो....हातुंतली एक एक वस्त म्हळ्यार म्हज्या काळजाचो कुडको. दर एका कुडक्यांत म्हज्यो यादी घुस्पल्यात. भुरगेपणांत कोणेंतरी म्हाका तांका नाका म्हणून मोराच्या पिसांचो आयणो दिल्लो. तातुंतलीं बरीं बरीं मोरपिसां काडून हांवें सांबाळून दवरलेलीं. थोडीं इश्टिणींक दिल्लीं. आमच्या मागिलदारा माडांचेर कीर येवन बसताले. तांचीं पिसां हांगा थंय पडिल्लीं मेळटालीं. तीं पुंजावन पुंजावन हांव दवरतालें. चॉकलेटींचीं चकचकीत कागदां पळोवन म्हाका हांसूंक आयलें सादीं रूप्या कोराचीं कागदां-- आतां चॉकलेटीचीं रंगरंगयाळीं कागदां हांव सोमतींच कोयराचे पेटयेंत उडयतां आनी हीं इतल्या वर्सांपयलिंचीं सादीं रूप्या कोराचीं कागदां हांवें सांबाळून दवरल्यांत. मणयांच्यो माळो तर कोणें कोणें त्या त्या जाग्याची याद म्हणून हाडिल्ल्यो. इश्टिणीचे आवयन नेपाळच्यान हाडिल्ली बारीक पिड्डुकांची माळ. मामान कन्याकुमारीच्यान हाडिल्ली शंखांची माळ, आवयन तिरूपतीच्यान हाडिल्ली तांबड्या मण्यांची माळ. ह्यो माळो पळयतना म्हजें अमुरपिकें भुरगेंपण म्हजेकडेन पळयत मुमुरखें हासूंक लागलें.

तांबड्यो गुंजो पळयतना, त्यो पुंजायतना जाल्लीं झगडीं याद जालीं. मडगांवां जार्दीनामुखार आतां कलेक्टर ऑफिस आसा ताचे फाटल्यान एक तांबड्या गुंजांचें झाड आशिल्लें. कसलें झाड कोण जाणां. पूण ताचे सकयल तांबडयो बियो कश्यो गुंजो पडिल्ल्यो आसताल्यो. थंय आनी आमी कित्याक वतालीं तें मात म्हाका आतां याद जायना. घडये जार्दीनांत खेळपाक वतालीं तेन्ना मुद्दम गुंजो पुंजावपाक वतालीं जावंये!

गुंजोच कित्याक , आमकां बोरां, राजआवाळे, चिंचो, बिमलां हांचीं झाडां कोंबावाड्यार खंय आसात तीं जुस्त खबर आसतालीं. म्हजो पिनोफोर कसो व्हिस्तीद आशिल्लो. ताका भितरल्यान लांबची लांब

बोल्सां कशीं आशिल्लीं. तातूंत भितर पुंजायल्लें सगळें भर. कोणाक जाग माग लागनाशिल्ली. सद्दां व्हिस्तीदाक दाग घालून येता म्हणून आमची वावराडी कमल बोवाळ मात मारताली. एक दीस पेडांतले एके इश्टिणीन सांगलें, तांचे घरांकडेन राजआवाळ्यांनी भरिल्लें एक झाड आसा. थंय पावतकीच पळयत जाल्यार आमचेपयलींच कोणेतरी आवाळे बुड्डोवन व्हेल्यात. मागीर दुसरे एके इश्टीणीन सांगलें, दामोदर शाळेकडेन बिमलांचें एक झाड आसा म्हणून. आमची भुरावळ थंय गेली. पळयत जाल्यार तें घर ताईबाय सरमळकारालें. ताईबायचे घरकार अण्णा सरमळकार म्हजे आजयेचे मावशेभाव. आजयेबराबर हांव ताईबायगेर खूब वेळां गेल्लें. तांचे घराभोंवतणी व्हडलें दुरीग. उडकी मारून लेगीत भितर वचपाक कशेंच मेळचें नाशिल्लें. तरीय आमी एक एकटीं आमच्यान दुरगार चडपाक जातलें काय म्हणून उडक्यो मारून पळयतालीं.आमी उडक्यो मारतात तें ताईबायन भितरल्यान पळयलें. तांगेली वावराडी भायर आयली आनी तिणें सांगलें ताईबायन तुमकां जाय तितलीं बिमलां व्हर म्हणून सांगल्यांत. मागीर आनी आमी आयकतात! सामकीं गेटींतल्यान भितर सरून बिमलां काडलीं तीं काडलीं!

वयल्यान ताईबायन भायर येवन तांगेर सरबताचीं फळां म्हळ्यार पॅशन फ्रूट जातालीं तींय व्हर म्हळें. घरा येवन ही गजाल हांवें आजयेक सांगली. मागीर केन्नातरी ती ताईबायगेर गेल्ली तेन्ना ही खबर आयली. तेन्ना ताईबायन आजयेक म्हळें खंय, आगो, तांका पळोवन म्हाका म्हज्या भुरगेपणांतली याद आयली. तोरां, बिमलां पळयतकीच आमचेय जिबलेक अशेंच उदक सुट्टालें. तें आयकून ताईबाय म्हाका आमचे वरींच भुरगी कशी दिसली.

सुटयेंतली आमची हक्काची सुवात म्हळ्यार मडगांवचें जार्दीन. जार्दीनांत तेन्ना मेरी-गो-राऊंड आशिल्लें. ताचेर, घसरगुंडयेर नाजाल्यार झोपाळ्याचेर आमी झोपय मारतालीं. चारांक जार्दीनांत येतालीं तीं बद्द सातांक घरा वतालीं. तेन्ना हांव पाचवे सवेक आसतलें! जार्दीनांत पावपाक हाडपाक कोण येनाशिल्लीं. वाड्यावयलीं सगळीं भुरगीं एकठांय जावन येतालीं वतालीं. तेन्ना थंय चार आण्याची हिमालयाची आयस्क्रीम कॅन्डी, १५ पयशांचो चॉकलेट आयस्फ्रूट नाजाल्यार धा पयशांची सोनयाळ्या चण्याची भेळ मेळटाली. तेदेवेळार हे जिन्नस खावप म्हळ्यार आमचेखातीर व्हड गजाल. मातशीं व्हडलीं जातकच कोलव्यां देखून एकटीं वतालीं. लोहिया मैदानाकडल्यान कोलवेंच्यो बशी सुट्टाल्यो. एक दीस दनपरां बेगबेगीन जेवन बस स्टॉपार धांवून आयलीं. पळयत जाल्यार बस ना. दुसरी बस येवपाक अर्द वरांवयर वतलें म्हणून कळळें. आमचेर तर बेगीन पावपाचो भार आयिल्लो. तशींच चलत सकयले बाजारांत आयलीं आनी कोलवेंचे वाटेक लागलीं. अर्दी वाट बरी उमेदीन नाचत नाचत चल्लीं. मागीर कदम कदम बढाये जा ची उमेद मावळळी. पांयांत गुळे आयले. इगर्जेकडेन पाविल्लीं. इतल्यान आमच्या शेजाऱ्याली टॅक्सी दिसली. ती कोणांक तरी पावोवन परती येताली. तांचो ड्रायव्हर आमकां वळखतालो. ताणें आमकां कोलवेंच्या वेळेर पावयलीं. बरीं उदकांत खेळळीं. न्हालीं देखून. न्हातना म्हज्या पांयांतलें एक पांयजण खंय तरी शेणलें. म्हाका रडपाक येवंक लागलें. सोदून सोदून एकदाचें कोणाक तरी मेळळें. वेळेर माणोयो, घुलो पुंजायल्यो. आयस्क्रीमाच्या गाड्यावयले कोन आयस्क्रीम खाले आनी घरा आयलीं.

तेदेवेळार टिव्ही नाशिल्ले. थिएटरान वचून सिनेमा पळोवपाक आमकां कसलेंय निमित्त पुरो आशिल्लें. परिक्षा सुरू जातली, मागीर सिनेमा पळोवंक मेळचोना म्हणून एक पिक्चर पळोवन येवप. तशेंच परिक्षा सोंपली रे सोंपली सोमतीं तिनाचो शो पळोवपाक थिएटरांत. विशांत, मेट्रोपॉल, सिने लता खंयच्याय थिएटरांत. विशांतांत तिनांचो शो आसलो जाल्यार जेवन भर दनपारच्या कडार वचचें पडटालें झरीकडल्यान वयर सरून पाजी फोंडांतल्यान कार्मेल मोनेस्ट्रींत भितर सरून सोपणां देवून विशांताकडेन पावतालीं. अशींच एकदां 'आ गले लग जा' पिक्चराक गेल्लीं. तातूंत 'ओ मेरे बेटे, क्यों रोते' अशें एक पद आसा. तें पळयतना म्हजे एके इश्टीणीक सामकें रडूंक येवंक लागलें. आमकां तेकून कोणतरी चले बशिल्ले. ताणीं सोमतेंच 'ओ मेरी चेडवां, क्यों रोती...' म्हणपाक सुरू केलें. आतां आमी सगळ्यो इश्टिणी एकठांय येतात तेन्ना ही याद काडून काडून हांसप जाता .

सकयल्या बाजारांत कोलव्यां वता ते वाटेर एक भाट आशिल्लें. म्हळ्यार अजूनय आसा. थंय बांदार अशें म्हणटात. आमचीं येदीं व्हडलीं चौवक्यांचीं घरां आसतना आमी बेश्टींच पुस्तकां घेवन थंय अभ्यासाक म्हणून वतालीं. पुस्तकां थंयच दवरून थंयच्या व्हाळांत नुस्तीं भोंवतात तीं पळोवप. बाटली उदकांत घालून, तातूंत नुस्तीं धरप. थंयचे माडांचेर'हाचीक'नांवाचो एक रेंदेर सूर काडपाक चडिल्लो आसतालो . माडार चडटना तो कातारां म्हणटालो. 'हाचीक दुरगा कुशीक' म्हणून ताका सगळीं भुरगीं चाळयतालीं. मागीर फकाणांनी तो तांचे फाटल्यान धांवतालो.

म्हज्या जिवीतांतले बारा-तेरा वर्सांमेरेनचे हे मोतयाळे खीण. हातुंतलो एक एक खीण म्हळ्यार एक एक मोती. आतां केन्नाय फाटल्यो यादी उस्तीतना हाताक हातुंतलो एक एक मोती लागता. आनी हीं मोतयां यादींचे दोरयेंत गुंथून गुंथून मोतयांची माळ जाता. हांव ही माळ म्हजे काळजांतले तिजोरेंत सांबाळून दवरता.

- हर्षा शेटये
कृष्णप्रेम, अंबाजी,
फातोड्डे-गोंय
फोन-९८५०५३०१५२

शब्दफूल

मनातलं आकाश हो गुलाब अनिल वेर्णेकार हांचो नवो मराठी कव्यसंग्रह. तांच्या आयुश्यांतल्या संगर्शात्मक खिणांनीं तांकां जायत्यो कविता दिल्यात. तर केन्ना वास्तवाचें दुस्ख विसरपाक आपणें उतरांकडेन मैत्री केली अशें गुलाब ह्या पुस्तकांतल्या कवितांविशीं सांगता.

गुलाबाच्यो ह्या कवितासंग्रहांतल्यो कविता म्हळ्यार ताच्या संवेदनशील मनाची गवाय. तरल भावना आनी ल्हवपीक कल्पना गुलाब अळंगपणान शब्दांतल्यान उक्तायत वाचकांमेरेन व्हरता.

७४ पानांच्या ह्या पुस्तकांत गुलाब वेर्णेकार हांच्यो ४४ कविता आसात. हें पुस्तक कामाक्षी पब्लीकेशन, शिरोडा हाणीं प्रकाशीत केलां. सुरेश फडते हांचें मुखपृश्ठ आसा. मोल जावन आसा १२० रुपया.

साहित्यिक दिलीप बोरकार हांचें कवीश्रेश्ठ बाकीबाब बोरकार हांच्या जन्मशती महोत्सव सुवाळ्याच्या आरंबाकूच बाकीबाबांच्या कवितांचेर आनी जिवनाचेर आयिल्लें पुस्तक म्हळ्यार बाकी विशेश.

ह्या पुस्तकांत बाकीबाबांचेर सात लेख आसात. पयल्या लेखांत बाकीबाबांकडली लेखकाची वळख, तांच्या सांगाताक घालयल्ले दीस, दुसऱ्या लेखांत काव्यांतलो अध्यात्मवाद, तिसऱ्या लेखांत सामाजीक जाणविकाय, मराठी काव्यसृश्ठ, हिन्दी कविता हाची लेखकान वळख घडयल्या.

८२ पानांचें हें पुस्तक म्हळ्यार, बा. भ. बोरकार हांच्या जन्मशताब्दी वर्सांतलें एक मोलादीक पुस्तक अशें म्हणूं येता.

बिम्ब प्रकाशनाच्या ह्या पुस्तकाक गिरीश बोरकार हाणीं मुखपृश्ठ तयार केलां. मोल जावन आसा १०० रुपया.



तुकाराम रामा शेट हांचो मनमोतयां हो नवो निबंद संग्रह हालींच उजवाडाक आयला. तुकाराम रामा शेट हे कवी, कथाकार आनी कादंबरीकार म्हण प्रसिध्द आसात. मनमोतयां ह्या तांच्या निबंदांतलें लिखाण हें आगळें वेगळें. निबंद म्हणचो तर निबंद न्हय, कथा म्हणची तर कथाय न्हय आनी वैचारीक स्वरुपाचे लेख म्हणचो तर तशेंय न्हय. पूण ह्या सगल्यांचें मिश्रण जातूंत आसा अशें हें कलात्मक ललित लेखन. ह्या लेखांनी तुकारामबाबांतलो कवी दिश्टी पडता, कथाकारूय झळकता आनी विशेश म्हळ्यार वैचारीक तांकीचो जिवनाचो भाश्यकारय आपणालें दर्शन घडयता अशें ह्या पुस्तकाक प्रस्तावना बरोवपी नागेश कर्मली म्हणतात.

११६ पानांचें हें पुस्तक कोंकणटायम्स पब्लिकेशनान उजवाडाक हाडलां. पुस्तकाचें मुखचित्र गौरीश वेर्णेकार हाणीं सोबीत रुपान केलां. मोल आसा १६० रुपया.



माया अनिल खरंगटे हांचो नवो कथा संग्रह जो हालींच उजवाडाक आयला तो म्हळ्यार मृगजळ. हो संग्रह राजाई प्रकाशनान काडला आनी हातूंत वट्ट सोळा कथा आसात. माया खरंगटेन हो संग्रह ज्ञानपीठकार रवीन्द्र केळेकार हांकां ओपला.

आशयसुत्रां आनी अस्तुरी प्रधान कथावस्तू केळोवपी पुरोगामी कथाकारांमदीं माया खरंगटेन आपली खाशेली सुवात सुगूर केल्या. स्त्री-सुलभ ममत्व, विचारीक अनुबंध आनी मानववादी दिश्टीकोन हीं तिगेल्या सर्जनात्मक दिश्टाल्याचीं मुखेल तासां अशें किरण बुडकुले तांच्या साहित्याचेर बरयतात.

पुस्तकाक गौरीश वेर्णेकाराचें सोबीत मुखपृश्ठ आसा. पुस्तकाचें मोल १४० रुपया.

गोवा कोंकणी अकादेमीच्या सभाघरांत 'मनमोतयां' पुस्तक लोकार्पण करून कार्यावळींत उलयतना मुखेल सोयरे नागेशबाब करमली. वांगडा दावे वटेंतल्यान स्वातंत्र्य सैनिक मधुकर शेट, मुखेल उलोवपी रमेश वेळुस्कार, कार्यावळीचे अध्यक्ष एन् शिवदास, पुस्तकाचे लेखक तुकाराम शेट, सूत्रसंचालक सुनील पालकार.

साहित्याचेर अभ्यासात्मक चर्चा जावंची : करमली

तुस्ती वांगडाच साहित्याचेर अभ्यासात्मक नदरेन चर्चा जावप गरजेचें आसा अशें मत कोंकणी कवी आनी सुटके झुंजारी नागेश करमली हाणीं हालींच एका सुवाळ्यांत उक्तायलें. तुकाराम शेट हांच्या मनमोतयां ह्या ललित लेखांच्या संग्रहाचें प्रकाशन केल्या उपरांत ते उलयताले. पणजे हांगा गोंय कोंकणी अकादेमीच्या सभाघरांत ही कार्यावळ जाली.

साहित्यिकांनीं आजमेरेन कोंकणी भाशेक आनी साहित्याक कितें योगदान दिलें? ताका प्रेरणा खंयच्यान मेळ्ळी? हाचेर चर्चा जावंक जाय. कोंकणी भाशेंतल्यो म्हणी वापरांत येवप गरजेचें अशेंय ताणीं सांगलें.

तुकाराम शेट हांच्या सारक्या लेखकान गांवच्या परिसरांतली कोंकणी भास जिवी दवरली आनी शारांनीं नानपयत जाल्लीं उतरां ताणीं आपल्या साहित्यांतल्यान लोकां मुखार दवरलीं अशें सांगलें.

कवी रमेश वेळुस्कार हाणीं पुस्तकाचेर आपले विचार मांडले. लेखकाचे वळवय गांवच्या आनी मांडवी न्हंयच्या फाटभुंयेवयले ललित लेख उत्कृश्ट म्हणपाचें ताणीं सांगलें.

एन्. शिवदास तशेंच लेखक तुकाराम शेट हाणीं आपले विचार मांडले. कार्यावळीचें सूत्रसंचालन सुनिल पालकार हाणीं केलें.

राजा हरिश्चंद्राचो श्रीमंत अवतार

तर ह्या वर्सी बाबल्या गावकारान् अशा हौशी तरूण पॉरांका पारावर जमवल्यान् नी गावावर यंदा ओढावलंला धयकाल्याच्या नाटकाचा संकट सांगल्यान्. पन बाबल्याची आनी अख्ख्या गावाची काळजी येका फटक्यात दूर जाली. कारण गावची पॉरा नाटक करूक गावतंला म्हणान् भलतीच खूस झाली. नाटका म्हंजे कोकणाचो जीव!



त्रिपुरारी पुर्णिमा सपली की कोकणात, खासकरून सिंधुदुर्ग जिल्ल्यात 'धयकाले' सुरू होतंत. ह्या पुर्णिमेक् लॉक टिपराची पुर्णिमा म्हणतंत आनी धयकालो म्हंजे 'दहीकालो'. ह्या धयकाल्यांचा म्होटा आकर्शण म्हंजे त्यादिशी रात्री होणारी दशावतारी नाटका. ही नाटका करणारी अनेक मंडळा/कंपनी आसत. म्हंजे असा की, कळींगण कंपनी, वालावलकर कंपनी, गोवेकर कंपनी वगैरा, वगैरा. त्याच्यातल्या परत्येक कंपनीचे 'धयकाले' करूचे गाव ठरलंले आसतंत. त्या त्या गावात ते त्यादिशी सकाळीच आपले पेटारे उतरंवतंत. हे पेटारे म्हंजे त्यांच्या रंगाचा सामान, कपडे, शस्त्रा-अस्त्रा आसणारी फत्र्याची नायतर बेळाची पेटी. पयल्यांदा ही पेटी लय फेमस व्हती. चाकरमानीसुदा असलीच पेटी घेवन्, ती येस्.टी.च्या शीटखाली लपवून, नायतर येस्.टी.च्या टपावर ठेवन् मुंबैक जायत्, नायतर मुंबैसून गावाक् येयंत्. बऱ्याच वेळा ही फत्र्याची पेटी गाडयेत, प्रवासात आदळान चेपान् जाय. तिका पाँगा येयत्. मग घराक् किंवा खोलयेवर गेल्या नंतर ती ठोकून ठोकून सरळ करीत. अशा गडबडीत मग कधीतरी तिची बिजागरा मोडत, नायतर खंयतरी फत्रोच तुटान जाय. मग चाकरमानी ते पेटयेक चारी बाजून् दोरी बांदून घेवन् जायत्. शिवाय पेटयेवर चिटी लायंत - 'श्री बाबल्या तळगावकर, ताळगाव ते मुंबै, मुंबै ते बांद्रा.' आनी ती पेटी डोक्यावरसून घेवन् जायतं. बऱ्याच वेळा आपली नसली तर शेजाऱ्याची पेटी मागान घेयत्. त्या बदल्यात मग तेका दोन शेर तांदूळ नायतर खोबऱ्याची -साखरेची कापां मिळत. आता काळ बदाल्लो. आनी ते जागी सुटकेशी इले.

पन कायंव् म्हणा, त्या पेटयेंची मिजास तेवा भलतीच व्हती. तर ह्याच पेटयेंपेक्षा वायंच् म्होटे ते पेटारे! हे जसे फत्र्याचे आसंत तसे हेशीच्या काठये पासूनंय बनवलेले आसंत. हे पेटारे डोक्यावर घेवन् ही दशावतार मंडळी१०-१५ मैल चालंत दुसऱ्या गावाक् जायंत नी थंयसर धयकालो म्हंजे 'नाटक' करीत. सकाळी नाटक सपला की, चला दुसऱ्या गावात.

पन आता त्या दशावतारी नाटकांका पयले दिवस ऱ्हवले नायंत्. त्यामुळे ती करणारे कंपनी बंद पडले. नाटकात काम करणारे 'पार्ट'. म्हंजे नट आता पॉटापाणयासाठी मुंबै-

पुण्याक् जावंक् लागले. पॉट आनी संसाराच्या कातरीत सापडान् त्येंची नाटकांची हौससुदा आता कमी झाली. पन गावगावचे 'धयकाले' बंद नाय झाले. ते बंद केले, झाले तर गावावर म्होटा संकट कोसाळता ह्या भितीन् गाववालयांनी कसेतरी ते धयकाले आजून टिकवून ठेवले हंत. मग दशावतारी कंपनी नाय गावली तर गावातल्या पॉरांका जमवून त्यांका धयकाल्याचा 'इतियासीक' नायतर 'संगीत सामाजिक' नाटक करून् लावन् येळ मारून न्हेतंहंत्. आजूनंय न्हेतंहंत्. ही येळ आता भवतेक सगळ्याच गावांवर इली हां. तळेगाव काय त्या पासून येगळा नाय.

पन तळेगावचे पॉरही लय हौशी. कायजान तर ह्या हौशेपाय नोकरीत्सून रजा घेवन् नाटक करूक, नायतर बगूक गावाक् येतंत्. मुंबैसून येणारे गाडये, रेल्वेत ह्या दिसांत पाय ठेवक् जागा नासता अशी गर्दी आसता.

तर ह्या वर्सी बाबल्या गावकारान् अशा हौशी तरूण पॉरांका पारावर जमवल्यान् नी गावावर यंदा ओढावलंला धयकल्याच्या नाटकाचा संकट सांगल्यान्. पन बाबल्याची आनी अख्ख्या गावाची काळजी येका फटक्यात दूर जाली. कारण गावची पॉरा नाटक करूक गावतंला म्हणान् भलतीच खूस झाली. नाटका म्हंजे कोकणाचो जीव! त्यामुळा 'माका नाटकात घेवा, माका नाटकात घेवा' म्हणान् बाबल्याचा त्येनी डॉक्या खाल्यानी. गावान बाबल्यावरच ही जबाबदारी टाकलंली आसल्यामुळा आता बाबलो करीत ती पूर्व दिशा ठरलंली व्हती. त्याना ताबडतोब 'राजा हरिश्चंद्र' ह्या पौराणिक नाटक बसवूचा 'डिक्लर' केल्यान नी तरूण पोरांनी येकच हल्लोगुल्लो केल्यानी.

ठरल्यापरमान् पारा संबूरच माळावर येक माटव घालून त्याच्यातच रेसल घेवचा ठरला. तुकाराम, नामू, म्हारूती, सदू, रामा ह्या जाणत्या पार्टांबराबर बऱ्याच नवख्या पार्टांकही नाटकात पयल्यांदाच 'ब्रेक' गावलो.

त्यामुळे शा-शंबर लोकांफुडे नाटक करूंक् गावतंला, राजा-परधानाचे, राणयेचे, शिपायांचे कपडे घालून, मिशये लावन्, रंगान मिरवाक् गावतंला म्हणान् सगळे खूस झाले व्हते. म्हतवाची गोस्ट म्हंजे मनात कायतंरी येवजून बाबल्यान् आपून हिरश्चंद्राचा काम करतंलंय् असा 'डिक्लर' केल्यान नी सदूक तारामती बनवल्यान्, तर परशुरामाचो नारोबा ह्यो रोहिदास झालो.

अशा प्रकारे धयकालो चार दिवसावर इलो नी सगळ्या पार्टांनी आपल्या पावन्या रावळ्यांका, मित्रांका, कसाही करून यंदा तळेगावचो धयकालो बगूक येवचाच आवतान दिल्यांनी. बाबलो पूर्वी असल्या फुटकळ नाटकात कामा करी. त्यामुळा त्याका आपल्या कामाचो ईस्वास हुतो. राजा हरिश्चंद्र ह्या नाटकंय त्यॅना खंयच्या तरी गावात बगलंल्यान्. त्या मुळाच त्यांना राजा हरिश्चंद्राचो पार्ट करूचा ठरवल्यान्.

धयकाल्याचो दीस उजाडलो नी संद्याकाळी देवळात नाटकवाल्यांसाठी स्टेज बनली. सगळे गाववाले कांबळी-चादरी घीवन् फुडची जागा अडवूसाठी रात्री लवकरच जेवना आटपून देवळात चादरी-कांबळी हतरून बसले. असे चादरी-कांबळी हतरले म्हंजे ती जागा त्येंच्या कुटुंबाची रिजवर झाली. थंयसर दुसऱ्या कोनी बसता कामा ने असो अलिखीत नियंमच हुतो. झाला बुवा. रातरी नव व्हाजताच सगळे पार्ट देवळाच्या पाटी येका मांडवात रंगाक् बसले. कोनी बगू ने म्हणान् मांडवाक् चारय् बाजून चादरी लावल्यांनी. पन गांवची पॉरा तीं! ते चादरी फाडून, नायतर वर उचलून पार्ट कसे रंगतंत, कपडे कसे घालतंत ती उत्सुकतेन् बगूक् लागली. तारामती म्हंजे सदू चोळी आनी साडी न्हेसतंना तर तरूण पॉर काय-काय म्हणत् हुते ता इचारू नुको. निस्ते चेकाळतच हुते. पॉरांवर आरडान् आरडान् बाबल्याचो आवाज बसलो, पन पॉर काय आरड कमी करूक् तयार नाय. शेवटी सदूक दुसऱ्या पडद्याच्या आड न्हेवन् साडी नी चोळी न्हेसवूची लागली. हडे स्टेज संबूरच्या जागे साठी हीऽऽ भांडणा लागलंली. कोन कोनाचा

आयकतं नाय हुतो. त्याच्यातच ल्हान पॉरा डरत व्हती, मदीच फेफेत्री व्हाजत हुती, शिटये व्हाजत हुते नी फुगे ठोऽऽ करून फुटत हुते.

इतक्यात 'इले-इले' म्हणान् आरड झाली. लोकांका वाटंला पार्ट इले. अख्ख्या देवूळ मानसानी गच भरला व्हता. शिवाय देवळा भायर लॉक उबे हुते ते येगळेच! इले-इले म्हटल्याबराबर सगळी आरड बंद झाली. सगळे टवकारान् स्टेजकडे बगूक् लागले. पन बगतंत तर काय, स्टेजवर पेटी-तबल्यावाले हजर झाले. ते इले म्हंजे लवकरच नाटक सुरू व्होतला ह्या लॉकांनी वळकल्यानी. सगळे सावरान बसले, रडणाऱ्या पॉरांका त्यांच्या आयांनी तोंडात कायतरी देवन् गप बसवल्यानी. बगता बगता तबला-पेटयेन सूर धरून सगळा वातावरण भारून टाकल्यान् नी धयकालो सुरू झालो.

म्हणता म्हणता गणपती इलो. स्टेज संबूरचे पॉर गणपतीचे साँग कोणी हाडल्यानहां त्याबद्दल तर्क-वितर्क करूक् लागले. कारण त्या पार्टान तोंडावर गणपतीचो मुखवटो लावलंलो आसल्यामुळे तो कोन ह्या समजंत नाय व्हता. अशातच मोरवाली बाई नाचान् गेली, काळे कपडेवाल्या संकासुरान् सफेद दाढयेवाल्या बरमदेवाचे वेद चोरून न्हेल्यान्. संकासुराचा काम म्हारूतीन केल्ल्यान्. त्याना आपल्या स्वभावा परमान् लय इनोद करून लॉकांका पॉट धरून् हसाक् लावल्यान्. आनी ह्या सपता सपता स्टेजवर राजा हरिश्चंद्र भरजरी कपड्यात नी भरजरी मुगूट घालून, कमरेक् लाकडाची तलवार लावन् रूबाबात हजर झालो. ह्यो बाबलो गावकार आसा ह्या सगळ्यांका म्हायत् हुता. त्यामुळे कायतरी येडावाकडा बोलला, तर उद्या मेलो दारू पिवन् गाळी घातल्या शिवाय ऱ्हवाचो नाय, ह्याही पोरांका म्हायत् हुता. पन असा कोनी त्याका चिडवल्यान् तर उद्या कित्या? तो आता स्टेजवरच गाळी देयत् नी मारामारी करीत ह्येची परशुराम तात्यांका खातरी हुती. त्यामुळा त्येनी आजूबाजूच्या अचकट-विचकट बोलणाऱ्यांका आदीच सावध केल्यानी.

अशा तऱ्हेन् नाटक फुडे-फुडे सरकत हुता. नाटकात विश्वामित्र, तारामती, रोहिदास येवन् आपापला काम करून गेले, परत इले. नाटक खुपच रंगात इला हुता. लॉक गप ऱ्हवान् आयकत हुते. हळुहळू नाटकातल्या गोस्टीपरमान् सत्यवचनी हरिश्चंद्रान सपनात विश्वामित्राक दिलंला वचन पुरा करूसाठी आपला सगळा राज्य, संपत्ती दान केल्यान् नी काखेक झोळी अडकवून भीक मागाक् लागलो. लोकांका म्हायत नाय हुता, पन बाबल्यान म्होटम्होटे तीन-चार झोळये हाणून स्टेजच्या येका कोपऱ्यात ठेवलंल्यान्. त्याचा कामही लयंच रंगला हुता. त्या बगून लोकांचे डोळे भरान् इले हुते. काय बायका तर हरिश्चंद्राची परिस्थिती बगून रडाक् लागलंली. बाबल्यान तेचोच फायदो उठवल्यान नी झोळी काखेक अडकवून भीक मागाक् लागलो. पयल्यांदा पेटी-तबलावाल्यांनी त्येचे झोळयेत आठ आणे, रूपायो टाकल्यांनी. आपला आता जमतंला ह्या वळकान् बाबलो भीक देण्याचा गाना म्हणत् आनी रडाचो अभिनय करीत आता स्टेजवरसून खाली उतरान् सभामंडपात सगळीकडे फिराक् लागलो. लॉकही त्याका खरोखरोच भीक (म्हंजे पैसे) घालूंक् लागले.

बायाबापड्यानी तर रडत-रडतंच त्येची झोळी पैशानी भरून टाकल्यांनी. सभामंडपातच इतली कमाई झाल्यावर हरिश्चंद्र परत स्टेजवर गेलो, पैसे भरलंली झोळी येका कोपऱ्यात नीट ठेवल्यान् नी दुसरी झोळी घेवन् परत सभामंडपात उतारलो. अभिनय आनी गाना चालूच हुता. अशातच देवळाच्या बाकीच्या भागांतले आनी देवळा भायरचे लॉक तेका 'म्हाराज, हकडे येवा, हडे येवा' म्हणान् बोलवूक् लागले. बाबल्याक त्याच व्हया व्हता. बाबलो म्हंजे हरिश्चंद्र आता सगळीकडे फिराक् लागलो. बायका मांडयेचेर झोपलंल्या पोरांच्या आंगावरसून ओवाळून रूपायो, दोन रूपाये त्याच्या झोळयेत टाकूक् लागले. ह्याच्यात अर्धो- एक तास उलटलो, पन हरिश्चंद्र काय भीक मागान दमंना, आनी लॉकही ती देवन् दमनंत. स्टेजवरचे तारामती, रोहिदास, विश्वामित्र तसेच उबे ऱ्हवान् कंटाळले. तारामती बनलंल्या सदून तर स्टेजवरच इडी पेटवन धूर काढूक सुरवात केली. लॉकांचो लक्षच नाय हुतो. हरिश्चंद्रान सगळ्यांका भारून टाकलंल्यान्. तासाभरान् भली म्होटी दुसरी झोळी गचच भरून हरिश्चंद्र परत येकदाचो स्टेजवर इलो, दोनंय भरलंले झोळये नीट बांदून कोपऱ्यात ठेवल्यान्. तारामती, रोहिदास आनी विश्वामित्र (म्हारूती) ह्यांच्या लक्षात आता बाबल्याचो डाव इलो. पन आता खूप उशीर झालो व्हतो. तेवाच म्हंजे भीक मागतंना सुरवातींकच बाबल्याक् अडवला आसता तर बरा झाला आस्ता ह्या त्यांका कळान् चुकला. ऱ्हावन ऱ्हावन तेंचो लक्ष त्या झोळयेंकडेच जायत व्हतो.

फुडच्या अर्ध्या तासात दशावतारी नाटक राजा हरिश्चंद्र सपलां नी दोनंय झोळये दोन खांद्याक् लावन् बाबलो फाटफटीच्या त्या आंदारात्सून तसोच सरळ घराक् वाटेक् लागलो. मेल्याक् आंगावरचे राजा हरिश्चंद्राचे कपडे उतरवूचा सुदा भान नाय व्हता. सदून नी म्हारूतीन त्याका त्या झोळयेतल्या पैशाच्या वाटणीबद्दल इचारूचो परयत्न केल्यानी. पन बाबलो हरिश्चंद्राच्या भूमिकेत्सून आता वसकन भायेर येवन् म्हणालो "ही माजी सोताची कमाय आसा. तुमचो संबंद नाय, समाजला?" आनी दोनंय झोळये घेवन् राजा हरिश्चंद्राच्या वेशभूषेतच आंदारात दिसेनासो झालो.

- शाम मोरे

गॅझेटिअर विभाग,
महाराष्ट्र शासन, २७,
बरजोरजी भरूचा मार्ग,
फोर्ट, मुंबई-४०० ०२३
मो.: ०९८६९९०२३६२

मूल्यशिक्षण

सगल्यो जागतिक संस्था सातत्यान मनशाचें जिवीत सहज सुलभ करपाचीं उपकरणां तयार करपाखातीर कार्यरत आसात. ताका लागून दरेक गजाल कश्ट करिनासतना सहज कशी मेळटली हाचोच विचार मनीस करपाक लागला. ऐष-आरामाचीं साधनां वाडिल्ल्यान आळशी जावपाक लागला. खंयच्याय मार्गान सोपेपणी पयशे मेळोवप आनी सगळ्या सुखसुविदांचो उपभोग घेवप हाचेंच नांव जिवीत अशी आयज जिणेची सर्वसादारण व्याख्या जाल्या. भोगवाद वाडला. सगलेंच सहज मेळोवपाची प्रवृत्ती वाडल्या. जितलें आयतें मेळटा तितलें घेवप हीच जिणेची मोख जावंक लागल्या. भौतीक सुविधा मेळोवपाच्या नादांत मनशांतल्या मनीसपणाचो, नितिमुल्यांचो, सद्सद विवेक बुद्दीचो ऱ्हास जावंक लागला. सुखाची व्याख्या भौतीक सुविधांच्या चड-उण्या प्रमाणाचेर थारपाक लागल्या. मनाशाची योग्यताय ताचेकडेन आसपी सुखसुविधदांच्या साधनांवयल्यान थारपाक लागल्या. ताका लागून मनशाचे विचार स्वसूख आनी सुवार्था मेरेनूच मर्यादीत उरपाक लागल्यात. जो मनीस आपल्या सोयीचो, फायद्याचो फकत तांकांच म्हत्व दिवपाची वृत्ती वाडपाक लागल्या. मनशांकडेन आपल्या सोयीनुसार फायद्यापुरतें नातें दवरप ही आयची संस्कृताय जाल्या. घरकाम, रांदप, वाडप हे गरजे वांगडाच बायलेन 'जोडप' ही काळाची गरज जाल्या. घोव-बायल दोगांयच्या हातांत पयसो आयलो काय कोणूच कोणाचेर शेक गाजोवंक शकना. पूण हांगा एकल्यान जरी वर्चस्व गाजोवपाचो यत्न केलो जाल्यार मतभेद वाडपाक लागतात. परिणाम म्हळ्यार घोव बायलांच्या झगड्यांतल्यान विवाहीक जीण उध्वस्त जावंक वेळ लागना. समजिकायेचो अभावूच हाचें कारण आसा. नवीन लग्न जाल्ल्या तरणाट्या जोडप्यांक पयशे जोडपाच्या उमेदीच्या काळांत 'भुरगीं जावप' अडचण कशी दिसता. भुरग्याचो जल्म आवयच्या 'करियराक' आनी 'फिगराक' बाधा हाडटा. भुरग्यांक लेगीत आपल्या सोयीनुसार जल्माक हाडप. जल्माक येतकच ताचें संगोपन आनी उच्च शिक्षण हाच्या खर्चाचो विचार करून फकत एकूच भुरगें जल्माक हाडप. वंश वाडपाची गरज म्हणून. ताका सर्वगूण संपन्न करपाच्या हावेसान तरतरांची शिक्षणीक वर्जी ताच्या माथ्यार दवरून ताचें भुरगेंपणूच सोंपोवन उडोवप. खंयचीच गजाल सैमीकपद्धतीन जावपाक दिवप ना. पयशांच्या बळग्यार फटीची प्रतिश्ठा मिरोवप आनी असैमिक वागून पर्यावरणाची संतुळा इबाडप हाकाच आमी सभ्य संस्कृताय समजूंक लागल्यात काय कितें?

मनाशाचें मूल्यमापन आमी ताच्या उपयुक्तताये वयल्यान करपाक लागल्यात. ताका लागून घराब्यांतल्या जाणट्यांची सुवात उणी जावंक लागल्या. वृद्धाश्रम वाडपाक लागल्यात. आमचे भोवतणी आमीच आमच्या उपयुक्ततायेचो, ज्ञानाचो, सृजनशीलतायेचो आमचे सोयीनुसार आनी फायद्यानुसार बाजार मांडला. ताकाच लागून आमची उपयुक्तताय सोंपली, काळाची गरज सोंपली काय वाच्यार पडपाची पाळी आमचेरय येतली हें आमकां कित्याक कळना? आमचे हेच प्रवृत्तीक लागून हातपांय चलना जाले काय आमका असुरक्षिततायेची जाणीव जावपाक लागता. तातुंल्यान नैराश्य जल्मता.

हें सगलें टाळपाचें आसत जाल्यार आमचे शिक्षण पद्धतींत 'मूल्यशिक्षण' हो ऐच्छिक विशय दवरिनासतना मुखेल विशय दवरपाची गरज आसा. जीण योग्य तरेन जगपाखातीर नितीशास्त्र आनी कर्तव्याशास्त्रासारकीं मुल्यां जिणेत बिंबवून आपल्या सद्सत्विवेक बुद्धीचें आयकप गरजेचें. ते प्रमाण वर्तन करपाक आयच्यानच सुरवात करूया. आयज ना तर केन्नाच ना.

जिणेत नितीमत्ता, कर्तव्य पालन आनी शिस्त ह्यो तीन गजाली नासत जाल्यार सगल्यो उच्च शिक्षणाच्यो पदव्यो, गिरेस्तकाय, बुद्धिमत्ता सगलेंच व्यर्थ.

'मना हारशांत मारात एक नदर
सुखी जिणेचें रहस्य तुमचेच भितर'

-सिस्टर जॅसीन्ता पिंटो
समुपदेशिका,
अवरलेडी ऑफ
माऊंट कार्मेल हा. से. स्कूल
हरमल, पेडणे-गोंय

पालक भाजी गोंयांत चडशी वापरांत नाशिल्ली. पुणून बेळगांवचो भाजी पालो गोंयांत येत मेरेन पालक, मेथी हांची वळख जाली. पालक जिवाक खूब बरो. फकत मुळां भायर उडोवंचीं. बाकी देंठ, पालो सगळें वापरचें. अशा ह्या पालकाच्यो कांय परी हांव तुमच्या मुखार दवरतां.

पालकाचें तोंडाक

साहित्य : दोन तीन चुडयो पालक, दोन व्हडलीं कुलेरां तोरची दाळ शिजोवन, दोनतीन सुक्यो मिरसांगो, थोड्यो कोथमिऱ्यो, पांच-स मेथयेचे कण, रूची पुरती आमटाण, एक ल्हान कुलेर तांदळांचें पीठ. (वाटप आळेवपाक), दोन कांदे चिरून, रूची पुरतें मीठ.

करपाची तरा : पालकाची मुळां काडून तो बरो धुवन घेवंचो. चिरून मागीर धुवू नये. देंठ पालो सगळें बारीक चिरून घेवचें. चिरिल्ल्या कांद्यांतलो अर्दो कांदो तेलार परतुंवचो, मात्सो तांबडो जालो तसो चिरिल्लो पालक आनी शिजिल्ली तोरची दाळ घालची. उरिल्लो कांदो शिजोवंक घालचो. कांदो शिजता मेरेन सुक्यो मिरसांग, कोथमिऱ्यो आनी मेथी भाजून घेवंची. सोय, आमटाण, तांदळाचें पीठ, आनी भाजिल्लें सगळें वाटून घेवंचें. वयर सांगिल्लें वाटप वाटून घेवंचें. वाटप घालून एक खतखतो काडचो. मीठ घालचें. घरान आसलीं जाल्यार चार सुंगटा घाल्यार आनीक रूचीक जाता. सुकीं सुंगटां मोडून घाल्यार जातात. मात ती कांदो परतीता तेन्नाच परतून घेवंचीं.

हरव्या पालकाची किसमूर (कोशींबीर)

साहित्य : दोन चुडयो पालक, एक हरवी मिरसांग, अर्दो लींबू, एक मध्यम सो कांदो बारीक चिरून, मीठ जाय जाल्यार. इल्लिशी सोय.

करपाची तरा : पालक बरो धुवन घेवन बारीक चिरचो. तातूंत मात्शें मीठ घालचें. हरव्या मिरसांगांचे व्हडले कुडके करून घालचे. लिंबाचो रोस घालचो. वाडचे वेळार सगळें हातांनी मुड्डुवंचें. हरव्यो मिरसांगो काडून

Sponsored By : Chef Fernando's Nostalgia RAIA-GOA

उडोवंच्यो, जाय जाल्यार सोय घालची.

पंजाबी पालक

साहित्य : दोन चुडयो पालक, एक हरवी मिरसांग, एक टोमाट, कोथमीरेचो पालो मुठभर, आठ-धा बोयो लसूण, एक इंच आल्याचो कुडको (धुवन कुडके करून). दोन कांदे उबे चिरून, फोण्णाक तेल.

करपाची तरा : पालक धुवन बारीक चिरचो. हरवी मिरसांग कोथमिरेचे पालो, लसणीच्यो बोयो चिरून घेवंच्यो. टोमाटाच्यो फोडी करून घेवंच्यो. गॅसार आयदन दवरून तातूंत तेल घालचें. आसल्यार दोन तमालपत्रां आनी चिमटीभर शायजिऱ्याची फोण्णी करची नाजाल्यार बेर्ठीच सांसवां घाल्यार जाता. तातूंत कांदो चिरिल्लो मसालो घालून परतुंवचें. कांदो तांबसो जालो तश्यो टोमाटाच्यो फोडी घालच्यो. मात्शें परतून तातूंत चिरिल्लो पालक घालचो. मंद उज्यार कांद्या बरोबर फ्लावराचे तुरे नाजाल्यार मोटो चिरून कोबी घालचो. कांद्याबराबर परतुंवचो. रोटयो नाजाल्यार परोठ्यां वांगडा खावंची. खातना हुनशा भाजयेंत इल्लेंशे लोणी घालचें.

मटार पालक

साहित्य : मोटे पांचवे वाटाणे अर्द वाटी. तीन चुडयो पालक. जिते वाटाणे नाजाल्यार सुके वाटाणे पयले दिसा शिजत घालचे आनी दुसरे दिसा प्रेशर कुकरांन शिजोवन घेवंचे. दोन हरव्यो मिरसांगो, एक व्हडलोसो कांदो मोटो चिरून, सात-आठ लसणीच्यो बोयो. मुठभर जिती कोथमीरे पालो, अर्दे इंच आल्याचो कुडको, दोन टमाटां मोट्यो फोडी करून, मात्शी आमटाण, एक ल्हान कुलेर गरम मसालो. मीठ.

करपाची तरा : चिरिल्लो कांदो, हरव्यो मिरसांगो आलें, लसूण, कोथमीर मिक्सराचेर वाटून घेवंचें. ताचे पयलीं पालक धुवन बरो बारकायेन पळोवन थोड्या उदकांत शिजवन घेवंचो. तो न्हिवतकूच मसालो वाटिल्ल्या मिक्सराचेर पालक वाटून घेवंचो. तो काडून ताचेरूच सोय आनी आमटाण घालून वाटून घेवंचें. मिक्सर धुवंक पालक शिजयल्लें उदन नाजाल्यार वाटाणे शिजयिल्लें उदक घालून धुवन घेवचो.

आयदनात तेल घालून आयदन गॅसार दवरचें. तेल तापलें तशें हरवो मसालो घालून परतुंवचो. बरें तेल सुटलें म्हणटकच टोमाटाच्यो फोडी घालून परतुंवच्यो. ताचेर शिजयिल्ले वाटाणे घालून मात्शें धवळचें. ताचेर वाटिल्लो पालक घालचो. गरम मसालो घालचो एक खतखतो येतकच वाटिल्ली सोय आनी मीठ घालचें. चड पातळ दिसल्यार इल्लेशें कॉर्न फ्लॉर उदकांत घोळोवन तें घालचें. एक खतखतो आयलो म्हळ्यार भाजी जाली.

अशेंच पालक पनीर करचें. सगळें साहित्य आनी करप म्हळ्यार पालका सारकेंच मात वाटाण्या बदला पनीर घालचें. घालचे पयलीं पनीराचे कुडके करून ते मात्शे तेलांत तळून घेवंचे. त्याच तेलांत भाजी परतील्यार चलता.

चिकन पालक

करपाची रित : अर्द किलो चिकन बरें धुवन आरसाटे कुडके करचे. २ कुलेरां धंय मुठभर कोथमीरेचो पालो, आल्याचो कुडको आनी सात आठ लसणी बोयो वाटून त्या चिकनच्या कुडक्यांक लावन अर्दे वर दवरचें. प्रेशर कुकरांत शिजोवंचें. रोकडें शिजता. बाकी सगळें मटार पालका भशेनच.

मटण पालकूय करतात. पुण मटन शिजूंक वेळ लागता. चिकनाभशेन हुक्मी जायना.

- विमलताई प्रभूदेसाय
बेळगांव

डायरी-ए-कश्मीर

– दिलीप बोरकार

कसलोच कार्यक्रम नासत जाल्यार मनशाचें जीवन कशें उबगणीचें जाता!

म्हजे मुखार कसलोच कार्यक्रम नाशिल्लो. तरीपूण म्हजें स्वताचें अस्तित्व आशिल्लें. हें अस्तित्व म्हाका ओगी बसूंक दिना आशिल्लें. आपल्याचें अस्तित्व दुसऱ्याचेर अवलंबून आसता तेन्ना मनीस आपलो स्वतंत्र कार्यक्रम आखूंक शकना. आनी स्वताचो कार्यक्रम नासलो म्हणटकच मागीर तो मनीस थतर वितर जाता. ताका फुगासांव जाता. ताचो घुस्मटमार जाता.

हांव संवेदनशील, सर्जनशील मनीस. असल्या मनशाच्या वांट्याकूच हो घुस्मटमार आसता. हांवें घराकडेन म्हाका सवंय लावन घेतिल्ली. ती सवंय म्हज्या रगतांत गेल्ली.

सकाळीं साडेपांचांक उठप. पयलीं अलार्म लायतालों. तसो म्हज्या गांवांत रासवळ अलार्म आसाच. म्हज्या घरा कुशीकूच आमची सांत लॉरेन्स चर्च. तिची पांचांक घांट वाजता. मागीर स वरांचेर. रातचो बारा वरांचेर न्हिदपी मनीस हांव, रोकडेंच पांचांक उठप जमना. तशें जमता. पांच कितें आनी साडेपांच कितें! अर्दवराचो फरक. न्हीद पुराय जावंक अर्दवर लेगीत खूब जालें हें जरी खरें आसलें तरी पांचांक उठल्यार म्हजें गणींत चुकता.

गणीत अशें : साडेपांचांक जाग आयली. पंदरा मिण्टां टु बी ऑर नॉट टु बी करपाक घालयलीं. मागीर स्वताकूच समजावप. यू मस्ट गेट अप. आळशीपणा नाका. पावणेसंक उठप. पंदरा मिनटांनीं सगळें आटापप. स वरांचेर भायर सरप. गाडी घेवन जुवारी पुलार वचप. तशें चलून वचप शक्य आसा. चलतालोंय. पूण वाटेवेले सुणें चलूंक दिनांत. भोंकीत फाटीक लागिल्ल्यान धांवचें पडटा. आगशीच्या लोकानी म्हाका वेंचणुकेक लागीं केलोना आनी ह्या सुण्यांकूय हांव लागीं नाका आशिल्लों. त्या भायर सकाळीं नुस्त्याचे टेम्पो अशे धोफरायतात आपल्यो गाडयो, चुकून न्हीद लागली त्या ड्रायवराक जाल्यार हांव सासणाचो न्हिदलों मागीर.

ते परस गाडी व्हरून पुलार दवरप सोयिस्कर आनी शाणेपणाचें. पुलार पावता म्हणसर सवाय स. पुलार तीन राऊंड माल्ले म्हणटकच सात जालीं. परत गाडी घेवन बाजारांत पावतकच पेपरवालो, दुदवालो आयिल्लो आसता. पांचांक चलपाक गेल्यार हांची वाट पळोवंची पडटा.

तर अशें हें म्हजें वेळापत्रक. गोंयची ही गजाल म्हाका कश्मीराक कित्याक काडूंक जाय? फ्रिजांतलो बर्फ भायर काडटकच कांय वेळान उदक जाता. तशेंच गोंयची ही बर्फ जाल्ली सवंय कश्मीरचे थंडेंत नाय म्हळ्यार यादींचें उदक जावन जळामळाक पसरताच. ना तर म्हजे तळमळे कित्याक हें कशें कळप लोकांक!

सवंये प्रमाणे साडेपांचांक जाग आयिल्लीच. गोंयांत आशिल्लों जाल्यार चलपाक भायर सरपाचों. निदान वाचूंक-बरोवंक बसपाचों. पूण हांगा कांयच करप शक्य नाशिल्लें. फकत सकाळ जायसर, म्हळ्यार हेरांचे कार्यक्रम सुरू जाय म्हणसर आनी त्या कार्यक्रमाचो हांव वांटो जाय म्हणसर अशेंच हांतुणार न्हिदून रावपाचें?

कश्मीर हें खरेंच मधुचंद्रा खातीरूच बरें आसूंक जाय. उसरां मेरेन 'मलमली तारूण्य तुझे मी पहाटे पांघरावे' म्हणत.

म्हज्या सारख्यांक न्हय तें! कुकी-काकी साखरझोपेंत म्हणटात तशीं अजून गरम गरम रजई पोंदा आसूंक जाय. कुकी जे सर उठना ते सर काकीय त्या सुखाचो अणभव घेत पडलां आसतलें. हांव मात हांगा, कितें करूं आतां म्हणत लोळटालों.

खरेंच, जाण्टेपणार कांयच कार्यक्रम ना, वाचप ना, बरप ना अशे अवस्थेत हांतुणार पडिल्ल्यांचें कितें हाल जातात आसतले काय? मरणूय येना आनी कांय करपूय शक्य ना अशे अवस्थेंत आसप हाचे इतली व्हड ख्यास्त आनी दुसरी नासूंक जाय.

उठून गॅलरींत आयलों. दार उगडल्या बराबर गॅलरींतल्या वतांत बशिल्ल्यो साळोऱ्यो भुर्रर्र करून उडून गेल्यो आनी मुखावेले इमारतीचे गच्चेर बसल्यो.

हांगा चिमण्यो बिमण्यो व्हडल्योश्यो दिसनांत. कश्मीराक भितर सरिल्ल्याक सगळेकडेन ह्यो साळोऱ्योच साळोऱ्यो. साळोऱ्यां वांगडा हांवें बरोच काळ घालयला हे आदीं.

म्हाका खंयचोय प्राणी पोसप आवडना. ताणीं मुक्तपणान जगूंक जाय. जो कोण हे प्राणी पोसतात, तांका पांजऱ्यांत घालून दवरतात तांचो म्हाका दोळे फुटून राग येता. हांका दुसऱ्यांचें स्वातंत्र्य होगडावपाचो कसलो अधिकार आसा काय? अशें दिसूंक लागता. पूण हांवेंय ह्योच गजाली केल्यात बरोच काळ.

आमच्या भाटांत खंय ना खंय कळोव गेल्लो एक तरी माड आसतालोच. त्या माडाक पाडेल्यान (पक्षी) केल्ल्या बुराकांत वा माडांच्या कोळवांत जंय कोळोव हुमटून पडून जाल्ले सुवातेंत सारोळी तातयां घालून पिलां काडटाली. थंय पिलां काडल्यांत हें आमकां कळटालें. कित्याक भुर्रर्र करून साळोरेन येवप आनी भुर्रर्र करून वचप. मागीर त्या साळोरेच्या पोरांनी चोंची उगडून कुलकुलाट करप. तांचीं तीं उगडलेलीं तांबडींच तोंडां सकयल रावून लेगीत आमकां दिसतालीं. पूण तांचे वाटेक वचप ना ही आमकां घरची सक्त शिकवण आशिल्लीच.

तरीपूण केन्ना केन्नाय तो सुकलेलो माड वयल्यान मोखून पडटालो वो आनीक कित्याक लागून कोणाक खबर साळोरेचो घोंटेर सकयल पडटालो. मागीर घेऽ कुलकुलाट. त्या पोरांक माजरांनी, सुण्यानी खावंचें न्हय म्हूण मागीर तांका घरा हाडप. आईच्या वो पापाच्या निरिक्षणाखाल तांका वाडोवप.

चुडटांचे पिडारे कापून तांच्यो पट्ट्यो कापप. तांका बारीक बुराक करप. चुडटांचे व्हीर तासून त्या बुरकांनी घालून पांजरो तयार करप. त्या पांजऱ्याक व्हिरांचें दारूय करप. पांजरो करपाची ती कला आमकां कशी जमिल्ली खबर ना. पूण बऱ्यापयकी पांजरो जातालो.

मागीर त्या पांजऱ्यांत त्या साळोरेच्या पिलांची प्रतिष्ठापना. सारकीं पाखां फुटूंक नाशिल्लीं तीं तांबशीं तांबशीं पिलां बुरशीं दिसतालीं. तांच्या चोंचीकडेन हात व्हेल्यार पुरो चोंची उक्त्यो करून तांणी आरड मारूंक सुरू करप. तांचें तें इतलें रूंद उगडिल्लें तोंड आनी तो तांबडो तांबडो रंग म्हळ्यार आखखें विश्व गिळंकृत करपाची ती एक भट्टी कशी दिसताली.

ह्या पिलांची खावड म्हणपाचीय आकांताची. आमकां भुरगेपणार भाजिल्ले चणे खावपाक मेळटाले ते फक्त फेस्तावेळार. पूण हीं साळोरेचीं पोरां घरांत आयलीं म्हणटकच बाजारांत वचून चणे हाडचे पडटाले. ते फातरीर वांटून आई पीठ करून दिताली. ती पिठी उदकांत कालोवन त्या साळोरेच्या पोरांक थोडी थोडी खावोवची पडटाली. केन्ना केन्नाय लसूनणय घालची पडटाली.

ही खावड फक्त चण्या पिठये पुरती मर्यादीत नाशिल्ली. हें फक्त तांचें एका वेळावेलें शाकाहारी जेवण. मागीर तांकां गांयडोळ सोदून हाडून तांचे कुडके करून खावय, खंयच्यो बिरमुट्यो मारून हाडून तांच्या त्या खोर्नांत सोडप अशे नाना प्रकार करचे पडटाले. गांयडोळ पळयल्यारूच ओंकारी येवपी मनीस हांव, तांकां जमीन उस्तून भायर काडटा, साळोरेच्या पोरांच्या पोटांत माती वचत म्हूण ते साफ करता, आखखो तोंडांत घालीत जाल्यार ताळ्याक लागत म्हूण तांचे कुडके करून तांका खावोवप, मागीर जेवणावेळार अचूक त्या गायंडोळांची याद येवन जेवण नाका दिसप ह्या अती कश्टमय जीवनाचो हांव भुरगेपणार पिडेस्त आशिल्लों. पूण तातुंतय सूख लाबतालें.

एके साळोरेच्या बेवारशी पोरांक हाडून वाडयिल्ल्याचें तें सूख वेगळेंच आसतालें. मागीर त्यो साळोऱ्योय तितलेंच प्रेम दिताल्यो. आवाज आयकल्या बराबर ताणीं खोशयेन उडयो मारप. पांजऱ्याचें दार उगडल्या बराबर, खंयीय गेल्यार थंय मेरेन येवन खांदार बसप! भुरगेंपण हें अशें साळोऱ्यांच्या सान्निध्यांत सरिल्लें.

साळोऱ्यांक मैना म्हणटात. तोता मैना की कहानी सगळ्या लोकसंगीतात मेळटा. पूण पोपटाक आनी साळोरेक हांवें केन्नाच एकठांय पळोवंक ना. साळोरेचें आनी

पोपट, कीर बी पक्षांचें कशें जुळटा, तांचें प्रेम प्रकरण कशें रंगता आसतलें हो म्हजे खातीर सदांच एक प्रस्न आसतालो.

गोंयच्यो साळोऱ्यो बऱ्यो नाजूकशो. पूण ह्यो कश्मीरच्यो साळोऱ्यो आकांत. राक्षसी कश्यो. आपल्या आकारान कावळ्यांक लेगीत फाटीं घालपी. गोंयच्या साळोऱ्यांचे दोळे बरेऽ बारीक नकसूद. पूण हांगच्या साळोऱ्यांचे दोळे पळोवंक भिरांकूळ. आकार आनी रूप हाका लागून ह्यो साळोऱ्यो हल्लो बी करूंक येत अशेंय दिसले बगर रावना.

साळोरे विशीं कश्मीराक एक दंतकथा प्रचलीत आसा. हें कश्मीर खोरें म्हळ्यार हजारांनी वर्सां पयलीं एक जलमय वाठार आशिल्लो. हांगा एक भिरांकूळ राकेस रावतालो, जलोदभव नांवाचो. तो मनशांक, प्राण्यांक बी पिडापीड भोगयतालो. तांका खावन उडयतालो.

कश्यप रुशीन त्या जलोदभव राकेसाक मारून उडोवपा खातीर खर अशें तप केलें. तेन्ना देवी प्रसन्न जाली. तिणें साळोरेचें रूप घेतलें. आपले चोंचीन एक फातर उखल्लो आनी तो व्हरून त्या राकेसाचे तकलेर घालो. तो फातर पडल्याबराबर जलोद्भव जमनीभितर पुरवलो आनी ताचे वयर एक व्हडलो पर्वत जालो. श्रीनगरांत हो पर्वत अजून पळोवंक मेळटा. ताका 'हारी पर्वत' अशें नांव आसा. कश्मीरी भाशेंत साळोरेक 'हार' म्हणटात.

गॅलरीच्या कठड्यार, मुखावेले इमारतीचे गच्चीर एके हारीन बशिल्ल्या ह्या हारींक पळयत हांव म्हाका निकत्याच आयिल्ल्या वतांत शेकयतालों. कालचे वरींच सुर्यान दोंगराच्या पलतड्यान, रुखावळींच्या पानांतल्या किर्णां धाडूंक आरंब केल्लो.

कोणेतरी दारार माल्लें! कुकी आनी काकी म्हाका तयार जावपाक सांगतालीं. म्हळें हांचो सूर्य आयज खंयच्यान उदेलो काय इतले बेगीन उठपाक?

तांका आझादाचो फोन आयिल्लो, णव वरांचेर व्हरपाक येता म्हूण! तयार जावन रावपाक सांगिल्लें. तांणी गाडयेचीय वेवस्ता केल्ली खंय!

खऱ्यानीच णव वरां जावचे पयलींच आझाद आनी मन्सूर दारांत उबे. ताणीं सॅन्ट्रो काय कसली एक गाडीय हाडिल्ली. जॉन साबाची गाडी यो म्हणसर खंयच्या तरी एका इश्टाची गाडी ताणीं दोन दिसां खातीर मागून हाडिल्ली. आमकां कसल्याच प्रकारची अडचण जावंक फावना अशी सख्त ताकीद ताणें आपल्या ह्या भाच्यांक दिल्ली.

आयचो दीस ताणीं दल सरोवरा खातीर राखून दवरिल्लो. कित्याक तर गाडयेची वेवस्ता जावंक नाशिल्ल्यान दुसरेकडेन खंय वचप शक्य नाशिल्लें. आतां तर गाडी हातांत आयिल्ली. दांत आसात सर चणे खावपाचे, तशे गाडी आसा सर पयस भोंवन येवपाचें असो जर ताणीं निर्णय घेतलो जाल्यार ही दल भोंवडी मुखार पडपाची.

पूण ताणीं आपल्या एका वळखीच्या शिकाऱ्यावाल्याक आयज थरोवन दवरिल्लो. गाडी हातांत आयिल्ली ती उसरां. शिकाऱ्यावाल्याचें पोट म्हत्वाचें आशिल्लें आनी तातूंत कश्मीरी लोक उतराक चड मानतात. गोंयांत येवन धंदो करपी कश्मीरी लोकांचें सोडात. पूण थळावे कश्मीरी प्राण गेलो तरी दिल्लें उतर तोडपाक ना. हांगा तर त्या शिकाऱ्यावाल्याक दिसभराचें भाडें आमचेकडल्यान मेळपाचें! तें मागीर हांवें दिलें कितें वो जॉनसाबान वो काकीन दिलें कितें! शिकारोवालो नक्कीच वेळ आनी उतर राखपाचोच.

ब्रेकफास्टाखातीर आमकां गुजराती मेळिल्लोच. दुसरें खंयचेंय बरें हॉटेल मेळसर ह्याच हॉटेलांत खावप आमकां सोयिस्कर दिसतालें. आमचे ते दोगूय भालदार चोपदार आमकां त्या हॉटेलार सोडून खंयतरी पळिल्लो. आमचो ब्रेकफास्ट करून जाला मात, ते बील फारीक करूंक हजर. मागीर हांव करतां तूं करतां म्हणत तें बील फारीक करपाक झगडें. आमचे खातीर हे दोगूय आपलो वेळ दिताले. तातूंत आनी हो भार तांचेर कित्याक म्हूण तांका पयशे मोडूंक लावप ना असो आमी निर्णय घेवन तांचेकडेन कबलात केली. केन्नाय एकदीस फारीक करता ती वेगळी गजाल आशिल्ली.

श्री नगरांतलो हो दल सरोवराचो वाठार म्हळ्यार खऱ्यानीच मुखेल पर्यटन वाठार आशिल्लो. हांगाच एके हारीन कितलींतरी हॉटेलां. सगळ्या तरेच्या दर्जाचीं आनी दराचीं. मध्यमवर्गीयां पासून गिरेस्तांमेरेन सगळ्या स्तरावेल्या पर्यटकांची सोय हांगा जावं येताली अशी वेवस्ता आशिल्ली. उदकांत आनी जमनीर दोनूयकडेन एके रांकेन हॉटेलां. मदीं रस्तो. उदकांतल्या हॉटेलांक हाऊस बोट म्हणटात जाल्यार जमनीवेल्या हॉटेलांक हॉटेलां. तशें दराचे नदरेन फरक व्हडलो सो ना. पूण सगळे दीस हाऊसबोटींत सारल्यार ते हाऊस बोटींचें वेगळेपण कशें तोखेवंक मेळपाचें! एक दीस तातूंत रावपांतूच मजा आनी गोडी आशिल्ली.

दल सरोवरांत एके हारीन हे जलमहाल एकमेकाक तेंकून उबे केल्ले. दल

सरोवरांत सुमार हजारांवयर ह्यो हाऊसबोटी नांगरून दवरिल्ल्यो. दरेक बोटीच्या मालकान गिरायक ओडपा खातीर आपलेपरीन सजावट केल्ली. सुखसोयीप्रमाण तांचो अ, ब, क आनी ड असो दर्जो थारायल्लो. हॉटेलांक स्टार आसात तसोच हो प्रकार. दरेक जलमहालाची स्वताची एक शिकारो टॅक्सी. जलमहालांतल्यान तडीक येवंक आनी परत जलमहालांत वचूंक. जाय जाल्यार सरोवरांतल्यान भोंवडी करूंक.

जलमहालांत एक-दोन दीस रावपी हनीमुनाक आयिल्लें जोडपें दीसभर जलमहालांतूच रावप पसंत करता. एक दिसाचें भाडें फारीक केलां तेन्ना जाता तितलो वेळ त्या जलमहालांत सारप, म्हणचे पुरेपूर भाडें वसूल जालें अशी शी तांची ही मानसिकता. असली मानसिकता, विचारसरणी आशिल्ल्या लोकांखातीर हो जलमहाल कितें आनी एखाद्या हॉटेलाचो रूम कितें? एकूच.

जलमहालांत रावपा इतलें सूख आनी दुसरें ना. कश्मीराक येवपी दरएक मनशान एकदां तरी जलमहालाचो अणभव घेवंचो. जलमहाल हो फक्त त्या महालांत स्वताक बंद करून घेवपाखातीर न्हय. जलमहालाची खरी मजा आसता वेगवेगळ्या वेळाचेर डेकाचेर येवन, वरांड्यांत बशिल्लेवरी बसपांत. दल सरोवरांतल्यान शिकाऱ्यांत बसून रपेट करपांत.

खऱ्या रसिकान जलमहाल दोन दिसां खातीर घेवंचो. चड करून पुनवेच्या दिसानीच घेवंचो. एक रात जलमहालांतल्या अंतर्गत सजावटीचें सूख घेवपांत घालोवची. अदीं मदीं न्हिदूंक वचचे आदीं डेकाचेर येवन मळबांत नदर मारची. पूण थंयचे ते थंडेक लागून चडसो पर्यटक रातचो भायर सरपाचें धाडसूच करिना. मधुचंद्राक आयिल्लें जोडपें तर नाच ना. तरी पूण रसिकमनाच्या लोकांनी मुद्दाम हो अणभव घेवंक जाय.

सकाळीं सुर्योदय जावंचे आदीं शिकाऱ्यांतल्यान एक पासय मारूंक जाय आनी सरोवरांत भोंवता आसतना सूर्य हळुहळू वयर येता तेन्ना, दलांतलीं कमळां कशीं दिसतात तीं पळोवंक जाय.

पावसाचे दोन-चार थेंब गालार, नाकार पडटकच सोबीत अस्तुरेचें मुखामळ जशें वेगळेंच दिसता तशीं हीं दलांतलीं साळकां आपल्या पाकळ्यांचेर दंवाचे थेंब घेवन उदकाचे शय्येचेर पडून आसतात तेन्ना दिसतात. जशीं कितें तींय पानांच्या शिकाऱ्यांचेर बसून जलक्रिडा करतात.

मागीर तांचेर पडटा तीं उदेत्या सूर्याचीं किर्णां, तीं किर्णां पडले बराबर एक हय न्हय शी थरथर त्या साळकांच्या पाकळ्यांक सुट्टा. ती खरीच थरथर काय मनाक जाल्लो भास तें कळपाक मार्ग नासता.

उदेत्या सूर्याचे साक्षीन दलांतली ही शिकाऱ्यांतली सफर एक तरेची खुशालकाय भोगयता जाल्यार रातचेवेळार पीठ कशें पडिल्ल्या चान्न्यांत वेगळेंच सूख दिता. दलांतलीं सगळीं साळकां थंडेत कुडकुडत पाकळ्यो मिटून बोंगे जावन न्हिदल्यांत. शिकारेवाल्याच्या वल्ल्याच्या आवाजाचो लेगीत तांचे न्हिदेर परिणाम जायना. दलाच्या किनाऱ्याचेर एके रांकेत आशिल्ले जलमहाल आनी ताका तेंकून आशिल्ल्यो ह्या जलमहालाच्या धनयांच्यो राखपाखातीरच्यो खोंपी. तांका जाय जाल्यार जलखोपी म्हणूं येता. जलमहालांत पर्यटकांखातीर रोशणाय आनी तांच्या मालकांच्या घरांत एक टिमटिमपी दिवो. ह्या दल महालाच्या धनयांनी केन्ना आपले जलखोपींतल्यान भायर येवन एक रात त्या शाही महालांत सारल्या आसतली काय? दुबाव आसा.

कितेंय आसूं! पूण रातची दलाची सोबाय वाडयतात ती दिव्यांची रोषणाय केल्ले जलमहाल. हे रोषणायेक लागून आनी चान्न्याकूय लागून ह्या जलमहालांचीं प्रतिबिम्बा दलांतल्या उदकांत पडिल्लीं दिसतात आनी हो एकंदर माहोल पळयतकच हें सगळें संचरण सर्गांतल्यानूच चल्लां काय कितें असो एक आभास निर्माण जाता.

ह्या जलमहालांचो दर्जोय दर एकल्या पर्यटकाच्या बोल्साच्या वजनाचेर अवलंबून आसा. अती सूख-सोयीनी गच्च भरिल्लेय जलमहाल आसात आनी सादी राहणीमान आशिल्लेय जलमहाल आसात. तांका महाल कशे म्हणप होय प्रस्न आसा. ते पासत हाऊसबोटी हेंच नांव समाजवादाचे नदरेन योग्य आशिल्लें.

तरीपूण दरेक हाऊसबोटीक वेगवेगळीं नांवां.

निलोफर, नूरजहाँ, नूरमहल, ब्लू मून, हनीमून मास्कत, मुमताज पॅलेस, झुलेखा... एक ना एक. 'गोवा-कुवेत' म्हणूनय एक हाऊसबोट एकेकडेन आपलें अस्तीत्व दाखयताली.

जेन्ना इतिहासपूर्ण काळार कश्मीर खोऱ्यांतलो हो जलमय वाठार मेकळो जालो तेन्ना व्हडलीं व्हडलीं सरोवरां आनी मळां तयार जालीं. ह्या मळार वसती करप्यांक ह्या वेगवेगळ्या सरोवरांकडेन संपर्क करपाखातीर आशिल्ले ते फक्त जलमार्ग. हे ल्हान-व्हड व्हाळ आनी कालवे म्हळ्यारूच ह्या लोकांचे म्हामार्ग जावन गेले. अबूल फझल आपल्या 'आईने-ए-अकबरी'त बरयता त्या प्रमाण कश्मीरचो सगळो वेपार-उद्देग ह्या बोटींचेरूच निंबून आशिल्लो. मोगल सम्राट अकबर जेन्ना कश्मीराक पावलो तेन्ना ताणें बोटींची आवश्यकता मतींत घेवन बंगाली आराखड्याच्यो दुमजली, निवासी बोटी, तरंगपी घरां बांदपाचो आदेश दिलो. तांकां नक्षिदार जनेलांय आसूंक जाय म्हणपाचें सांगलें. थोड्याच दिसां भितर पुराय झेलम न्हंयच्या सरोवरानी हजारांनी बोटी उफेवंक लागल्यो. हांगचे गांवांकडलो संपर्क सुरू जालो तो बोटींतल्यान. श्रीनगर म्हळ्यार एक उदकाचेर उफेवपी शार अशें रूप घेवन मुखार आयलें तें ह्याच बोटींच्या निर्मितींतल्यान. श्रीनगराक 'पूर्वकडलें व्हेनीस' अशें पाचारपाचें कारण तें हेंच.

- चलता....

सल्लाचो

रेबीज

आमच्या गोंयांत माजरां-सुणीं हीं सगळेच कडेन आसतात. खूबशे लोक कुत्रीं-माजरां पोसतात, आवड म्हूण. हीं जनावरां पोसप म्हळ्यार तांची खूबशी कुयदाद घेवची आसता. तांचें जेवण, खाण, दुयेंसां, वासिनां, न्हाण-धुणें जशी मनशांची करतात तशीच तांचीय सेवा करची आसता. आमकां रसत्यांचेर भोवतात तीं कितलींशींच सुणी दिसतात. हांची कोण कुयदाद घेता? पूण जर तर एक सुणे चाबलें जाल्यार ताचेर सगळ्यांचेंच लक्ष वता. चड करून जाका तें चाबलां ताचें.

आतां आमका समजून आयलां सुणीं दोन तरेचीं आसात १) पोसलेलीं २)रस्त्यार भोवतात तीं. जर तर एक सुणें कोणाकूय चाबलें जाल्यार ताका प्रथमोपचार कसो दिवंचो.

सगळ्यांत पयलीं चाबला तो जागो (घाय जाला तो)भरपूर उदकान आनी शाबू लावन बरो धुवन घेवंचो.

जर तर तें सुणें पोसलेलें आसत, जाल्यार ताच्या मालका कडल्यान ताची सगळी खबर काडून घेवंची म्हणजे -

(I) ताका वासीन केलां जाल्यार!

(II) तो ह्या दिसांनी असोच कोणाक चाबला वा ताचे वागणुकेंत बदल जाला!

(III) तो दुयेंत आसा जाल्यार!

- जर तर तें रस्त्यावयलें सुणें आसत जाल्यार आनीक आनी वेळ काडपाचो ना- ह्या मनशाक रोकडोच दोतोरागेर व्हरचो आनी फुडलो उपचार सुरू करचो.

- तशेंच पोसलेल्या सुण्याक जर वासीन करूंक ना वा ताचे वागणुकेंत कसलोय बदल दिसत जाल्यार त्या मनशाक रोकडोच दोतोरागेर व्हरचो.

- जर तर सुणें बरें आसत, वासीन केलां जाल्यार आनी जर १० दीस पासून सुण्याचेर लक्ष दिवपाक म्हणजेच सुण्याचेर जर नदर दवरूंक मेळटली जाल्यार ताचेर लक्ष दवरपाचें.

- जर तर हें सुणें १०दिसां भितर मेलें आनी जर तुमी उपचार सुरू करूंक ना. जाल्यार दोतोरागर वचून रोकडोच उपचार सुरू करात. हें लक्षांत आसूं दी. -

१. रेबीज दुयेंस जालां तें सुणें १० दिसां भितर मरता.

२. रेबीज दुयेंसाचे जिवाणू सुण्याच्या दातांत न्हय पूण ताचे लाळेंत आसतात.

३. सुणें चाबत जाल्यार झाडो -पालो, गावठीं वखदां करचे पयलीं एका दोतोराचो सल्लो घेयात. अशें केल्ल्यान वखदां वेळार घेवप जातात.

४. सुणीं-माजरां पोसपी लोकांनी तांकां वेळार वासिना करून घेवंचीं. अशें केल्ल्यान दुसऱ्यांकूच न्हय पूण तांकां स्वताकूय रेबीज दुयेंसांकडल्यान संरक्षण मेळटलें.

५. सुणीं-माजरां वा दुसरीं जनावरां बरोबर वावुरपी लोकांनी आपल्याक वासिनां करून घेवंचीं.

हायड्रोफोबिया

रेबीज जाल्ल्या जनावरान जर मनशाक घास मारत जाल्यार ताका हें दुयेंस जाता आनी हाका हायड्रोफोबिया म्हणटात.

चड करून हें दुयेंस मनशाक रेबीज जाल्ल्या जनवरान चाबतकच तीन ते आठ आठवड्यांनी दिसून येता (पूण चाबतना चार दिवसांनीय तशेंच खूब वर्सांनीय मनशांक रेबीज जाता हें अशें घडिल्लें दिसून आयलां)

ह्या दुयेंसाची सुरवात जातना मनशाचें तकली उसळटा, आंग फोडटा, ताळो दुखता आनी मात्सो जोर येता. हें सगळें ३-४ दीस जाता. चडश्या मनशांक सुणें चाबलां थंय दुखता. तशेंच तो भाग मुयेल्ल्या बशेन जाता. हळुहळू हें दुयेंस नेर्वांनी पसरूंक लागता आनी (involves the nervous system) मनीस चिडचिडो जाता, ताका वारें, बोवाळ, उजवाड सोसना. तशेच ताचे सगळे स्नायू घट जावन येतात (muscle spasm) जेणे करून ताका खावपाक-पिवपाक त्रास जातात. इतले की उदक सुध्दां पिवपाक जमनां आनी निमणेकडेन उदकाक पळयल्यार लेगीत तांकां भंय दिसता आपल्याक दुखतलें म्हूण आनी तो उदक लेगीत पिवपाक भियेता. हाकाच हायड्रोफोबीया म्हणटात. अशें जातकच २-४ दिसां भितर हो मनीस मरता.

कुत्रीं-माजरां चाबलीं जाल्यार ताचेर दुर्लक्ष करूं नाकात, रोकडोच दोतोराचो सल्लो घेयात. तशेंच घरांत पोसलेल्या जनावरांची काळजी घेयात. तांका वेळार वासिना तोपोन घेयात. अशें केल्ल्यान तुमी जनावरांकूच न्हय पूण आपल्याकूय हें रेबीज दुयेंस जावंचें न्हय म्हण प्रतिबंधक उपाय करतात .

- डॉ. वंदना धुमे
फोन :९८२२५८५२८५

स्वताचे जाणवायेन वखदां घेवप धोकेदायक थारुं येता. तुमकां बरोवन दिल्ल्या वखदाविशीं (रशेद) जर कितेंय चवकशी करपाची आसत जाल्यार आमच्या फार्मासिस्टाकडेन उलयात.

हिन्दु फार्मासी
पणजी
फोन : २२२३११७३

उतरकुचाडें

– संतोष शिवराम हळर्णकार
बांदिवडे-बंदर,
फोंडा-गोवा ४०३ ४०१

आडवे

१. पयले 'गोमंतविभूषण' गोंयकार शास्त्रज्ञ
६. दीस (इंग्लीश) मन्ना ह्न – एक गायक
७. खरें लिपोवन दुसरेंच सांगप वा करप
९. सर्गांतली बाग
११. रूच, सुवाद
१३. मोल, किंमत
१४. आकार, आकृताय
१५. टॅक्स वा हात
१६. ह्नह्नह्न शरीफ– पाकिस्तानाचे आदले प्रधानमंत्री
१९. बैलाची वा रेड्याची जोडी
२०. काकाची बायल
२१. वारो
२४. ड्रामा
२६. 'म्हारग'च्या विरूध्द
२८. यज्ञकर्म करपी, धनी
३०. आळशी, मोव, नाजूक
३२. आंकडो, नाटकाचो भाग
३३. बुटाचें पोंदचें चामडें
३४. मनोवप, दबाजो करप

१			२		३	४	५	■	६
	■	■		■	७			८	■
९	१०				■		■	११	१२
१३		■		■	१४		■	१५	
१६		१७	■	■		■	१८	■	
■	१९		■	२०		■	२१	२२	
२३	■	२४			■	२५	■		■
२६	२७		■	२८				■	२९
३०		■	३१	■	■		■	३२	
३३		■	३४					■	

उबे

१. तुस्त
२. शीत कालोवंक केल्ली कडी
३. एक चामड्याचें वाद्य
४. त्रास, उबगणेचो वावर
५. आवाज, ध्वनी
८. सय-सुवाद नाशिल्लें
१०. मुखेल व्हडलें दार
१२. आशिर्वाद, मागणेचें दान
१४. घात करपी
१७. बारीकसाणीन केल्ली राखण
१८. वायट करणी, 'पुण्य'च्या विरुध्द
२०. गोडाचो पंक
२२.हिंदूंचो एक पवित्र रूख
२३. भोवतणची सुवात, वातावरण
२५. दबाजो, उत्सव
२७. तुफान, वावटळ
२९. अरिश्ट, संकश्ट
३१. खर इत्सा, आवड

रा	हु	ल	द्र	वी	ड	■	आ	श्वी	न
ज	न	■	■	धी	र	■	व	■	य
क	त	रे	ल	■	■	आ	य	ट	न
न्या	■	ल	■	मा	व	सो	भा	व	■
■	आं	गा	व	लें	■	■	स	र	ट
ता	ग	डी	■	■	व	व	■	प	र
■	व	■	अ	धि	क	र	ण	■	बा
वा	सा	वी	क	■	म	ट	■	चो	र
चा	र	■	स्मा	र	क	■	घा	म	■
ळ	■	बा	त	मी	■	मा	र	डो	ना

डिसेंबर उतरकुवाड्याची जाप

आयलें तशें गायलें

ताई, एक लव्हेबल व्यक्ती!

ताईक ह्या म्हयन्याचे ७ तारखेक ७५ वर्सां पुराय जातात. ताईक पळयल्यार तें खरेंच दिसना. ७५ वर्सां सरिल्ली व्यक्ती कशी आसूंक जाय? कपलाक आटयो घाल्ली, थकिल्ली, दुर्मुखलेल्या चेहऱ्याची. पूण ताई तर सदांच हसतमुख. केन्नाय पळय, तिका चिंता ना, ना हुस्को. खूब कमी बायलांमदीं आसता हो गूण.

ताई म्हळ्यार शशिकला काकोडकार. कोण तिका शशिकलाताई म्हणटा, कोण मिसेस काकोडकार म्हणटात. पूण फाटलीं तिसेक वर्सां हांव तिका ताईच म्हणटां. ताई म्हणपासारकी अजूनय म्हज्या जिवितांत ताई सोडल्यार आनीक दुसरी व्यक्ती कोण आयलीना. देखूनच जेन्ना जेन्ना ताईकडेन हांव उलयलां तेन्ना तेन्ना तें उलोवप अशें सहजतायेन जाता. ताईकडेन उलयल्ल्यावरी. आतांय हें बरोवप तशेंच, सहज, ताईचेर बरोवंचें तशें.

आयुश्यांत खूब बरोवप जालें. आतां खूब म्हळ्यार म्हजें आयुश्य खूऽब अशें न्हय. ताईपरस हांव तेवीस वर्सांनी ल्हान. तितलींच वर्सां म्हजीं बरोवपांत सरलीं. पूण ह्या तेवीस वर्सांत एक दिगंबर कामत सोडल्यार हांवें खंयच्याच राजकारण्याचेर बरोवंक पेन घेतलेंना. तांचें तासपाक, खिल्ली उडोवपाक लेखणी वापरल्या. पूण तांचेविशींच्यो भावना, आपलेपण उक्तावपी एक लेगीत वळ केन्ना बरोवन जालीना. बरोवंची अशी दिसलीच ना.

कुपां झडपाक खंय जमनीकडेन आर्द्रता आसूंक जाय. राजकारणी हे राजकारणी आसतात हें जालेंच. पूण तांचे भितर एक बरो मनिसूय आसता. राजकारण्यांची तुस्त गावपी खूबशे सुवार्थी लोक आसात. पूण म्हज्या सारख्यांक तर कोणाकडल्यान कांय घेवपाचें ना, कांय दिवपाचें ना. तरी मनासावन दिसता, ह्या बऱ्या लोकांविशीं जें कितें मनासावन दिसता. तें बरोवंक जाय. तांचेमेरेन तें पावंक जाय.

ताई म्हजी आदर्श, राजकीय फुडारी बी अशें काय न्हय. ताईचो हांव एक राजकीय, भाशीक विरोधक आनी एक साहित्यिक मित्र. खूब व्हडलो, न समजुपासारको विरोधाभास हो.

जेन्ना हांव विद्यार्थी चळवळींत आशिल्लों तेन्ना ताई गोंयच्यो मुखेलमंत्री. विद्यार्थी चळवळ म्हळ्यार फकत क्रांती. क्रांती सोडल्यार आमकां दुसरें कांयच दिसनाशिल्लें. भगतसिंग, राजगुरू, विवेकानंद हे गुरू. चेराबंडा राजू, नारायण सुर्वे हे आवडीचे कवी. अशे हे विचारसरणीत राजकारणी म्हळ्यार भ्रश्टाचारी. तांका काळीज बी म्हणटात तें ना असो कितें तरी समज त्या वेळावेलो.

विद्यार्थ्याखातीर ५०% बस सवलत मेळुंकच जाय अशी त्या वेळची आमची एकूच घोशणा. बशी फोडप, मोडतोड करप, मोर्चा काडप, अटक करून घेवप, क्रांतीकारी भाशणां करप आनी पुलीसांकडलो मार खावप हो आमचो दरदिसाचो कार्यक्रम. अकरा दीस आमचें हें युध्द चलिल्लें. त्या वेळार ताई म्हळ्यार कितें तें आमकां खबर ना आनी राजकारणूय खबर ना. 'एक दो एक दो शशिकला काकोडकर को फेक दो' अश्यो घोशणा मारून ताळो दुखोवन घेवप आनी चडूच फोडाफोड केली म्हणटकच ताईन आमकां आपोवन व्हरप वाटाघाटी करून प्रस्न सुटावो करूंक. मागीर आमचें शिश्टमंडळ केन्ना सचिवालयांत ना तर केन्ना पर्वरी तीन बिल्डिंगेकडल्या ताईच्या घराकडेन. ताई बिस्कुत्यो आनी च्या दिवन आमचेकडे उलोवणी करप.

विद्यार्थी चळवळ सामकी भारा आयिल्ली. गोंय मुक्ती उप्रांत अशी चळवळूच जाली ना अशें लोक उलयताले आनी आमक जेल चडटालें. एकदीस अशेच आमी चा पांच जाण सचिवालयाकडल्यान भाऊसाहेबांचो पुतळो आसा थंयच्यान रस्त्यावेल्यान वता आसतना फाटल्यान कोणेतरी आमच्या आंगार गाडी हाडली आमी कुशीक उडी माल्ली. गाडी पळयल्यार ताईची. ताणें आमचेर मुद्दम गाडी घाली काय आमकां तशें दिसलें, खबर ना. आमी आशिल्ले निमताक. बोवाळ घालूंक आमकां तितलेंच निमित्त पुरो आशिल्लें.

आमचेर मुखेलमंत्र्यांचो खुनी हल्लो बी अशें कितें तरी म्हणत आमी त्या काळचे मुखेल सचीव काय विकास आयुक्त आशिल्ले जे. सी. आल्मेदा हांगेर कागाळ घेवन गेले. आल्मेदा एक खरो गोंयकार. आमची अपुर्बाय करपी. ताणें आमकां समजायलें आनी ताई तशें करपी न्हय अशें सांगलें. पूण आमी तर निमताकूच राविल्ले, कितें तरी बोवाळ घालपाच्या!

जेसी आल्मेदान मुखेलमंत्र्यांक ही गजाल सांगली. ताईन बेगोबेग आमकां पर्वरी तांच्या घराकडेन आपयले. आमी गेले. ताईक आमी घडिल्लो प्रसंग सांगलो. तेन्ना ताईन आमचे खातीर केक आनी कॉफी हाडूंक सांगली. तिणें म्हळें, 'दिलीप, तुमी भुरगे म्हज्या भरिग्यांवरीं. म्हाकाय तुमच्या पिरायेचीं भुरगीं आसात. एक आवय मुखेलमंत्री आनी राजकारणी जरी आसली तरी तिचे तकलेंत असो विचार चुकून लेगीत येवंचोना.'

ताई तें जेन्ना सांगताली तेन्ना तिच्या दोळ्यांत एके आवयची माया म्हाका दिसताली. थंय ती मुखेलमंत्रीय नाशिल्ली

आनी राजकारणीय नाशिल्ली.

विद्यार्थी चळवळी, युवा चळवळी आमच्यो चलताल्योच. म. गो. चें सरकारूय चलतालें. राजकारणाचो खेळ सुरू जाल्लो. शशिकला काकोडकरांचो भ्रश्ट सरकार उडोवंक जाय म्हूण चळवळ सुरू जाली. आमी हें भ्रश्ट सरकार उडोवपाखातीर 'पिपल्स डेमोक्रेटीक फ्रन्ट' म्हूण एक संघटना केली. लाड, दिलखुष देसाय बी मगोतल्यान फुटले. सरकार अल्पमतांत आयलें आनी पडलें. तेन्ना भ्रश्ट सरकार बी म्हळ्यार कितें तेंच कळनाशिल्लें. आयज जें कितें चल्लां तें पळयल्यार भ्रश्टाचाराची आमची संकल्पना त्या वेळार वेगळीच आशिल्ली म्हणूंक जाय.

ताई म्हज्या सारख्याची 'दुस्मान' आशिल्ली ताचें कारण ती मराठीचे वाटेन आशिल्ली हेंच. पूण तिका हें भाशेचें राजकारण साहित्यांत हाडप आवडना आशिल्लें. बाकीबाब मराठी कवी पूण आपूण कोंकणी हें जगार सांगपी. ताईक बाकीबाबांविशीं खूब आदर. बाकीबाब म्हळ्यार तिचे खातीर एक दैवत कशें. रवीन्द्रबाब कोंकणी चळवळींत सक्रीय आशिल्ले. आपल्या उलोवपांतल्यान आनी बरोवपांतल्यान ताईक रवीन्द्रबाबान जितली खेपल्या तितली दुसऱ्या खंयच्याच कोंकणी फुडाऱ्यान खेपूंक ना. पूण ताईक रवीन्द्रबाबांविशीं खूब आदर. जेन्ना जेन्ना रवीन्द्रबाबाक कसलो ना कसलो भोवमान फाव जाला तेन्ना तेन्ना ताईन आपूण जावन रवीन्द्रबाबांक मेळून तांकां परबीं दिल्यांत. सुखाच्याच खिणाक न्हय तर रवीन्द्रबाबांचेर व्यक्तीगत जितलीं अरिश्टां आयल्यांत तेन्ना तेन्ना ताई पयलीं धावून गेल्या. हें सगळें वागप राजकारणी मनशाचें न्हय. हें वागप एका बऱ्या मनशाचें! सरस्पतीच्या उपासकाचें!

ताई १९९१च्या दरम्यान शिक्षणमंत्री आशिल्ली. म्हजीं तेन्ना पांच पुस्तकां प्रकाशीत जावपाचीं आशिल्लीं. शबाना आझमी ते पासत गोंयांत येवपाची आशिल्ली. ताई शिक्षणमंत्री म्हणटकच हो योग बरो जुळून येवपाचो जर तिणें सुवाळ्याचें अध्यक्षपद स्वीकारलें जाल्यार. ताई हे आदीं खंयच्याच कोंकणी पुस्तकाच्या प्रकाशन सुवाळ्याक वचूंक नाशिल्ली. तातूंत हांव तर तिका खंय ना खंय पिडिल्लों. तिणें म्हज्या ह्या सुवाळ्याक येवचें अशी अपेक्षा हांवें बाळगप म्हळ्यार लेगीत पिशेपणां आशिल्लीं म्हजीं. तरी हांव ताईकडेन गेलों. ताईन म्हाका कॅबिनांत आपयलो. भितर जितले कोण आशिल्ले तितल्यांकूय भायर काडले.

हांवें म्हळें, 'ताई आसूं तांकां. म्हजी कांय हरकत ना.' कित्याक सगळे मंत्री भरिल्ले सभेंतूच जनतेचे प्रस्न सोडयताले. चारचौगांत कोणेंय याचक म्हूण येवन याचना करपांतूच तांका धन्यताय भोगताली.

ताईन म्हळें, 'आमचेकडेन लोक येतात ते आपली कसलीय समस्या घेवन. ताणीं ती चारचौगां मुखार मांडची अशें म्हाका दिसना. ती सुटावी करप काय ना हो आमचे मदलो प्रस्न.' ताईचें हें म्हणणें रास्त आशिल्लें. तिचेविशीं तेचपासत कोणाकूय अभिमान दिसूंक फाव.

ताईक हांवें कित्याक आयलां तें सांगलें. शबाना आनी ताई हाणीं दोगांनीय सुवाळो सोबयलो. ताई ही मराठीवादी. तिका कित्याक आपयली काय म्हूण खूब जाणांनी म्हजेर टिका केली. पूण हांवें कोणा मराठी प्रेमीक आफोवंक नाशिल्ली हांवें आपयल्ली साहित्यप्रेमीक.

ताईचो खंयचो गूण म्हाका आवडटा? सांगूंक नज. ती एक बरी बायलमनीस. पूण सगळ्यांत तिचो व्हड गूण म्हळ्यार ती उत्कृष्ट ॲडमिनिस्ट्रेटर. गोंयच्या राजकारणांत तिचें इतलें ॲडमिनीस्ट्रेशन आनीक कोणाक जमपाचें ना. राणेकडेन तें आसा, दयानंद नार्वेकाराकडेन तें आसा. पूण ताई इतलें ना.

गोंयचे राजकारणांत खूब लोक सत्तेर आयले आनी गेले. सत्तेर आसा सर तांचे फाटल्यान भुरावळ भोवत रावली. सत्ता गेली तशी ते सत्ताधारी नाच जाले. रासवळ मळार खंयच दिसनांत. पूण ताई सत्तेर ना. ती सत्तेर आसतना तिचे फाटल्यान फुडल्यान जे कोण आसताले तांतलो एकलोय तिचे वांगडा ना. पूण आमचे सारके तिचे वांगडा आसात. कारण कितें तर ती आपयनासतना लेगीत साहित्यिक, कलात्मक कार्यावळींक हजर रावता. प्रेक्षकांत बसता. पुस्तक प्रदर्शनाक वता. नवें पुस्तक आयलें रे आयलें तें खंयचे भाशेंतलें हें पळयनासतना विकतें घेवन वाचता. कोणाचेंय कितेंय वाचतकच तें आवडल्यार फोन करून मुजरत आवडलें म्हूण सांगता. खूब दुर्मीळ हे गूण.

भाऊसाहेब बांदोडकारान कला अकादमीचें सुंदर सपन रंगयलें. ताईन तें पुराय केलें. ताई खंयच्याय पक्षाची आसूं. सत्तेर आसूं वा नासूं. कला अकादमीची अध्यक्षा तुवें जावंची अशें एका सभाग्यान तरी म्हणचें आशिल्लें!

ताईक आतां ७५ वर्सां सोंपल्यांत. वर्सांचो हिशेब हो आकडेमोडीक बरो आसा. ताईक हो हिशेब लागना. पूण आमकां लागता. ताईन खूब लागिच्यान गोंयचें राजकारण पळयलां. खूब लोकांक पारखिल्यात. भाऊसायब कोंकणीविशीं, गोंयचेविशीं कितें येवजिताले हें तिका खबर आसा. खरें फट कितें? कोण कसो कितें? हें ताईन अणभवलां. हो गोंयचो दस्तऐवज. ताईन तो बरोवन काडूंक जाय. तिचे खातीर न्हय. फुडले पिळगे खातीर. तेच खातीर म्हाका ताईक याद करून दिवंक जाय. ताई तुका पंचात्तर वर्सां. तुजे सांगाताक म्हजे सारख्या कोणाकूय एकट्याक दवर. तूं सांगता तें बरोवंक. ना तर तूं बरय. येता तशें बरय. सोपस्कार आमी करतात. ताई आमचे मदीं सासणाचीं उरूं दी ह्या पुस्तकरुपान. तेंच काम करपाक तुका उदंड आयुश्य लाभूं!

– दिलीप बोरकार
आगशी – गोंय

व्यक्तित्व

जल्म तारीख :

६-९-१९४१

जल्म गांव :

पाळवळें काणकोण

आवडिचें स्थळ :

पाळवळें

जिविताचेर प्रभाव घालपी व्यक्ती :

बापूय जुआंव फेर्नांदीस

आवडिचे कलाकार आनी तांची कलाकृती :

पडुआरदो ह्नो दा सोजा
मनहार राय सरदेसाय.

जिणेचें तत्वगिन्यान आनी ताचो कलेचेर प्रभाव :

गोंयकारान वा कोंकणी
मनशान आपलयाकोंकणी
मनशाक राखपाचो आसा
माडवपाचो वा घडवपाचो
मार्ग.

पुराय नामो :

जॉनसन, व्हिलमा, आमणें
केवं, गोंय.

हस्ताक्षर :

जॉन
३१/१२/२००९



जॅस फेर्नांदीश

६ सप्टेंबर १९४१ ह्या दिसा पाळोळेच्या सैमसोबीत वाठारांत जल्मल्ल्या जॅसान इंग्लीशींतल्यान बी. ए. करून सेनिटरी इन्सपेक्टर कोर्स घेतला. कोंकणी बरोवप्यांचो एकवट, कोंकणी भाशा मंडळ - गोंय, लेखक संघ ह्या संस्थांचो जिवीतकाळाचो वांगडी आनी कोंकणी चळवळींतलो एक निश्ठावान सवंगडी आशिल्ल्या जॅसान तियात्र, खेळ-तियात्र, नाटकां आनी एकांकिका बरोवन माचयेर हाडल्यात.

कथा, कादंबरी ताणीं बरयल्यात. तांच्या साहित्याक, कथा, कविता, मांडयागितांक, तियात्रांक इनामां फावो जाल्यांत. ख्रिस्ती धर्मग्रंथांचो अणकार करपी जॅस एक पत्रकार आनी चित्रकारूय आसा. फा. थॉमास स्टीफन केंद्राचो तांकां जेजुईत आंतोन पेरेर पुरस्कारय फावो जाला.

लिखणेची सुरवात धाव्या वर्सा पुर्तुगीज, इंग्लेश आनी कोंकणी दिसाळीं, नेमाळीं, आकाशवाणी आनी दुरदर्शन आदी माध्यमांतल्यान घडलां तांचें साहित्य दर्शन.

दिसपाक वयले वयर, कॉमीक कसो, काळजाची खराय खोल दर्याची, गर्भकुडीची व्हांवती नितळ, शितळ, झरांवाची आनी तकलेची अस्वस्थताय सैर भैर कविची असो हो कवी.

DON'T BE A HELL MATE WEAR HELMET

दुपहिया चलाते हुए हेलमेट अवश्य पहनें।

Always wear helmet while driving a two wheeler.

USE ISI MARK HELMET

FASTEN STRAP SECURELY

Issued in public interest by

TRAFFIC POLICE GP GOA

Your safety is our concern

POSTAL LIENSE NO.: G-2/RNP.Goa/01/2009-11 JANUARY 2

कलाकारांखातीर माचयेची उभारणी



- कलाकार कृतज्ञताय निधी: कलाकारांक अपंगत्व, अपघात, अकाली मृत्यू आदी अरिश्टां प्रसंगी तांच्या चलयांच्या लग्नाक पालव, आयज मेरेन असल्या घडणुकांत ५५ जाणांनी हे येवजणेचो लाब घेतला.
- अर्विल्ल्या सुविधायांची दोन जिल्हो वाचपघरां, दोनूय जिल्ह्यांत तयार जातात.
- कला गौरव पुरस्कार चालीक लायल्यात आनी तो दर वर्सा ६० कलाकारांक भेटोवन भोवमान करतात. आयज मेरेन १७९ कलाकारांचो भोवमान जाला.
- राज्याच्या सांस्कृतीक दायजाची जपणूक करूंक १४० संस्थांक आर्थिक पालव भेटयला.
- दरवर्सा १२ ते १६ उत्कृश्ट कलाकारांक गोंय राज्य सांस्कृतीक पुरस्कार भेटयतात. २१८ कलाकारांक हे सांस्कृतीक पुरस्कार भेटयल्यात.
- ७६१ भजनी आनी १९३ अस्तंत संगीत गटांक संगीत वाद्यांची भेटवण.
- तियात्रांची वेवस्तीत वाढ जावंचेपासत तियात्र कलाकारांक उर्बा दिवंक तियात्र अकादेमीची स्थापना.
- युवा सृजन पुरस्कार भेटयल्यात.

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa

Working towards a Secular & Prosperous Goa

Published & Printed by Dilip Borkar Owner of Bimb Monthly, 'Dharm-Laxmi', St. Lourence, Agasaim - Goa & Printed at Sahyadri Offset Systems, Corlim, Goa. Editor : Dilip Borkar, Ph.: 2438355, E-mail: bimbkonkani@yahoo.co.in